
मृद्गंध
सुरेखा तोटेकार

22.3.94

मृद्गंध

सुरेखा तोटेकार

राजहंस

मृद्गंध

©– सुरेखा तोटेकार

'साहित्य पसवण' भागीक : धा रूपया

प्रकाशन क्रमांक : 93

1993

प्रकाशक – राजहंस वितरण
1–मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्हुल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी, गोवा – 403 001

मुद्रक – राजहंस ऑफसेट
1–मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्हुल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी, गोवा – 403 001

मुखपृष्ठ – गजानन च्यारी

मोल
1993 – रु. 60/–
1994 – रु. 72/–
1995 – रु. 86/–

'पयलो चंवर' येवजणेत गोवा कोंकणी अकादमीच्या
पालवान हो संग्रह प्रकाशित केला

ISBN 81-85339-92-9

मांडावळ

- झोंपय १
- निकाल ९
- तुजेखातीर जीण म्हजी.... १४
- सैतान २१
- मनीसकाय २८
- आगळी यात्रा ३५
- आपुलकी ४०
- ताणें पिडेचो घात घेतलो... ४८
- इलो ५४
- पुनर्जल्म ६२
- ना आलतड ना पलतड ६८
- घुस्पल्ली जीण ७४
- चूड दाखोवन म्हारु... ८२
- उबंत आवय ९०
- काळखाच्या पोटांत ९८
- कुवाडें १०४
- तुजी वाट धर ११०
- वाऱ्यावेलें सपन ११७
- मिलेर फुटलो १२७
- नवी वाट १३१

झोंपय

आयजय ती आयली.. माडामुळांत बसली. हातांत एक फोलींचें बंडल.... शेळ्या रंगाची साडी... तसलोच पोलको... कपडे ठाकठीक... सवण्याच्या पाखांवरी भिरभिरपी घारशे दोळे... लांब भूल घालपी कुरळटशे केंस... काळशी धवशी काया... ती येवन सदचेवरीच जागो नितळ करून बसली. तिणें सगल्याक एक नदर भोंवडायली... जशें कितें सगलें दोळ्यांत भरून घेतलें. मागीर तें सगलें कागदार उतरावपाक लागली.

सांज जातकच तो सदांच दर्याविळेर येवन बसतालो... तिका पळयतालो... बारीकसाणेन नियाळत... थंयचे माड.. तो एका वातावरणान भरिल्लो वठार. अस्ताक वचपी सुर्याचीं तांबशीं किरणां... तांचेबराबर किटकिटपीं ल्हारां... सगलें ताका सदांचेंच... हालींच आनीक एकाची भर... ती चली...

ताका दिसतालें... ती हांगा येवन कित्याक बरयता ? कितें बरय़ता ? ती खंयची ? पूण हें सगलें विचारतालों जाल्यार तिणें म्हाका पळोवपाक तरी जाय...

मदन बशिल्ल्या जाग्यावेल्यान उठलो... दर्याविळेर येतना सदांच ताचीं पावलां झपझप पडटालीं. घुस्पल्ल्या पावलांनी आनी विचारांनी तो तिचेमुखार वचून उबो रावलो.

उलोवपाखातीर तोंड उगडलें... पूण अपयश... तिणें ताका पळयलेंना... आपल्याच विश्वांत आशिल्ली ती. मदनाक पळोवन लेगीत पळयनाशिल्लेवरी करताली... तिचें विचारानी घुस्पल्लें मन कागदार कशाय कशें भरकटत वतालें... ती मदींच थांबली... आपले म्हर्‍यांत कोणतरी उबो रावन आपपल्याक पळयता म्हणपाची तिका सुलूस लागली...

'माफ कर हावें तुज्या कामांत आडखळ केली ?'

मदनान धिरान उलोवपाक सुरवात केली. 'ना. तशें कांय ना.' तिणें मांडयेवेल्यान फोली जमनीर दवरल्यो. सारकी मांडी घालून बसली... तोंडावेलीं झुलपां दोनय हातांनी पयस केलीं.

'बस....'

तिणें मदनाक बसपाक सांगलें... तो लागसरच बसलो...

'तुजें नांव ?'

'मंजरी... पूण तूं...?'

'मदन...'

मंजरीन विचार केलो...

नांव अनवळखी...

'मंजरी ?.... एक विचारूं ?...'

'विचार......'

तिणें साडयेच्यो मिरयो एके वळीन लावपाक सुरवात केली.

'तूं हांगा येवन कित्याक बसता ?'

'हरशींच.... बेकारपणाचें काम...'

तिणें सकले मानेन जाप दिली....

'हांव तुका वळखतां... नांवान गांवान न्हय... फकत हांगा येवन बसता म्हणून... तुजेकेन उलोवपाचो यत्न करता...' मदनान उलोवपाक सुरवात केली.

मंजरीन जमनीर दवरिल्ल्यो फोली आनी पॅन काडून परत मांडयेर घेतलें... मदनाक दिसलें आपूणच उलयतां. ती वोगीच....

'म्हजी तुका आडखळ जाता ?'

मदनान विचारलें.

'अं... हय... ना... ना... तशें काय ना... तूं उलय. तिच्या मुखामळार

दिलगिरी... मदनाक पळोवन ती हांसली. थंड पाचव्याचार शेतावेल्यान वाऱ्याची झुळूक गेल्लेवरी... मदनान हांशाक येवकार दिलो.

'मदन, हांवय तुका पळयतां... एकोडो... सदांच थंय बसता... मदींच म्हाका पळयता... त्याच खिणाक हांव मान फिरयतां...'

'कित्याक ?'

'उलयन दिसतालें ?'

'हय...'

मदनान उर्बेभरीत जाप दिली...

उलोवणीं जालीं. नांव, गांव, नोकरी... मंजरी उठलें ओणव घालून फोली एकठांय केल्यो.... आपल्या काळजालागीं घट्ट धरल्यो....

'परत मेळुया'

अशें म्हणून तिणें घरा वचपाक पावल परतिलें....

'तूं खंय रावता ?'

मदनाचो प्रश्न.

'थंय'

माड, खोंपटां दिसताली थंय मंजरीन बोट दाखयलें.

'हांव हे वटेन थंय.... लागींच... हांवें हालींच बिराड करून रावपाक सुरवात केल्या' ... मदनान विचारनासतना सांगलें.

'बरें तर...'

'बरें...'

काळखाचें पसयेंत दोगांनीय घरची वाट धरली. दुसऱ्या दिसा बेगीनच तो वेळार आयलो... मंजरीची ओड मनांत... नदर मंजरीचे वाटेर... अजून मंजरी कशें येवंक ना ?... मनांत दुगदूग...

मंजरी पयसुल्ल्यान येतालें ते ताका दिसलें. पूण अजाप म्हणजे आयज तें रिकाम्या हातांनी आयिल्लें. लागीं पावलें तशे हांसलें. मदन दोन पावलां फुडें आयलो.

'मंजरी ?... आयज फोली.... पॅन, कांय ना...?'

मदनान अजापान विचारलें.

'आयज म्हाका वतना खूबशें व्हरपाक जाय... देखून रिकाम्या हातांनी आयलां.'

मंजरीन मदनाच्या दोळ्यांत पळयत् म्हळें. मदनाक त्या खिणाक कशेंशेंच दिसलें.

'बसून वाज येता... आयज आम्ही पांय मेकळे करुया ?'
मदनान विचारलें.

'चल या...'
मंजरीन हातान वाट दाखयली.

'मंजू ?'
मदनान एकदम उलो केलो.

'माफ कर... मंजरी ... ?'

'नाका मंजूच म्हण. म्हाका मानता...!'
दोगांच्याय तोंडार हांशें फुल्लें.

'पिवपाक कितेंय घेवया ?'

'न... नाका....' तें चलपाचें थांबलें.

'नाका कित्याक ? लजता ?'

'तशें न्हय हांव कोणाक लजतलें ? पूण आयज नाका.'
मंजरीचें लक्ष खंयतरी दुसरेचकडेन थिरावल्लें.

'मंजू ? थांबलेशें कित्याक ? कितें येवजिता ?'

त्या तळपार दर्याचीं ल्हारां येवन आदळटात. बारीक मोठीं. परत दर्याक वचून मेळटात. तो खीण सदांच म्हजे दोळे टिपतात...'

'तूं साहित्यीक... हांव विसरलोंच...'

व्हडलेंशें न्हय. पूण मन थंय घुस्पता इतलें खरें...'
दोगांय आनीक चार पावलां फुडें गेलीं...

'मदन ?... तो कावळो पळय...'

'कावळो ? हांव सदांच पळयतां.'

'पळय. विरुध्द दिशेन उडपाक सोदिल्ल्या कारणान खर्शेता...'

'मंजरी... तूं साहित्यीक जाल्ल्यान तुजी नदरच वेगळी...'
पूण तूं कितें बरयता ?

'बरयता कितें... हे वेळेर पडिल्ल्यो कितल्याशोच घुलो दिसतात... हांव तशींच उतरां पुंजायतां... जाली जाल्यार कथा.... नाजाल्यार व्यथा.'
मंजरी खळखळीत हांसलें... मदनय फाटोफाट हांसलो.

'कितल्यो कथा बरयल्यात ?'

'जायत धा... वीस...'

'हांवें वाचल्यात चार – पांच...'

'तुका आवडटा ?'

अधीर मनान मंजरीन विचारलें.

'हय.... एकदम बऱ्यो...'

मंजरी अमुरपिकें लजलें....

'तूं म्हजेर एक कथा बरयशी ?'

'कसली ?'

'एका अपेशी लेखकाची...'

'तूंय बरयतां ? कितें बरयलां ?'

'हांव बरयतालों. पूण आतां बरयना.... म्हजें साहित्य हांवें उजवाडावचें म्हणून खूबशा जाणांकडेन दिलें... तांकां तें मानवलेंना... हांवें बरोवपाचें सोडलें...

मागीर मंजरीच्यो आनी मदनाच्यो जायत्यो गजाली जाल्यो... साहित्याचेर तांचीं उलोवणीं जालीं. मंजरीन आपल्याक फावो जाल्ल्या इनामांविशींय मदनाक सांगलें. दोगांयच्या मनांचीं दारां सपाट उगडीं जालीं... एकमेकांक खूबशें कितें दिवन गेलीं... घेवनय गेलीं...

दोन तीन दीस मंजरी आयलेंच ना. दर्यावेळ उदास दिसताली. सूर्य आशिल्लो पूण ताचीं किरणां कुपांनी आडायल्लीं... ल्हारां गणयत गणयत तडीर येवन शिंपडटालीं... वारो नाशिल्लो.... माडय थंड उबे आशिल्ले.... दर्यांत पयस एक व्हडें उबें आशिल्ले.... मदन हें सगलें पळयत उबो आशिल्लो... त्या तळपा म्हऱ्यांत ल्हार येतालें पूण आपटचे पयलींच शिंपडटालें... मळबांत एकय कावळो नाशिल्लो... घुलांत जीव नाशिल्लो.... फकत दोनच पावलां उदेतालीं...

दुसऱ्या दिसा मंजरी आयलें.... मदनाक पळोवन हांसलें. तोच हांसो... पयले भेटेन मदनान अणभवल्लो.

'मदन, म्हजेर रागार ?'

मंजरीन विचारलें. पूण मदन वोगीच. रेंवेंत बोटान रेघोट्यो वोडीत...

'ना... कित्याक ?'

'हांव येवंक ना म्हणून... म्हाका काम आशिल्लें. येवपाक मेळूंक ना.'

'तशें कांय ना.'

मदनान रेंवेंत घुस्पायल्ली नदर वयर काडली... खरें म्हळ्यार तो रागार जाल्लोच. पूण ताचो राग मंजरीच्या हांशान केन्नाच विरगळून गेलो.

'मदन ? म्हाका तुजेसारको इश्ट मेळ्ळो... थोडोच तेंप जायत पूण म्हजें एकलेपण पयसावलें.'

'आयज अशें कित्याक उलयता मंजू?'

'हरशींच....'

मंजरी मदनाक कितें तरी सांगपाक सोदतालें. तिच्या हातांत पत्रिका... एक पत्रिका तिणें मदनाक दिली. ताणें ती चाचली. पुस्तक प्रकाशन सुवाळ्याक आपोवणें. मंजरीचो कथासंग्रह छापिल्लो. ताणें मंजूक पळयलें.

'कळ्ळें कितें तें....? तुवें येवपाकच जाय...' मंजून मदनाक आगऱ्यान सांगलें.

'येतलों तर... संद हांव वगडावंचो ना.'

मंजरी उलोवपाचें थांबलें. मदनाक कारण जाणून घेवपाची उमळशीक लागली. ताणें विचारलें.

'कोणाची आडखळ येताली.?'

'हय... म्हजो घोव.....'

कितें मंजू.... तूं लग्न.... ?

'म्हजें लग्न जाल्लें.'

'तुजो घोव ?'

मदन मंजरीचे मातसो लागीं गेलो. ती गंभीर जावपाक लागली; तिणें मदनाक फाट केली.

'मंजू... म्हज्या प्रस्नाची जाप कित्याक दिना ? कितें जालें ताजें ?'

'तो घोव न्हय, दुस्मान आशिल्लो... लग्ना उपरांत ताणें म्हाका छळपाक सुरवात केली....'

ती थांबली.

'कित्याक ?'

मदनान मंजरीचे फाटमोरे आकृतीक पळयत विचारलें.

कोणाकूच एकामेकाचे नदरेंत पळोवन उलोवपाचें धाडस जालें ना...

'पियेतालो... आपले आनी म्हजेय पयशे सोऱ्याक वगडायतालो...' तिणें दोळे पुसले.

'पूण आतां खंय आसा तो ?'

'ह्या जगांत ना.... '

'म्हणजे ...?'

'जीव दिलों ताणें... अशें लोक म्हणटात .... खरें म्हणजे.' मंजरी एकदम फाटी वळ्ळें. मदनाक पळयत रावलें आनी भुतकाळांत केन्ना रिगलें कळ्ळेंच ना. तो तेन्नाचो ताचो नूर, मत्सर, द्वेश, उतरां कणकणीं भरिल्लो. मदन चार पावलां फाटीं सरलो... म्हणजे मंजरी खुनी ?

'तो बांयंत पडलो....'

मदनाचो दुबाव पोल जालो

'कसो पडलो ?'

'मदन तो एक दीस...'

'कितें जाले मंजू ? सांग... हांव तुका समजतां.'

उलय कांयच मनांत दवरूं नाका....'

मदनान तिका थातारून धरपाचो यत्न केलो.

'तो एक दीस खूब पियेवन घरा आयलो. पुस्तकांखातीर जमोवन दवरिल्ले पयशे मागले. दिना म्हणून म्हजें साहित्य हांव खोंट मारून भायर वडयलें. बरोवप ताका कित्याक मान नाशिल्ले हांव नकळों.... म्हज्या हातांत पॅन आनी फोल पळयली की ताची पांयांची तिडक माथ्याक मारताली...'

'मागीर कितें जालें मंजू...'

मदनान हळवेपणान ताचे विचारलें.

'म्हजें मेकळेपण ताच्या स्वार्थापोंदा चिड्डलें'.

'पूण तुवें बरयल्यार ताचें कितें वतालें. ?

'हांव नकळों... ताची ती हळशीक नाका... हावें घर सोडलें',

'आतां रावता तें घर कोणाचें ?'

'आवयचें.... तो थंयच येतालो... खूब पियेवन ताणें म्हज्या पयशांचेर झोंपय मारली. पूण हांवें दिवंक ना... तो जळफळत गाळींचो शिंवर करीत घरांतल्यान भायर गेलो... आनी...'

'कितें जालें ?'
ती सुन्न नदरेन मदनाक पळयताली.
'कितें जालें मंजू ?'
'नेटाभितर वतां वतां ताजो तोल गेलो आनी... तें सोन्यान भरिल्लें बल्ल कांठ नाशिल्ले बांयच्या तळाक गेलें... पूण हावें बोब मारलिना...' मंजरीन सगलें सांगलें. आनी थांबलें. मदन कांयच उलयनासतना गंभीर जावन येवजूंक लागलो.
'मदन हांव आयज मुक्त आसां... तो आशिल्लो जाल्यार हें पुस्तक जल्माकच येवचें नाशिल्लें. म्हजें लेखिका जावपाचें ध्येय साकार जावपाक चड तेंप लागचो ना. ताच्या मरणा उपरांत म्हजी सगल्या बंदनांतल्यान सोडवणूक जाल्या... एकोडी जीण कितली बरी आसता... न्हय ?'
इतले म्हणसर तिळसांज जायत आयली. सूर्य बुडकी मारपाक तडीर उबो राविल्लो. मदनाचे नदरे मुखावेलो माड थंड उबो मळबाक पळयतालो... व्हडलें ल्हार दर्यांत उफेत तडीक येतालें... सुर्याच्या तांबड्या किरणां सकयल पाविल्लें व्हडें पयस जालें.. मळबांतलें काळशें धवशें कूप एकोडेंच वाट सारतालें...
मदन ताकाच पळयत येवजितालो – मंजू एकोडी जीण कशी जगता जायत ? जोडिदार म्हणून कोणय आसचो, ताच्या मोगाचो शिंवर घेवंचो अशें ताका दिसना काय ? खूबशे प्रस्न तकलेंत घुंवताले.
जेन्ना ताणें मंजरीची अवतिकाय पळोवपाक नदर सकयल केली... तेन्ना मंजरी दिसलेंना...
पयस रेंव माडयत ती घरची वाट चलताली... मदनाक एक खीण दिसलें तिचे फाटल्यान वचचें. पूण तो गेलो ना.

☆

निकाल

हेमा सदचेबरी कॉलेजींत वचपाक भायर सरलें. बस थाम्यार वचून तें आंब्याच्या रुखाखाला बसीची वाट पळयत उबें रावलें. ताका पळोवन दोग–तीग चल्यांच्यो जिबो चाळवल्यो. पूण ताणें दुर्लक्ष केलें. हें अशें वचत थंय घडटालेंच. कॉलेजींत जे ताचे बरेशे थोडे इश्ट आशिल्ले तांचेकडेन मात तें मनमोकळेपणान वागतालें. तातूंतलोच एक यादू हेमाच्या शेजारच्याच गांवचो. दोगांय एकेच बसीन येतालीं वतालीं. अभ्यासांत एकामेकांक मदत करतालीं.

कॉलेजींतल्या बाकीच्या चलयांपरस यादूक हेमा चड आवडटालें. कितें ना कितें निमित्त करून तो दीसभर हेमाफाटल्यान घुटमळटालो. पूण हेमा ताचें व्हडलेशें घेवन बस नाशिल्लें. तें बाकिच्या भानगडींपरसय अभ्यासाक चड म्हत्व दितालें. शिकून व्हड जावप आनी आवय–बापायलें सपन खरें करप हेंच ताचे जिणेचें ध्येय आशिल्लें.

आयज ताका थोडे नोट्स काडपाक जाय आशिल्ले देखून तें एकटेंच येवन लायब्रींत बसलें. ताका थंय एकटेंच बसलां तें पळोवन यादू थंय गेलो... रोखडीच ताणें आपली बडबड सुरू केली...

‘हुशार चली... परिक्षेक कितें सगले मार्क घेवपाचे थारायता काय कितें गो ?... आवय... आवय... कितें म्हणून

'अभ्यास करता...' अशें म्हणून ताणें मेज घस्स करून हालयलें...

'हांव बरयतां तें दिसना रे ? कितें जालें पळय हांगा... पयनीच म्हजें बरप वायट तातूंत तुवेंन हालयलें...'

ताणें बोंचो फुगयत म्हटलें. यादू उठलो आनी ताका तेंकून उबो रावलो.

'कितलें सोबीत अक्षर गो तुजें... तुजेचभशेन...'

'पुरो... पुरो कोणय आयकत...'

हेमान परत बरोवपाक सुरवात केली. यादू ताका पळयत रावलो. हेमाच्या हाताचीं लाम–लाम बोटां झरझरीत बरयत वतालीं. ताची नंदर जेपरी पुस्तकाचेर रोखून आसा तशीच ताणें खीणभर आपणाचेर रोखची अशें यादूक दिसलें. ताचे केंस वाऱ्यान हुबताले. घोटेरांत धवें फुल्ल तांती आसचें तशें ताचें तोंड त्या केसांनी लिपयल्लें. बरयतां बरयतां हेमाचें लक्ष वयर गेलें.

'हांव समजलें तूं गेलो दिसता...'

'हय वचन बरो. . .म्हाका मात्शी तुजी इतिहासाची चोपडी जाय... दिता मगो ?'

ताणें हेमाक हेळे काडीत विचारलें.

'पूण हावें सगले नोट्स काडूंक नात. अर्दकुटीच आसा. . जाय जाल्यार व्हर घे...'

हेमान चोपडी काडून यादूक दिली.

'फाल्यां दी हां...'

'दितां गो... हांव कितें चोपड्यो खातां ?...'

'तशें न्हय रे...'

आनी तें परत बरोवपाक लागलें. हेमाचें लक्ष कशेंच आपणावटेन ना तें पळोवन यादून थंयच्यान वतां वतां म्हटलें...

'बरें गो फाल्यां मेळचें...'

हेमान तीं उतरां आयकून न आयकल्लेवरी केलीं आनी आपल्या अभ्यासांत तें परत गुल्ल जालें...

दुसऱ्या दिसा यादू चोपडी घेवन आयलो. हेमाली चोपडी दिवन मोन्यानीच तो थंयच्यान गेलो. थोड्या वेळान हेमा वचून लायब्रींत बसलें. लॅक्चराक आजून एकवर आशिल्लें. ताणें इतिहासाची चोपडी उगडून चाळपाक सुरवात केली. भितर एक रंगीत पॅनान बरयल्लो कागदाचो कुडको आशिल्लो. हेमान तो काडलो आनी वाचपाक सुरवात केली. ताणें

तो वाचलो आनी पिनून भायर वडयलो. अशी चीट यादून बरयल्या तें पळोवन ताका खीणभर वायट दिसलें.

लॅक्चराची बॅल जाली. आयज लॅक्चराक वचचें न्हय अशें ताका दिसलें पूण परिक्षा लागीं पाविल्ली आनी आळसाय केल्यार मागीर कळप कठीण देखून तें क्लासांत गेलें. यादू पयल्याच बांकार बशिल्लो. हेमाचें भितर सरतनाच ताचेर लक्ष गेलें. आपणें ती चीट वाचल्या म्हणपाचीं कांयच चिन्नां तोंडार ताणें दाखयलीं ना. यादूक मात खात्री आशिल्ली. हेमान ती चीट वाचल्या आनी ताचें उत्तर मेळटलेंच. लॅक्चरां सोंपलीं आनी हेमान सरळ घरची वाट धरली. यादूय ताच्या फाटोफाट आयलो. बस आयली. कलकल करीत सगलीं बसींत चडलीं. आपापल्या बसथाम्यार पावतकच सगलीं भुरगीं देंवलीं. बसींन कॉलेजींतलीं म्हणटात तीं हेमा आनी यादूच आशिल्लीं. यादूच्या म्हऱ्यांतलो एकटो उठलो. यादून रोखडेंच हेमाक थंय आपोवन बसपाक लायलें. हेमा येवन बसलें. थंयच ताका तेंकून तो उबो रावलो. आयज तो हेमाकडेन लागशिल्ल्या नात्यान पळयतालो. पूण हेमा सदचेवरीच वोग्गी रावलें. थोड्यावेळान यादूकय हेमा म्हऱ्यांत जागो मेळ्ळो. चोर नदरेन ताणें हेमाक पळयलें आनी उलोवपाक सुरवात केली...

‘हेमा... तुवेंन इतिहासाची चोपडी उगडलेली ?’

ताणें हेमाचो अदमास घेतलो.

‘आं... हय... ना... ना... कित्याक ?’

हेमान अडखळत विचारलें... हेमान कांयच नकळो जाल्लेवरी आपली नुरा केली.

‘तुवेंन जर उगडूंक ना जाल्यार दी सांगतां...’

यादून हेमाच्या पुस्तकांत आशिल्ली ती चोपडी काडून उगडली. ती चीट तातूंन नाशिल्ली.

‘हेमा... तुका हावेंन चीट दवरलेली... कित्याक फट मारता ? तुवेंन ती वाचल्या... ना कित्याक म्हण्टा ? म्हाका खंयचीय वस्त मानवता ती हांव मागतां... हावेंन तुजेकडेनय मागल्या... हातूंत म्हजी चूक ना अशें म्हाका दिसता. ती दिवप काय ना दिवप हो तुजो प्रश्न. पूण ना म्हणूं नाका...’

आनी ताणें काकळुतेन हेमाक पळयलें. हेमाक कितें सांगचें कांयच कळ्ळें ना. थोडोवेळ फकत दोगांचेय जाल्ले स्पर्शच खूब कितें उलयले. पूण तांचो अर्थ एक गुपीत आशिल्लें. यादूचें बसीतल्यान देवपाचें जालें तशें ताणें हेमाक म्हटलें...

'हेमा... हांव देंवता... फाल्यां मेळचें.'

हेमा घरा आयलें. अभ्यासाक बसलें. ती चीट, बसीतलें उलोवणें सगलें ताका परत एकदां याद जालें. त्याच खिणाक ताणें कितेंतरी नित्शय केलो. आनी ते गजालींतल्यान अभ्यासांत उडी मारली.

दुसऱ्यादिसा परत यादू बसींत मेळ्ळो. हेमा ताका हांसलें तोय मोगान हांसलो. बसीतल्यान देवून कॉलेजींत वतना परत ताणें हेमाक विचारलें...

'हेमा, तुवेंन म्हज्या चिटयेची जाप दिवंक ना...'

पूण हेमा वोग्गी सकले मानेन पावलां मेजीत चलत रावलें...'

'हेमा... तूं उलयना कित्याक ?'

आतां मात हेमाच्यान राव नजो जालें. तें एकदम थामलें. आनी यादूक पळयत ताणें म्हटलें...

'हें पळय... निकाल परिक्षा जावन लागतलो...'

आनी ताणें पावलांत मात्सो नेट हाडलो...

हेमा अभ्यासांत मात्शें फाटी आशिल्लें देखून आयज ताजो कॉलेजींत निमणो दीस आशिल्लो. त्या दिसानंतर यादून हेमाची वाट पळयली पूण तें आयलें ना. घरा रावन तें अभ्यास करता जातलें अशी ताणें आपल्या मनाची समजूत घातली. दोगांय परिक्षेक दोन पयसुल्ल्या वर्गांत पडिल्ल्यान तशीं उलावपाक म्हणून शकलींच नात. निमण्या दिसा तर हेमा केन्ना घरा गेलें यादूक कळ्ळेंच ना. हेमा केन्नाय बसींन मेळिल्लें, उलयल्लें, हांशिल्लें पूण ताच्या वागण्यांत पयनी इतलीच निर्मळकाय आशिल्ली. कांयच फरक जाणवनाशिल्लो.

निकालाचो दीस उदेलो. परत एकदां सगलीं कॉलेजींत जमलीं. निकाल नोटिसबोर्डार मारिल्लो. हेमा आनी यादूय आयिल्लीं. दोगांय पयल्या वर्गांत पास जाल्लीं. यादूचें सगल्यांनी अभिनंदन केलें. प्रोफेसरांनी लेगीत ताका उखलून धरलो. पूण यादूचें समाधान जालें ना. तो हेमाचीं अभिनंदनाचीं उतरां कानार पडपाची आशेन वाट पळयतालो. इल्लीं–इल्लीं करून सगलीं भुरगीं गेलीं. हेमाय त्या गोंदळांत खंय गेलें ताका कळ्ळेंच ना. तो तसोच ताकतिकेन बस थाम्यार गेलो. थंय तें बसीत चडटालें तें ताणें पळयलें. यादूनय धांवत वचून बस धरली. दोगांचीय नदरानदर जाली पूण हेमान ताचें अभिनंदन केलें ना. . यादून बरोच वेळ वाट पळयली आनी हेमाक म्हटलें...

'हेमा... पास जाल्ले बद्दल अभिनंदन... तुका अशेंच यश मेळूं अशें हांव

देवाकडेन मागतां.'

पूण हेमान फकत नदरेनच ताका आभारी मानलो...

'ए... तूं म्हजेर रागार गो ?'

हेमान ना म्हणूक तकली हालयली.

'मागीर उलयना कित्याक ?'

यादू कसोच वगी रावचो ना. प्रश्नार प्रश्न विचारतलो देखून हेमान ताका बरोवन हाडिल्ली चीट काडून दिली. यादून ती घेतली. ताणें चितलें आयज बरो निकाल लागला आसतलो. बस थाम्यार पावतकच हेमा उठलें आनी बसींत आपलो कोणच ना अशे तरेन देवन गेलें. यादून चीट उगडली. चिटयेंत बरयल्लें...

यादव, तूं फकत अभ्यासाची परिक्षा पास जाला. जिवितांतल्यो खुबश्यो परिक्षा आजून पास जावपाच्यो आसात. म्हाका मेळयतलो जाल्यार जिवितांतल्यो उरिल्ल्यो परिक्षा तुका आयचेवरीच घसघशीत गूण मेळोवन पास जावंचें पडटलें. हांव तुका तातूंत यश येवजितां.

यादून चीट वाचली. एकदां वाचली... दोनदां वाचली. चीट मुठींत घट्ट आंवळून धरली आनी दोळे धांपले. ताचें हुतहुतें मन खीणभर थिरावलें.... 'निकाल आजून पयस आसा तर...'

☆

तुजेखातीर जीण म्हजी

माधु उठलो. भायर येवन वोंट्यार बसलो. ताची नदर चारय दिको सासपूंक लागली. पुर्वेक तांबशी फांकिल्ली. सकाळ जावपाचीं चिन्नां दिसतालीं. कावळे कांव–कांव करीत घोटेरांत पांखां फापुडपाक लागले. सवणीं सुर्यदेवाक येवकार दिवपाक दिगंतरा उडलीं. कोंबड्यो घुडांतल्यान भायर येवपाक सर्त लावपाक लागल्यो. कोंबे आळीपाळीन भोपाळी गावंक लागले. दसणीचे बोंगे तोंड उगडून दवाचे थेंब गिळटाले. सैमाचेर पातळायिल्ली धुक्याची चादर सुर्यान घडी करून खांकेक मारली.

वोंट्यावेल्यान माधु उठलो. झरीर वचून तोंड धुलें. दोळ्यांर पच्च–पच करून उदक मारलें. आंब्या पानाची चिवंडी केली. सैमाचें पद आयकत त्या तालार तो दांत घांसपाक लागलो. पयसुल्ल्यान येवपी साजू ताका दिसलें. साजून येवन मोन्यांनी सकले मानेन कंडुलो घेतलो आनी तें बेडे पुनोवपाक लागलें...

'आवय... आवय... आजूनय लज दिसता म्हजी ?'

माधुन साजूचो हात धरीत म्हटलें.

'सोडात पळोवया...'

'ना सोडचों ना... म्हजे दांत घांसून जाय म्हणसर हांगाच बस... मागीर दोगांय बेडे पुनोवया... म्हजी अर्धांगिनी न्हय

तूं ?...'

माधुन ताका लागीं वोडलें. साजू फकत हांसलें. तें थंयच फातरार बसलें. माधुक पळयत... माधुबराबर लग्न जायतसावन ताची सगली जीणच चंवराक आयिल्ली. दोन म्हयने जाले तें एके वेगळेच धुंदीत वावुरतालें. दीस सोंपून सोपनाशिल्ले... राती कशोच पावनाशिल्ल्यो.

'या मगो ?'

माधुन कंडुलो घेत म्हटलें.

साजू उठून ताचे फाटल्यान चलपाक लागलें. कुळागर ऐस–पयस पातळिल्लें तें निकतेंच जागें जातालें. एखादो बेडो ठप्प... करून जमनीर पडटालो. माथ्यावेल्या माडयेच्या गर्भाभोंवतणी आशिल्ली भाती जमनीर पडली. भिंगरांचो वास चारय दिको वोतलो. साजूचें लक्ष वयर गेलें. वयावेली माडी पुटाक आयिल्ली. माडयेचें भिंगर चंवरलेलें तातूंतले चार कण केळीपानार पीट–पीट पडले. नवो जल्म घेवपी कावतेचे कोम आपले आवयचे वेंगेंत बशिल्ले. साजू थंयच पळयतालें तें पळोवन माधुन म्हटलें...

'साजू ? नवी माडी पुटाक आयली. पांच वर्सांपयनी हावेंनच रोयिल्ली ती... आनी फुड्यांत पावपाक तिचें गुपीत फुटलें...'

साजुन मुरको मारलो... तें आनिकूय लजलें.

'ए... ए सांबाळ नाजूक जीव तुजो... पडशी बी तुज्यावांट्याचो **हांवच** लजतां...'

'पुरो हां... हांव वगी रावचेंना...'

साजू म्होंवाळ हांसलें. आनी चोरनदरेन पळयत म्हणूंक लागलें...

'तुका एक खबर सांगूं ?'

'कसली ?'

माधुन बेडे पुनोवपाक वोणोव घातिल्लो तशेंच विचारलें.

'सांगुं ?'

'सांग... मगो... कसली ?'

'हांव सांगिना...'

'जालें... लज... लज... लज... कितें बाये लज ही...'

माधु साजूलागीं आयलो. तें चार पावलां फुडें गेलें... दोळ्यांमुखावेले दुसरेय माडयेक कुकुलेच बेडे जाल्ले. माधुन साजूचो हात वोडीत म्हटलें.

'कितें पळयता गो आयज ?'

‘ए... हीय माडी पळय...’

‘तुका जालां कितें आयज...’

‘हांवय माडयेवरी... म्हाकाय दीस...’

ताणें सकयल नदर घाली. बेडे सोदपाक लागलें.

‘खरेंच ?’

माधुन खुशालकायेन विचारलें.

‘तर कितें फट ?’

‘तशें न्हय गो... हे बेडे पुनोवप आतां तुजें काम न्हय. चल घरा वच आनी च्या कर... खोशयेची खबर सांगली... तुका आयज कितें हाडूं ?... बाजाराक वतलों हांव’

‘म्हाका कांय नाका... तुमचो मोग आनी जीणभर सांगात पुरो... तेंच खरें म्हजें सूख...’

‘अशें कित्याक उलयता... चल... चल बेगीन...’

साजू गेलें... माधु खोशयेन भुरकुटलो. अशेच दीस वचत रावले. साजू मातशें जड जिवाचें जालें. पयनीभशेन काम पेलना जालें. चडशें काम माधुच करतालो. घरांत तीं दोगांच आशिल्ल्याकारणान मदत म्हण्टा ती कोणाचीच नाशिल्ली. साजूचो जीव भितरले भितर चिटमिट्टालो कारण एक–एक दीस जेवण लेगीत माधुच करतालो. उठ्ठा बसतना साजूक हातांचो आधार घेंवचो पडटालो.

आयज साजू माधुची वाट पळयत बशिल्लें. जेवण रांदून दोन तास जावन गेले. माधुचो पत्तो ना... ताका हुस्को जावपाक लागलो. भायर काळोख गुपाट जायत वतालो इतल्यांत...

‘साजू ? साजू ? दार उगड...’

माधुन उलो मारलो. साजून दार उगडीत म्हटलें...

‘कितली रात ?’

‘कितें करूं ? काम जालेंच ना...’

ताणें हांतपांय धुले. देवाक पायां पडटा, उजवात लायता म्हणसर साजून म्हणय पान घेवन वाडलें लेगीत...

‘साजू ? तूंय आयज म्हजेबराबर जेव...’

‘ना... हांव मागीर जेवतां...’

‘नाका. काल जेवतां म्हटलें आनी सकाळीं जेवण काडून भायर उडयलें.

पळोवना समजलां. यो गो बस...'

साजू आनी माधु जेवलीं. माधुक आयज पुरो जाल्लें. साजूच्यान नजो जावनय ताणें उश्टीं काडलीं. आयदनां घांसलीं. दारां धांपलीं. तें माधुचे कुशीन हांतुणार येवन लंवडलें.

'आयज पुरो जालें ? म्हजेर रागार ?'

माधुन ताका लागीं वोडलें.

'रागार ? कित्याक ? म्हजी ही जीण तुजेखातीरच. रागार जावन खंय वचूं ?'

थोडो वेळ मोन्यांनीच गेलो.

'ए... एक विचारूं ?'

प्रश्नार्थक नदरेन माधुन साजूक पळयलें.

'म्हाका तूं बाय काय बाबू दितलें ?'

'तें हांव कशें सांगूं ? म्हज्या हातांत आसा तें ?'

साजून म्हटलें.

'म्हाका बायच जाय...'

साजुन आपले भितरल्या मनाक विचारलें. कोण काय ? बाबू काय बाय? म्हाका बाबूच जाय...

'आयकलां... बाबू तो...'

'तुका कशें कळ्ळें...'

'म्हाका बाबू जाय देखून बाबूच जातलो. . देवाक सांगलां हावें तशें...'

'हावेंनय सांगलां...'

बाचाबाची चालू आसतना दोगांकय् केन्ना दोळो लागलो कळ्ळेंच ना...

तो दीस उदेलो. सांजवेळा साजू आड पडिल्लें. न्हिदलां थंय आशिल्ल्या जनेलांतल्यान ताका घराभोंवतणचो वाठार दिसतालो. माडयेन माडी शिपट्यांनी भरिल्ली. बेडे पिकून झडपाचे तयारेंत आशिल्ले. साजूक आयज जिवाक बरें दिसनाशिल्लें. बाळंतपणाचीं शिनालां जावपाक सुरवात जाली. पयनी तें वोगीच रावलें. सोसूं नजो जातकच ताणें तें माधुक सांगलें.

माधुन गाडी हाडली. जायतें सामान घेवन तीं इस्पीतळांत पावलीं. नर्सीन साजूक भितर बाळंटिचे कुडींत व्हेलें आनी माधुक सांगलें...

'तूं भायरच राव. तिका तपासपाक जाय...'

'कितलो वेळ लागतलो ?'

माधुचो प्रश्न.

'सांगू नजो...'

नर्स भितर गेली.

माधु भायरच पासयो मारीत रावलो. नर्सीन परत भायर येवन माधुक म्हटलें...

'दोन–तीन वरां वतलीं...'

ती भितर गेली.

माधुन बसला थंच्यान भितरली सुलूस घेतली. साजू खाटेर हातपांय बडयतालें. एक एक खीण वर्सांवरी दिसतालो. ताचे तळमळे माधुच्या दोळ्यांमुखार दिसताले. ताच्यो किळच्यो आनी उले ताचें काळीज चिरत वताले. दोन तास गेले... नर्स भायर भितर करताली. दोतोर म्हऱ्यांतच आशिल्लो. मिन्टां... तास... सोंपत रावले. माधु हजार वेळां बशिल्ल्या बांकावेल्यान उठलो–बसलो. ताणें देवाक जायते उले मारले...

'सुटली रे ?'

एके जाण्टे बायलेन माधुचे लागीं येत म्हटलें.

'ना...'

तो रडकुरें परतलो.

'बाबा देवच सगलें बरें करतलो... थंय हें तें पेड दिसता न्हय थंय वचून पायां पड...'

माधु उठलो. जड पावलांनी ताणें पेडाकडेन वचपाक सुरवात केली. ताच्या दोळ्यांमुखार फकत साजु तळमळटालें. म्हाका लागूनच ताका हे वळवळे सोंसचे पडले... ताका त्यो राती याद जाल्यो... त्यो पैजो... बाबू काय बाय... ताका त्या खिणाक दिसलें... अशें हें जिणेंत येदे व्हडलें दूख साजूक सोंसचें पडटलें आशिल्लें जाल्यार... नाका तो श्रृंगार... नाका त्यो राती...

माधु पेडावेल्या देवाक पायां पडलो...

'देवा, म्हज्या साजुक जाता तितले बेगीन त्रासांतल्यान सोडय... तुजी जाता ती सेवा हांव करतां... ताचे वळवळे कमी कर...'

माधुच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं. ताचे फाटीर हात दवरीत साजूच्या भावान म्हटलें...

'भावजी ?... अशें कितें करता... साजूक हांगा हाडलां म्हणून कळ्ळें...

सोमतोच हांगा आयलो...'

माधुन भरिल्ल्या दोळ्यांनी वयर पळयलें. उलयत उलयत ते साजूचे कुडीलागीं पावले. दोतोर चिंतेस्त मुखामळ करीत भायर आयलो...

'दोतोर कितें जालें ? साडेतीन तास जाले... म्हजें साजू ?'

माधुच्यान कशेंच राव नज जालें.

'माधु ? आनी कोण आयला ?'

दोतोरान विचारलें.

'आनंद... साजूचो भाव...'

'तिचो जीव मात्सो...'

दोतोराचें कपल आंठयांनी भरलें...

'दोतोर हांव पायां पडटां... ताका वांचय...'

माधुन दोतोराचे पांय धरले.

'भिवं नाका... यत्न चालूच आसात...'

'दोतोर... सुटलें तें...'

नर्सीन भितरल्यानच म्हटलें.

'माधु, बाब जाला बाब...'

माधु संतोशभरीत जालो... ताणें व्हड सुस्कारो सोडलो.

'हांव साजूक पळोवन येतां...'

माधुन आनंदाक म्हटलें. तो बाळंटीचे कुडीच्या दाराकडेन पावलो. नर्सीन ताका आडायलो.

'मात्सो राव. . दोतोरान सांगलां कोणाक भितंर सोडूं नाका म्हणून...'

माधुन थंयच रावन आनंदाक लागीं आपयलो. पूण तो कांयच सांगूक शकलो ना इतलो तो संतोशीत जाल्लो.

थोडो वेळ गेलो. माधुक परत हुस्को जावपाक लागलो. दोतोर भितर गेल्लो तो आजून भायर येवंकच नाशिल्लो. पार्तीक खरें रोखडेंच मेळपाक दिताले. साजूक कित्याक मेळपाक दिनात काय ?

नर्सीन भायर येवन दोगांकय आपयल्यात म्हणपाचें सांगलें.

'माधु तिका रगताची गरज आसा...'

दोतोरान माधुक सांगलें.

'दोतोर... म्हजें रगत काडात... चार–पांच बाटल्यो. पूण साजूक वांचयात...'

माधुन काकळुतेक येत म्हटलें.

'हांव पत्तो दितां. थंय वचून रगत हाडात...'

दोतोरान पत्तो बरोवन दिलो. आनंदान वचून रोखडेंच रगत हाडलें. दोतोरान बेगोबेग तिका रगताची पुरवण सुरवात केली.

साजुची तब्बेत सुधारताली. माधुक दोतोरान साजुक मेळपाक शकता म्हणून सांगलें. माधु भितर गेलो. साजूक जरी त्रास सोंसचे पडिल्ले तरीय पूण मुखामळार खोस उफेताली. दोगांचीय नदरानदर जाली. साजून खुणेनच माधुक बाबूक पळय म्हणून सांगलें. दोगांय हांसलीं...

बाळंत जावन साजूक आयज आठ दीस जाल्ले. दोतोरान आयज घरा वच म्हणून सांगिल्लें. बाबूक वेंगांत घट्ट धरून साजू घरा परतलें.

बाबू इल्लो–इल्लो सगल्यांक वळखपाक लागिल्लो. साजूचो दीस ताची नान्नूक करपांतच सोंपतालो. साजूक एक मात कळपाचें रावलें ना... माधु ताचेकडेन मात्सो वेगळेच तरेन वागतालो. पयनी इतलो मोग आतां साजूक मेळनाशिल्लो. हें गाराणें ताणे राती माधुमुखार सांगलें...

'बाबू जाल्ल्याक तुमी अशे कितें वागतात म्हजेकडेन ? म्हजेर पयनी इतलो मोग ना तुमचो...'

'साजू ? खरें सांगूं ?'

साजून माधुचे लागीं वचत म्हटलें...

'ना... साजू... बाबू जावंचेपयनी आमी एकामेकाचेर उपाट मोग करतालीं. तेखातीर तुका जें सोंसचें पडलें... साजू हावें थारायलां हाचेफुडें शारिरीक संबंद येवंक जायना...'

'अशें कितें म्हण्टात तुमी ? आंवंय... इतलेंच ?... त्रास हे दर एक बायल जल्माक भोगचेच पडटात... जर हे त्रास भोगलेनात जाल्यार बायल जल्म तो खंयचो ?'

'ना... पूण साजू ?'

माधुन ताका आडायलें...

'हें पळय कितेंय जालें तरी पूण तुजेखातीरच जीण म्हजी...'

अशें म्हणत साजू माधुच्या गोपांत वचून रिगलें...

☆

सैतान

भाता कणसांचो वांटो घेवन सीतेन घरची वाट धरली. खर्शेत ती चडण चडून मेकळे वाटेर पावली आनी अर्दी वाट तर माडयली म्हणून तिका सूऽऽऽ जालें. आयज तिका जाता तितले बेगीन घरा पावपाक जाय आशिल्लें. घरा सांडून आयिल्ल्या दोगांय भुरग्यांचो तिका परत परत हुस्को जातालो. सगुण, तिचो पांच वर्साचो चेडो कालचे रातीं जोरान चडच तळमळटालो. सकाळीं जोर गेल्लो पूण ताचो जीव सांमकोच अर्दो जालो. तीन वर्सांचें चली, झेपूक ताचेकडेन सोपोवन ती आयज लुवणेक आयिल्ली. सगल्यांत चड हुस्को आशिल्लो तो नाराचो. नारा फकत तिका कुकमाक आदार. सोऱ्याक लागून तो घरांतलें सामान सुमान लेगीत विकपाक फाटीं फुडें पळयनाशिल्लो. घरांत जर ताका पडभर तांदूळलेगीत दिसले जाल्यार पोराबाळांच्या आनी सीतेच्या कश्टांची पर्वा करिनासतना ते गादयेर व्हरून दिवन सोरो पितालो.

लग्न जावन एक दोन म्हयने जाल्यात आसत नारान पिवपाक सुरवात केल्ली. सकाळच्या पारार लेगीत तो गादयेर दिसतालो. इतलो पितालो पूण ताका सुध्द आसताली. जाय तेन्ना तो घरा येतालो. कितें जाय कितें नाका तें ताका दिस्त कळटालें. ताचें घरा येवप चडशें रातचें, तेंय बी सैतानाच्या

रुपान..... तो मजुरी करतालो पूण सोऱ्याच्या पयशांपुरतीच. घरांतल्या जेवण खाणाचो जी सगलो खर्च सीताच करताली.

भुरगीं कितें करतात काय ? घोव आयला काय ना ? सगुण कसो आसा ? येवजिता म्हणसरच तिका पयसुल्ल्यान आपली खोंपटी दिसली. सदांच भायर सपणार बसून झेपू आनी सगुण तिची वाट पळयतालीं पूण तीं दोगांय तिका दिसलीं ना. सीता कामाक वता तेन्ना सगुणच रांदन पेटयतालो. ह्या वेळार सदांच खोंपीवयर धुंवर दिसतालो. पूण आयज सगळें सामसूम आशिल्लें. कोणाची जाग ना. बेगिबेगीन ती फाटलेवटसून फुडल्या दारांत आयली. पळयल्यार दाराक कडवो लायिल्लो. 'आरे.... हीं गेलीं तरी खंय ?' अशे म्हणतच तिणें कणसां आंगणांतच वडयलीं. कडवो कडेन काडलो. झेपू भायले कुडींत न्हिदलेलें तें तिणें पळयलें. सगुण दुसरे कुडींत परवंतालो तो आवाज तिणे आयकलो. दुसरे कुडींत पावल मात दवरलां तिका खप्प जालें. सीतेन सगुणाच्या कपलाक हात लायलो. जोरान तो सामको खतखततालो. पेल्यांत उदक हाडून तिणें ताच्या कपलार घडी घाली पूण घालता तितकोच वेळ... जोर आटपाक येवपाचीं कांयच चिन्नां दिसनाशिल्लीं. तिणें सगुणाक जायते उले मारले पूण ताणें कांयच उलोवपाची तयारी दाखयली ना. त्या बोवाळांत झेपू उठलें आनी सीते म्हऱ्यांत येवन बसलें. तोंड उगडून दोळे चोळीत–चोळीत सगुणाक आनी आवयक टुकूटुकू करून पळोवपाक लागलें. तीन वर्सां जायत ना जायत तोंडांतल्यान व्हांवपी लाळेचे वळेसर आजूनय पोटावेल्यान सकल देंवताले. आजूनय ताका सारकी बुध्द येवंक नाशिल्ली. पूण सगुणाक कितेंतरी जाता आनी हे खातीर आवय भितल्ले भितर हुंडकेता हें ताका समजतालें. तें बशिल्लें थंयच्यान उठलें. सगुणाच्या पोल्यांक, दोळ्यांक कानांक, केंसांक ताणें हात लायलो. कितेंतरी लुडब्या उतरांनी फुतफुतलें आनी कोनशाक वचून बसलें. जमीन सारयताना वण्टीचे कुशीक दाटशें शेंण उरिल्लें आनी सुकिल्लें तें ताणें नाखटान खरपून कपचे काडले. ते कुरू कुरू करून खावपाक लागलें. मदींच थूक..... फू करून थुकलें. थुकपाचो आवाज आयकून सीतेचें ताचेर लक्ष गेलें.

'तीन वर्सांचें पोर जालें तरी कळना गो माती खावंची न्हय म्हणून... उडय...उडय पयनी...धोलका... ये झेपू... वडयता काय ना गो ?...हाड ती

बडी...'

झेपूच्या कानार तिचो एकय शब्द पडलो ना. ताचे कान खंय गेल्ले देव जाणा. शेणाचीं कापां खावन जातकच ताणें माती खरपुपाक सुरवात केली. एक ल्हानसो गुंडो मेळ्ळो तो खालो. आनी मातयेक बोटां लावन नुतयेक चिकटल्ली माती चपचप करून चाटपाक लागलें.

'झेपू... उठलें काय ना गो ?... येता हां... अवदिसा मरे ही. ये झेपू' ...

तरी पूण झेपून आपलें काम चालूच दवरलें. तें पळोवन सीता उठली. खस्स करून ताका कडेन वोडलें. आनी घब्ब... करून उकते फाटीर एक थापट मारलें. तेबराबर ताणें पेंपारें वाजोवपाक सुरवात केली. फळ्ळ करून तोंडांतलें शेण–मातयेचें कालवण पोटावेल्यान जमनीर गळ्ळें. हाताक धरून वोडीत तिणें झेपूक आपल्या म्हऱ्यांत हाडून बसयलें. बाबड्याक मातयेची, रूच खायन खायनशी दिसता पूण कितें करतलें ? आवयचे तांबडे जाल्ले दोळे आनी सगुणाक तें परत पळयत रावलें. माथे खरपीत. ताचे केंस जायती निगा करिना जावन झोंपां कशे वाडिल्ले. उवांच्यो झुंड्यो वुळवुळटाल्यो. सीतेन हालीं ताचेर लक्षच दिवंक नाशिल्लें.

'आवो... आवो...'

'सगुण, कितें जाता ?... निवळ जाय ?... हां.. पळय दोळे उगड..' तिणें ताच्या हाताक धरून हळू हालयलो. पूण ताका घडये तें कळ्ळेंच ना जावंये तो परवंतच रावलो.

'पुताक म्हज्या कितें जाता देव जाणा... भुरग्यांखातीर घोवा बायलेन तरास काडपाक जाय.... वोगी भुरगीं मेळनात. पूण हो... म्हाका फकत कुकमाक आदार... खंय लोळत पडला देव जाणा... सांज जावपाक आयली. आजून पत्तो नो... देवा पाव रे म्हाका...'

ती एकलीच बडबडत निवळ हाडपाक गेली. निवळ तापोवन घेवन आयली. न्हिवचो म्हणून मात्शी रावली. रातची दोळ्यांच्यो पातयो चिकटावपाक लेगीत तिका फुरसत मेळ नाशिल्ली. पूण नारा हालीं सामकोच फातरा काळजाचो जाल्लो. ताका पयलींय म्हणून केन्ना पाझर फुटलोच ना आनी फुटपाचीय आशा नाशिल्ली. येवजितच तिणें बोटवो उगडलो. भितर सांसर्पिले. फोपळाचीं कुडको तोंडांत वडयलो. तो चाबडायता म्हणसर निवळाचें वाडगें न्हिवलें.

'यो गो झेपू... हो तुका... ' झेपून आनी वाट पळयल्या, व्हदळचे मातयेन भरिल्ले हात ताणें रोखडेच वाडग्यांत बुडयले... चाटले... परत बुडयले... कुयां आसा काय पळोवपाक तळ सांसपिलो. हाताक लागलीं तीं खालीं....

सीतेन सगुणाक ल्हवू उलो करीत सांसपीत उठोवन बसयलो. कपलाची हूम आपल्या पदरान पुसली. निवळाचो वाडगो उखल्लो आनी सगुणान घुटू घुटू करून तोंड वांकडें करीत तो निवळ पियेलो. सितेन परत ताका हांतुणार न्हिदयलो आनी पांगरूण घालें. तिकाय पुरो जाल्लें. इल्लो निवळ आपूणय पिवंचो म्हणून वाडग्यांत वोतलो. पयसुल्ल्यान नाराची सुवारी पदां गायत येताली तें तिणे आयकलें...

'पिरये पाहाऽऽ ऽऽ पिरये पहाऽऽ ऽऽ ' हात वावाडीत लकत लकत तो लागीं पावलो. 'आवय... आवय गे... मेलों... मेलों.... मेलों' ताणें व्हडल्यान किळंची मारली. किळंची आयकून सीतेन वाडगो थंयच आपटिलो आनी भायर धांव मारली. पळय जाल्यार नारा फातराक आपटून सकल पडिल्लो. पांयांच्या आंगठ्यांतल्यान रगत व्हांवतालें. सीतेन आनी थारो केलो ना.... एक हात खाक्यांत घालून घोवाची जिती जिवी कूड तिणें मरण कशी घरांत हाडली. आनी सोंप्यार दवरली. तो पदां म्हणत बडबडत रावलो आनी एकदम उठलो. झेपू उश्ट्यांतच घोरेतालें. सीतेन ताका उखल्लें आनी साकाट्यार घातलें. सगुणाक दोळो लागिल्लो. सीता मात जागीच आशिल्ली. चिंतीत... 'देवा म्हज्या पुताक बेगीन बरो कर. तुका फुलां झेलो दिता... नागेशा पाव' ... आनी त्याच खिणाक मात्सो निवळत आयिल्ल्या नारान कुडींत पावल दवरलें. सीतेक खप्प जालें. काळीज धडधडपाक लागलें. लागीं येवन तो बसलो तें पळोवन ती फाटीं सरली.

'सीते... अशी लागीं यो... म्हाका तूं जाय... खरेंच यो... पिरये' ... आनी ताणें तिचेर घालून घेतलें.

'ऊठ... सैताना... म्हाका सोड...' तिची तिडक मस्तकाक मारली. ताबडेगूंज दोळे थरथरपाक लागले. हात शिंवशिंवपाक लागले. तिणें ताका पयस धुकल्लो आनी धांवत भायर आयली. म्हेडीक तकली तेंकोवन तिणें हुंडक्या हुंडक्यांनी रडपाक सुरवात केली... नारा उठलो. लवंडत लवंडत भायर आयलो. सीतेक थंय पळोवन तो आनी चाळवलो. गाळी मारीत ताणें

परत तिका वेंग मारली. आतां मात तिका कशेंच सोंसना जालें. जाता तितल्या नेटान तिणें ताका पयस धुकल्लो आनी कुडींत येवन घडांयच... करून दार घालें. थोडो वेळ नारान थय थय घालो आनी सोंप्यार ताणून दिलें.

पंदरा दीस जाले अशें हें घडत आशिल्लें. भुरग्यांक लागून आनी नाराच्या रातच्या सुखाचे बळजबरीक लागून सीतेचो जीव सामक्रोच अर्दो जाल्लो. आतां मेरेन तिचे चार बाळंटेर जाले पूण पदरांत दोनच भुरगीं उरिल्लीं. तांचीय निगा तिचेकडेन सारकी जायनाशिल्ली. हातांतलो पयसो सगुणाक खर्चिलो. दोतोरान सांगिल्लें जोर गेलो तरी पूण वखद थोडे दीस चालूच दवरपाक जाय नाजाल्यार परत बरो ना जावन पडपाची भिरांत आसा. काल तिणें सगुणाच्या उरिल्ल्या वखदांखातीर शेजाऱ्यांपाजाऱ्यांकडेन तोंड फापुडलें पूण कांयच हाताक मेळ्ळें ना. नारान वचत थंय रिणां केल्लीं ताचे पयशे पावलेबगर तिका कोणच पयशे दिवपाक तयार नाशिल्लो.

तिच्या दोळ्यांमुखार त्या दिसाचो प्रसंग आयलो. दोगी नर्सी कुटूंब कल्याण केंद्रांतल्यान कुटूंब कल्याणाचे कितें फायदे आसात जावं ताचेखातीर कितें करपाक जाय ताची माहिती गांवगिऱ्या अज्ञान लोकांक दिवपाक आयिल्ल्यो. भुरगीं चड जावची न्हय म्हणून तांणी जायते उपाय सांगिल्ले. ते करून घेवप्याक पयशेय मेळटाले. चार दिसांभितर बायलमनीस घरा वचून आपलीं कामां करपाक शकताली... पयशे... करून घेवप्याक शंबर रुपया.... ती शंबर रुपयांची नोट तिका झग्ग करून दोळ्यांमुखार दिसली. तिका दिसलें आपणें जर तो उपाय करीत जाल्यार भुरगींय जावचीं नात आनी ते शंबर रुपया सगुणाक वखदाक उपकारतले. घोवाच्या त्रासांतल्यान सुट्टली. आयज जरी तो कांयच चलना जावन न्हिदला तरी पूण फाल्यां उदेवपाचो रावचो ना. सदांच अशें हे घडटलें तेपरस... येवजितां येवजितां तिका दोळो लागलो...

कोंब्या सादार ती उठली. दार उगडलें. तिचेपयलींच नारा उठून सोंप्यार बसून विडी फुसकायतालो. तोंडांतल्यान नाकांतल्यान जो धुंवर भायर सोडटालो ताका पळयत कितें तरी चिंततालो. ताका पळोवन रातचो प्रसंग परत तिच्या दोळ्यांमुखार येवपाक लागलो. जायते कपडे घेवन घरांतल्यान दोगांय भुरग्यांसयत आवयगेर वचपाक ती भायर सरली.

'हांव आवयगेर वतां... सगुणाक जोरान... जिवाकय बरेना ताच्या... पंदरा दीस...न्हय तो बरो जातकीच हांव येतलें...'

इतलेंच घोवाक सांगून तो किर्तेंय म्हणचे आदींच तिणें खोंपी पेल्यानचो आंखाडो हुंपलो. नारा तांकां पळयतच उरलो.

आवयक वचून सीतेन सगलें सांगलें. चार दिसांखातीर भुरग्यांक थंय दवरून ती हॉस्पीटलांत वचून दोतोरणीक मेळ्ळी. दोतोरणीन तिका विचारलें...

'कितें जाता ?'

'कांय ना... म्हाका भुरगीं ना जावपाचो उपाय करपाक जाय... देखून आयल्यां...'

'हां... कळ्ळें... यो...' दोतोरणीन तिका तपासली.

'म्हण्टकच केन्ना येता तूं ही शस्त्रक्रिया करून घेवपाक ?'

सीतेन रोखडीच तयारी दाखयली. दोतोरणीनय सीतेक सगली माहिती दिली.

तिची ती ल्हानशी शस्त्रक्रिया जाली. हांतुणार न्हिदिल्ली थंय सीतेक एक खीण सूख लागनाशिल्लें. अशेच दोन दीस गेले. तिसऱ्या दिसा मात तिका सगुणाचो सामकोच हुस्को जावपाक लागलो. मन थाऱ्यार उरना जालें. परत सगुणाचे तळमळे दोळ्यांमुखार दिसपाक लागले. दोळ्यांतल्यान भळभळीत दुकां व्हांवपाक लागलीं.

दोतोरणीन येवन तिका तपासली. आनी फाल्यां घरा वच म्हणून सांगलें.

घरा वचपाक सीता भायर सरली. दोतोरणीन येवन शंबर रुपयांची नोट तिच्या हातार दवरली आनी कितें काळजी घेवपाक जाय तें सांगलें.

सीतेक केन्ना काय आवयघरा पावन अशें जालें. चलपाक जायनास्तना लेगीत तिणें सडसडीत पावलां वडयत बस धरली. बसींत लेगीत तिका सगुणाचीच याद येताली. ते शंबर रुपया तिणें मुठींत घट्ट धरले. गावांत पावली तशी ती बसींतल्यान देवली आनी धांवतच आवय घराचे वाटेक लागली... पयसुल्ल्यान तिणें पळयलें. सगूण आनी झेपू आंगणांत खेळटालीं. लागीं वचून तिणें दोगांय भुरग्यांक वेंगांत घेतलीं.

पंदरा दीस सीता आवयगेर रावली. सगुणय बरो जाल्लो. आयज वचपाकच जाय अशें म्हणून ती घरा वचपाक भायर सरली. घरा येवन

पळय जाल्यार घरभर विडयांची पोंतेरां आनी फुटक्या बाटल्यांच्यो कंवच्यो पाताळ्ळेल्यो. सगलें निवळ करता म्हणसर रात जाली. पेज करून तिणें दोगांय भुरग्यांक वाडलीं. पुरो जाल्ल्यान तीय रोखडीच न्हिदली. . . न्हिदून थोडो वेळ गेलो ना गेलो जायत....

'शिते... शिते... आयज पळयतां खंय पळटा ती... तूं आयल्या म्हणून कळ्ळें म्हाका...'

अशें म्हणत नारान दाराचो कडवो एकेच खोटेंत शेंवटून कडेक उडयलो. मदलें दार उकतेंच आशिल्लें. अवतार आयिल्लेवरी ताणे कुडींत पावल दवरलें. पेत्रोला दिव्याच्या उजवाडांत थरथरपी सीतेक ताणें पळयली आनी एखादें भुकेल्लें जनावर जेपरी सावदाचेर झोपय मारता तशी तिका फापसुपाक सुरवात केली...

'सैताना... आतां म्हाका सासणाची जायतशी खायत राव...' अशें म्हणून सीतेन आपली कूड कांयच प्रतिकार करीनास्तना मोन्यांनी नाराचे सुवादीन केली.

☆

मनीसकाय

दोतोर कामतीन रिसीव्हर उखलून कानाक लायलो. गंभीर आवाजांत आयज आनी कित्याक जावं कोणें फोन केला हें जाणून घेवपाची ताका ताकतीक लागली.

'हॅलो... हॅलो दोतोर कामत उलयतां'

'दोतोर, हांव हॉस्पीटलांतल्यान उलयतां... हांगा एक सिरियस पेशंट आयला.... आमी जाता ते यत्न केले.... आमकां तुजी मदत जाय. तुवें बेगीन हांगा पावूंक जाय....'

'हांव येतां '

दोतोर कामत गाडी घेवन भायर सरलो. अडचल्ल्यांक वांचोवपाक धांवप हें ताचें मुखेल काम. पणजेच्यान हॉस्पीटलांत पावपाक पंदरा मिनटां जायच आशिल्लीं. रोगी कोण आसत ?.... रोग्याची अवतिकाय कशी आसत ?... तो कितलो सिरियस आसत ?.... ताका कितें जालां आसत? हे विचार ताच्या मनांत परत परत येवपाक लागले.

दोतोर कामत खुबश्या लोकांक पाविल्लो. ताचो सभाव एकदम बरो. दोतोरकी हो धंदो न्हय तर पेशा म्हणून करपाचो हें ताचें ध्येय. गरज पडल्यार आपल्या बोल्सांतले दुडू लेगीत मोडून तो अडचल्ल्यांक पावतालो. तो केन्नाच दुसऱ्यांक वायट उतरां दिनाशिल्लो. रोग्यांची सेवा तो देवाची सेवा केल्लेवरी करतालो.

रायबंदरा पावलो तशी ताणें गाडी थांबयली. ताकतिकेन

ताणें हॉस्पीटलांत वचपाक सुरवात केली. फोन केल्लो दोतोर बांदेकार ताची दारांतच वाट पळयतालो.

'दोतोर..... तूं ह्या पेशंटाक पळय... आपिनिशी जाल्या ताका. आतां ती खूबच बळावल्या... हांवे जायतें यत्न केले पूण म्हज्यान तें जांवचें ना. ताची भलायकीय खुबूच इबाडल्या. उशीर जाला दोतोर' ताणें वार्डाचे वाटेवटेन वचत सांगपाक सुरवात केली.

'बांदेकार... तुवें ताची पुराय तपासणी केली ?'

'पयलें खेपे तो जेन्ना हांगा आयिल्लो तेन्ना ताका हावें वखद दिल्लें... पूण ताच्यानंतर तो येवंकच ना. काल आयला तोय बी सोंसपाक जायना म्हणून.'

बांदेकारान चिंतेस्त नदरेन दोतोर कामतीक पळयलें....

'पळोवया तर... चल'

हातान खुणयत दोतोर कामतीन म्हटलें.

दोगय वार्डांत गेले. पेशंटाक पळयनाफुडें दोतोराचीं पावलां थंयच घट जालीं. तो पेशंट कोणय आसूं, कसोय आसूं हांव ताका बरो करूंक शकतलो. हें इत्सेक बांद पडलो. ताचे विचार भूतकाळांतल्या प्रसंगांनी घुस्पले. पेशंटाविशीं जी आपुलकी आसली ती सोंपली. त्या पेशंटाक पळयनाफुडें ताच्या मनांत घृणा जागी जाली. मनावेलो दाग जितो जावन उलोवपाक लागलो.

'बांदेकार... म्हाका माफ कर... हांव हाका तपासूंक शकना... ' आनी तो भायर गेलो. बांदेकाराक कितें जालें कांयच कळ्ळेंना. तोय ताचे फाटल्यान गेलो.

'दोतोर... दोतोर... तूं आयज अशें कितें उलयता ?'

पूण दोतोर कामतीन तें आयकूनच घेवंक ना. ताणें पावलां आनीक मातश्या नेटान उबारलीं. बांदेकारान धांवत वचून ताचो हात धरलो.

'दोतोर... कितें जालां ?'

दोतोर कामतीन हात सोडयत म्हटलें....'

'एकदां सांगलें न्हय... आय एम व्हॅरी सॉरी.... हांव त्या पेशंटाक तपासचों ना... म्हजें आनी ताचें बरेपण ना...'

आनी दोतोर कामत रागान वचून आपले खुर्चेर बसलो. तो समको विरार जालो. ताणे पंखो लायलो आनी खंयतरी पयस पळयत विचारांत

गुल्ल जालो....

'दोतोर... तूं त्या पेशंटाक वळखता ?'.... बांदेकारान लागशिल्लीच खुर्ची वोडीत तिचेर बसत विचारलें. पूण दोतोर कामत वगीच रावलो.

'दोतोर, तुजें त्या पेशंटाकडेन वायटपण कित्याक ?'

'हय, हांव ताका वळखतां... म्हजोच शेजारी तो. दत्तू'

ताणें दोनय जापो एकाच बराबर दिल्यो....

'दोतोर तुमचें दोगांचेंय जालां तरी कितें ? कसली दुस्मानकाय ? केन्ना ? खंय ?...'

पूण दोतोर कामतीन कांयच जाप दिवंक ना. खुणेनच ताणें आपणाक त्रास दिवंक नाका. म्हाका मात्सो एकल्याक सोड म्हणून सांगलें. बांदेकाराकय दिसलें हे अवतिकायेंत ताका बेजार करप बरें न्हय. आनी मातश्या वेळान उलोवंचें.... तो उठून पेशंटा म्हऱ्यांत गेलो.

दोतोर कामतीक दत्तून केल्ले दुस्मानकायेची याद जावपाक लागली. सैतान आसलो तो. सोऱ्याचो पुत... अश्या ह्या सैतानाक वांचोवपाक हात लायलो आनी जर बरें वायट कितेंय जालें जाल्यार मागीर ताचे घरचीं दोतोर कामतीक बोटां दाखयतलीं आशिल्लीं. दत्तूचे उलोवणें, गाळी आनी राकेसी अवतार दोतोराच्या दोळ्यांमुखार थय थय नाचपाक लागले. दोतोरान भूतकाळांत पावल घालपाक दोतोर बांदेकार परत आयलो.

'दोतोर... तो सामको वळवळटा... परत जागो जाला. गजाल मारता... दोतोर तूं मात्सो येवन ताका तपास.'

बांदेकाराची चिंता वाडत वताली.

'बांदेकार, तूं नकळो तो कसलो मनीस तो... ताणे म्हजेकडेन जी दुस्मानकी केल्या ती विसरपाचों ना'

दोतोर कामतीन जाप दिली.

'पूण... तो एक मनीस... रोगी...'

'तें समजता हांव पूण...'

'पूण बी कांय ना... चल यो... मनशानच मनशाक पावप...'

बांदेकार उठलो. पूण दोतार कामत खुर्चेवल्यान हालपाचें कांयच चिन्न दिसले ना.

'अशी तुमची दुस्मानकी तरी कसली ?'

'प्लीज बांदेकार... म्हजी तकली तापोवं नाका......'

'ना... दोतोर... हें हॉस्पीटल तुका लागूनच उबें आसा. ह्या पेशंटाक जर आमी बरो करूंक शकले नात जाल्यार आमचे विशींचें लोकांचें मत वायट जावं येता... देखून जाता ते यत्न करून आमी हाका बरो करूंकच जाय.....'

'अशें जाल्यार आयक...'

दोतोर कामत उठलो. जनेलाकडेन वचून ताणें भायर पळयलें. बोल्सांतलो लेंस काडून तोंड पुसलें. दोळे दोनय हातांनी एक खीणभर गच्च धांपले. परत येवन खुर्चेर बसलो.

'हो दत्तू म्हज्या भाटांत रावता. चार पांच वर्सांआदीं भाटाची राखण करपाखातीर हांवें ताका आनी ताचे जाण्टे आवयक खोंपटी बांदून रावपाक जागो दिल्लो. पयलीं हांव ताका कामाचें मोल पयश्यांनीच दितालों. पूण मागीर तें नाल्लांचेर पडलें. दत्तू भाटाक वावर धंदो बरो करतालो. हाका लागून उत्पन्न बरे येतालें. हांव ताका सदांच आपलोसो मानतालों पूण... '

दोतोर कामत मदींच थांबलो.

'पूण कितें जालें ?'

बांदेकारान विचारलें.

'जशे दीस वचपाक लागले तसो दत्तू बदललो. तो नाल्ल चोरपाक लागलो.... सोऱ्यान ताच्यांत सैतान हाडलो. अशे हे अवतिकायेंत भाट तांचे सुवादीन करप म्हणजे म्हजी पिशेंपणां. हय काय न्ही ?'

'हय.'

बांदेकारान तकली हालयत म्हटलें.

'जमनिची कूस उजोवपाक तिका कुदळ मारपाक जाय. पूण दत्तूच्यान तें जायना जाले. नाल्लांचो पाडो हांवच करतालों. असोच एक दीस पाडो जालो आनी हांवें दत्तूची चोरी ताच्या दोळ्यांमुखार हाडपाचो यत्न केलों.'

'दोतोर परत थांबलो. दत्तूची गजाल आतां ते बसल्यात थंयमेरेन आयकपाक येताली. बांदेकाराच्यान कशेंच राव नजो जालें.

'दोतोर जाल्लें गेल्लें विसर आतां... वेळ काडून फायदो ना... वेळ वगडायल्यार...'

'तुका आजून म्हज्या न्हयकाराचो हेतू कळूंक ना. फुडें आयक....' दोतोर कामतीन मेजावेल्यो गाडयेच्यो चावयो काडून हातान घुंवडायत म्हटलें.

'हावें दत्तूक विचारलें... दत्तू हे इतले देंट कशे ? दत्तूक दुबाव आसलोच... तो खुबळ्ळो... आनी म्हजेर तापपाक लागलो... ताणें म्हटलें.... तू म्हाका विचारपी कोण ? म्हज्या भाटांत येवन तूं म्हाका विचारता ? दोतोर खंय. कसलो ? मड्याचो ? कायदे कितें तुजेचखातीर? तो सोऱ्याच्या नेटार चाळवतालो. ताचेकडेन उलोवपांत कांयच अर्थ ना हें जाणून लेगीत हांवें ताका म्हटलें...' आरे दत्तू पयलीं पासून नाल्लांचो पाडो हांवच करतां... तुजेमुखार मेजप जाता. तुजो वांटो तुका दितांच न्हय... तुका फटयतां ? असो म्हाका सांगिनासतना माडार चडून तुवें नाल्ल कशें काडले ?' खरें सांगू बांदेकार हावें केन्नाच ताका कांयच ना म्हटलें ना. पूण ताणें म्हाका कितें विचारलें जाणा.... हांव हांगा काम करता इतलो तेंप जालो. एक नाल्ल काडपाक तुका कित्याक विचारपाक जाय ? हावें ताका सांगले. हें पळय, तुवें एक नाल्ल काडूंक ना. देंटावेल्यान दिसता तुवें तीस तरी नाल्ल काडल्यांत. दुसरे खेपे अशें करूं नाका.'

'म्हाका ताचेकडेन झगडपाचे नासलें. पाडेल्यामुखार सोबा नाका देखून हांव घरा आयलों. पूण अशीच बाचाबाची दर खेपे जावपाक लागली. नाल्ल पाडपाक वतकच दत्तू म्हज्या आंगार झुडून येतालो. तो आपणाक कूळ म्हणोवन घेवन भाट सोऱ्याचे भकीक घालपाचीं सपनां रंगयतालो ... लोकय ताका फुसलायताले. ताका आपूण वायट करतां म्हणपाचें कळटालें. तरीपूण 'धोलकें वाजतालें आनी त्या तालार दत्तू नाचतालो.' असले हे हळशिकेच्या तोंडाक लागचेपरस कायद्याम झगडलेलें बरें देखून हांवें केस कोर्टान व्हेली. पयलीं दत्तूचें बोल्स मातशें कमी खर्चितालें. पूण मागीर ताच्या इश्टांकय ताणें पिवपाक घालपाक सुरवात केली. दत्तू नाल्ल जून जावचें पयलीच काडटालो. तेय बी पांच–पंचवीस सोऱ्याखातीर.... हांवे येवजिलें केस कोर्टात पावल्याच... जावंनी कितें जाता तें. आनी कितें सांगतलों केस म्हज्या फावराद जाली. हांव जमनिचो खरो मालक जालों... हक्कान.'

'म्हणटकच जमीन तुजी जाली... हांगा दुस्मानकी खंय ?' बांदेकारान मदींच एक शंका विचारली.

'बांदेकार हांगच्यानच खरी दुस्मानकी सुरू जाली. एक दीस कामार साकून येवन दनपारचो हांव बाज्जेर आड पडिल्लो. ताच्या दुसऱ्या दिसा हावें पाडेल्यांक आपयल्ले आनी कितें जायत हेच विचार म्हजे तकलेंत

येताले. आनी अकस्मात भाटांत कसलो तरी आवाज़ जावपाक लागलो. म्हाका त्या दिसा मात्शे नजोशें जाल्लें देखून न्हिदेचे वेंगेत वचपाचे तयारेंत हांव आसलों. पूण मदींच हो आवाज कसलो ? आवाज वाडत गेलो आनी म्हज्या मनांत दुबावाची पाल चुकचुकली.'

'तो नाल्ल पाडटालो दिसता न्ही ?'

बांदेकार दुबाव समजलो.

'हय. दत्तू वांगड्यांक घेवन नाल्ल पाडटालो. म्हजेकडेन मनिसपण आशिल्लें; पूण दत्तूवांगडा झुजपाक म्हजेक़डेन सैतानकी नाशिल्ली. हांव कांयच करूंक शकचों ना देखूनच तांणी भर दनपारच्या कडार नाल्ल पाडले. काचेबुचे म्हणिनासतना. त्या वेळार तांणी मारिल्ले कोयतेचे धपके म्हाका आतां लेगीत आयकुपाक येतात. हांव म्हज्या जाणट्यांच्या भुरग्यांक वांचोवंक शक़लों ना.'

दोतोर कामतीच्या दोळ्यांत दुकां भरलीं तें पळोवन बांदेकार लेगीत विरगळ्ळो.

'खरें सांगू बांदेकार, म्हजेकडेन उपाय आनी उपकार हीं दोनच शस्त्रां आसत पूण हांचेमुखार.... आडसरांसयत पाडे करून तांणी वजीं भरलीं आनी मागीर तुका कळ्ळांच आसतले...'

'सोरो आनी कितें ?' बांदेकारान म्हटले.

'हांवे जायते येवजिलें ... त्या दिसाच्यान हांव येवजीत आसां.... दत्तू म्हाका वळखना, हांव कित्याक ताचेर उपकार करूं ?... हांव म्हजें भाट ह्या बेबद्याचे सुवादीन करचो ना. हे नित्शयानच हांव दत्तू फाटोफाट त्या दिसा गेलो. दत्तू सामको तर्र् जाल्लो. हांवें समजिकाय दिवन हें प्रकरण मिटोवंपाखातीर ताका विचारलें–

'आरे... तूं अशें कित्याक करता ? हांव हांगाचो मालक जालां. तूं अशी दादागिरी कित्याक करता ? मनीसपण म्हण्टात तें आसा मरे ? काय घातलें खंय भाड्याक ?'

'दत्तू सामको रागान तांबडो जाल्लो. ताचीं कानसुलां तापलीं. हात शिंवशिंवपाक लागले.... ताणें म्हटलें... दोतोर सांबाळून उलय. तुज्यान जाता तें कर चल...' तो कितें उलयता ताचो म्हाका अर्थ कळचे पयलींच दत्तून म्हज्या कानसुलार एक मारलें. हांव सामको निणनिणलो. पूण परत हात उबारलो ना. हांव परत्या पावलांनी 'देवा, ताका तूंच पळय' अशे

म्हणून घरां आयलो'

दोतोर कामत मात्सो शांत जालो. ताची नदर बांदेकाराचेर थिरावली. तो उठलो बेसिनाकडेन वचून पच... पच करून दोळ्यांर उदक मारलें. लेंस काडून तोंड पुसलें आनी जनेलाकडेन वचून भायर पळोवपाक लागलो.

'पूण दोतोर दुस्मानकाये परस दोतोरकी व्हड. तुजें सगलें खरेंच...' बांदेकारान दोतोर कामतीक म्हटलें ताणें मात्सो विचार केलो आनी आपलें मत बदल्लें आनी बांदेकाराक म्हटलें.

'चल या...' बांदेकाराक सामकी खोस जाली. ते दोगय दत्तू म्हऱ्यांत गेले. दत्तूक एक मिनीट सुशेग नाशिल्लो. तो बोवाळ मारतालो. आनी मदींच जीव गेल्लेवरी वोग्गी पडटालो. दोतोर कामत ताचे म्हऱ्यांत गेलो. दत्तू शाबुद्देर नाशिल्लो. दोतोर कामतीन ताच्या जावपी इजांचेर फूंक मारपाक सुरवात केली.

थोड्या वेळान दत्तून दोळे उगडले. म्हऱ्यांत दोतोराक पळोवन ताका मेल्लेवरीं जालें. दोतोराकडेन उलोवपाक ताणें ओंठांची हालचाल सुरवात केली. पूण तो कितें उलयता तें आयकुंचे पयलीच दोतोर थंयच्यान भायर गेलो.

दत्तू थोड्याच दिसांनी ऑपरेशना उपरांत पुराय बरो जालो. वखद दोतोर कामतच बरोवन दितालो पूण तपासणी बांदेकार करतालो. बांदेकारान दत्तूक दोतोर कामतीन केल्ल्या उपकाराविशीं सांगिल्लेंच. आयज दत्तूक घरा वचपाक परवानगी दिल्ली. दोतोर कामतीक मेळून वचचें म्हणून दत्तू ताचे म्हऱ्यांत गेलो.... दोतोराचे पांय धरीत ताणें म्हटलें.....

'दोतोर, म्हाका माफ कर... तूं म्हणून हांव बरो जालों. तुजे उपकार हांव कसोच पावोवंक शकना.... दोतोर.... ना म्हणूं नाका.... म्हाका माफ कर.... दोतोर आयज हांव वतां तुजेच खापींत.... तुज्याच भाटांत रावपाक.... तो राकेस दत्तू मेलो... हांव आयच्यान सोरो पिवंचो ना.... दोतोर... दोतोर तूं धनी... हांव तुज्या भाटाचो राखणदार...'

दोतोर कांयच उलयलो ना. ताणें मनीसपणान रडपी दत्तूक आपले हात दिवन उठयलो. आनी वाट पळोवपी पेशंटांक तपासपाक तो भायर सरून गेलो. हें पळोवपी बांदेकाराचें मन खोसयेन उपाट भरलें.

☆

आगळी यात्रा

सदांभशेन सकाळच्या झिळमिळट्यार उठलों. गलेरेंत येवन उबो रावलों. कांय जाणांक सकाळीं उठलेबराबर च्या घेंवचो पडटा. तेबगर घरांतल्यान पावल भायर पडना. म्हजें तशें न्हय. सकाळीं उठलो चूळ भरली म्हणटकच गलेरेत येवन उदेंतेकडेन पळयत थंड–हून वाऱ्याचीं ल्हारां घेवप. पोरसांतल्यो कालच्यो कळयो आज कितल्यो उकत्यो जाल्यो तें पळोवप. तांची सोबीतकाय घोटान घोट आनी थेंब्यान थेंब पियेवप. ते उपरांत हांगच्यान पयस गेल्ल्या मोडणी मार्गाक तोखेवप. दोंगराच्या क्षितिजांतल्यान वयर सरपी सुर्याचीं अमुरपिकीं किरणां घेत मळबांत दर दिसा बदल जावपी रंग नियाळप.

आयज भायर पळयलें. सगल्याक दव पडिल्लो. पोरसांतले बोंगे फुलपाकडेर आशिल्ले. झाडांर पडिल्ले दवाचे थेंब टप–टप दुकांभशेन गळटाले. सदांपरस शींं इल्लें चडच आशिल्लें. मुखावेलो दोंगर दवाचें पांगरूण घेवन सुस्त आडवो पडिल्लो. दोळे किलकिले केले तरीय ताच्या आकाराचो अदमास जायना जालो. मार्गावेल्यान वचपी बैलगाडयो मात स्पश्ट दिसताल्यो. बैलांच्या गळयांतलीं घुंगरां सगल्या वाठाराक जाग हाडटालीं.

ई... री... री... री घुंगरांच्या तालार गाडयेचे मालक बैलांक आमुडटाले...

हो देखावो हांव कितले दीस जाले पळयतालों. सदच्योच गाडयो, सदचेच आमुडपी... सदचेच बैल आनी म्हजी सदचीच संवय...

म्हजी तनेर त्या पुसटश्यां देखाव्याक पळोवन तुटली. त्या तांबड्या मार्गार कांय आकृत्यो झळकल्यो. एखादी बैलगाडी खणीर वता जातली. पूण थंचे तळप घट म्हणून कोकेरांनी ती केन्नाच सोडून दिल्ली. आनी आयज हे खणीर बैलगाडीशी ?

अजापान म्हज्या मनाक वेटाळें घातलें. तसोच सोंपणां देवन फुडें गेलों. तसो मुखावेलो देखावो इल्लो इल्लो स्पश्ट जायत गेलो... हय बैलगाडीच आशिल्ली ती... पूण बैल नासून लेगीत गाडी मार्गाचो चडाव चडटाली. फाटल्यान दोनचार मनीस ती गाडी धुकलताले. म्हजीं पावलां फुडें फुडें पडत राव्लीं. नेटान ते गाडयेची फाट धरली. गाडयेचें पुराय दर्शन जायनाफुडें पावलां खटांयच करून उबीं रावलीं. इतल्या उत्कंठीत आशिल्ल्या मनाक वांकडे–तिकडे फांटे फुटूंक लागले. ह्या संवसारांत पळोवंक नाशिल्ली ती यात्रा दोळयांमुखार आशिल्ली. गाडयेचें जूं ओडपी गाडयेकार कृष्णाचे दोळे दुकांनीं डबडबीत जाल्ले. पयनीं हांव समजलों कोणय खंवसलो दिसता पूण जेन्ना हावें गाडयेंत पळयलें तेन्ना म्हाका कृष्णाचो बैल पोंवळयाचें धूड आडवें घातिल्लें दिसलें...

गाडी पोंवळयाची कूड घेवन फुडें–फुडें वचत आशिल्ली. म्हजींय पावलां पोंवळयाचे ओडीन वोडत गेलीं. निमण्या ह्या खिणाक तरी पोवळयाक पावपाचें काम म्हजें आशिल्लें. म्हज्यो यादी पावला कणकणी मनाचीं कवडां उक्तीं करपाक लागल्यो.

पोंवळयांच्या कश्टांचेर म्हज्या घराच्यो वणटी उब्यो जाल्ल्यो. सद्दां चिऱ्यांचें वजें वोडीत पोंवळो म्हजे फुडें जावपाचे वास्तूमुखार वोंवळयासयत उबो रावतालो. तो हेर लोकांचींय कामां करतालो. सांतेबाजार, फोंडेंचो बाजार, शेनवार पोवळयाबगर सोबच नाशिल्लें...

घराचें बांदकाम पळोवपाक हांव सदांच वतालों. चडसो त्याच वेळार कृष्णा चिरे घेवन पावतालो. तो म्हाका ताच्या बैलांच्यो खूबशो गजाली सांगतालो. बैलगाडी घरा लागीं पावली तशी भुती सोडोवन हांव पोळे खातालों... तें पळोवन पोंवळयाची जीब चाळवताली. मागीर तांकां इल्लो कुडको वडयलेबगर म्हजो घांस गळयासकयल वचनाशिल्लो.

असोच एक दीस कृष्णा चिरे घेवन आयलो. हावें म्हटलें...

'कशे आसात बैल ?'

कृष्णान भरिल्ल्या गळयान म्हटलें...

'हो पोंवळो आनी वोंवळो काल उपाशीं उरले. हांव घरा नाशिल्लों... सोयऱ्यांगेर गेल्लों. घरा बायल आनी भुरग्यांकडल्यान तांच्या पोटांत कांय पडलें ना.' ताणें हुंदको ओठांमदीं दामीत सांगलें. 'हांव घरा आयलों तेन्ना म्हजो वास वळखून दोगाय बैलानीं हामेर ठोकली... हाम्मा... हाम्मा करून म्हाका ते सादयताले. म्हजें एक दीस लेगीत पयसावप तांकां मानवलेंना. बैल सामके म्हाका आंवडेताले. तोंडान गरक... गरक करून आवाज करताले. चुडटांचो कडवो कडेन काडून हांव बैलां म्हऱ्यांत गेलों. बैलांक पळयनाफुडें म्हाका काकळूट दिसली आनी रागय आयलो. बैलांनी जमीन कांडून कोंण केल्लें. शेपड्यो शेणान भरिल्ल्यो. मुसकां घों घों करतालीं... पोटां पडिल्लीं. आंवडे घोट्टात ताचेवेल्यानच हांव समजलों म्हजो पोंवळो आनी वोंवळो उपाशीं आसात म्हणून. पोंवळ्याक हावें सांसपिलो. तेबराबर वोंवळ्यान दिमी मोडून मान लाम करून म्हजे पांय चाटपाक सुरवात केली. कळाव करिनास्तना हावें गवणींत चारपांच तणाच्यो पेणयो उडयल्यो. पूण तांकां उदक जाय आशिल्लें. तांचो जीव धापेतालो. बांयचेर वचून उदक हाडलें. बालदेन भड्डो घालून दोगांकय पाजलें. उदकावयर एक–दोन वेंत फेंस आयिल्लो... तांणी आपल्यो नाका पुडयो फुलोवन घटघटीत उदक पिवपाक सुरवात केली. परत आनीक उदक हाडपाक हांव बांयचेर गेलों... बैलांचे कान म्हज्या पावलांच्या आवाजाक तानेल्ले... तोंडाक भड्ड्याचो फेंस लागिल्लो. ताचे बोमाडे फट... फट... करून फुट्टाले. एक–दोन म्हणटा म्हणसर चार–पांच कळशे उदक ते पियेले. आनी मागीरच तांणी तण खावपाक सुरवात केली.'

कृष्णा सामकोच दुखेस्त जालो. ताची अवतिकाय म्हाका दोगाय बैलांच्या दोळ्यांत दिसली. नकळत म्हज्या काळजाक खोल खंयतरी चिमटो आयलो.

कृष्णा उठलो. बैलांक गाडयेक बांदले आनी ताणें म्हाका फाट केली.

म्हाका हे दोगय पाडे इतले संवकळीचे जाल्ले, ते म्हाका म्हजे इश्टच कशे दिसताले... ते म्हजे नात्यांतलेच अशें म्हटल्यार अतिताय जांवची ना.

कृष्णा बैलांक केन्नाच कांय कमी करिनासलो. सकाळीं फुडें बैलांक तण–खाण दिलें म्हणटकच कामाक सुरवात. चिरे घेवन जेन्ना बैलगाडी चडाव काडून म्हज्या घराकडेन पावताली तेन्ना बैलांक 'राव' म्हणून कृष्णाल्या फर्मानाची गरज लाग नाशिल्ली. ते आपूणच उबे जाताले. श्री पांच वर्सां लेगीत काडपी मनशांकडेन बारीक मोटी जायत पूण एकदां दाखयल्लो रस्तो परत दाखोवपाची पोवळ्याक आनी वोंवळ्याक गरज नाशिल्ली. चिरे हाडले म्हणटकच ते देंवोवपाक उशीर जातालो. म्हणून कृष्णा बैलांक पांय मेकळे करपाक सोडयतालो. परत वतना बैलांक आपोवचे पडनाशिल्ले. मोंक उबारलें, दोनय वटांनी दोनय दूत हजर. जूं दवरपाची फुरसत. कामाक सुरवात. काम जाले उपरांत कृष्णा विडी फुसकायतालो. तेन्ना हांव उरिल्ल्यो सुरिल्ल्यो भाकऱ्यो बैलांक दितालों. हावें एक दीस म्हटिल्लें.

'कृष्णा तुजे बैल म्हणजे तुजें खरें धन'

हावें बैलांचे फाटीवेल्यान हात भोंवडायलो तश्यो तांच्यो फाटी थरथरल्यो. आनीक भाकरी आसा काय पळोंवपाक पोवळ्यान म्हजो हात हुंगलो. पूण ना तें पळोवन ताणें म्हज्या हाताक आशिल्लो भाकरेचो वास लेगीत चाटून नाच केलो.

'बरें'

कृष्णान विडी पायांपोंदा चिड्डिली. आनी ताणें गाडयेचें जूं परतिलें.

'राव मरे... पयशे व्हर...'

'नाका धनया. पयशे जाय तेन्ना व्हरन हांव. तुमचे उपकार कशे विसरन ? म्हाका ह्या बैलांचे श्रम विकपाचे नात... येतात आमी...'

चलतां चलतां जायत्यो यादी म्हज्या दोळ्यांमुखार जोगलावरी नाचपाक लागल्यो. गाडी जाग्यार पावतकच थामली. कृष्णान म्हजेर घालून घेतलें. तो बाळकावरी रडपाक लागलो.

'धनया, आयज म्हजो पोंवळो म्हाका सोडून गेलो तुज्या हक्काचो खरो तो... ताणें म्हाका गिरेस्त करून शेवटाक म्हाकाच अंतरलो... काम केल्यार पयशे कशेय मेळूं येतात. पूण म्हजो पोंवळो म्हाका आतां केन्नाच दिसचो ना...'

'ना... कृष्णा धीर सोडूं नाका... ताचें आयुश्यच सोंपलें... जाल्लें गेल्लें

विसर आनी परत आनीक एक पोंवळो घेवन कामाक लाग.' हावें म्हजें दोळे दुकां ओंकता आसतनां लेगीत कृष्णाचे दोळे पुसले.

पोंवळ्यांची निमणी यात्रा सोपोवन हांव विमनस्क अवतिकायेंत घरा आयलों. म्हज्या घराच्यो वणटी बैलाच्यो व्हडविको गायताल्यो...

☆

आपुलकी

रातच्या जेवणा वेळार बाबान विणाच्या लग्नाचो प्रस्न काडलो. अशीं उलोवणीं जायते खेपे जाल्लीं. पूण रोखडींच पालवल्लीं...

'विणा ? तुका हें खेपे चल्यावटच्यांनी मागणी घाल्या. चलो बरो. घराणेंय आमकां फावोसारकें. तुका तांणी पळयलां... तुजे पसंतीबगर हांव फुडें पावल वडोवचोंना...'

विणा लजलें. ताच्या दोळ्यांमुखार उदय आयलो. विणाक उदय मनापसून मानवतालो. बाबाक कशें सांगप ?... तोय हालीं विणाकडेन इश्टागत वाडोवपाचो यत्न करतालो. हो चलो कोण आसात ? विणान नदर वयर करून बाबाक पळयलें.

'ताचें नांव उदय रायकार...'

विणाक एकदम पाखां फुटलीं; तें खोशंयेन वयर मळबांत उडलें; ताणें नकळत तकली हालयली... लग्नाक हयकार...

'तुका मानवला. आतां फुडलीं उलोवणीं करपान हरकत ना तर...'

फुडलें आयकनास्तना तें भान नाशिल्ल्या भुरग्यांवरी धांवत कुडींत गेलें. रातभर चिंततालें... मनासारकें जालें... उदय आनी हांव आतां सामकीं लागीं येतलीं... मांय... मांव...

देर... खरेंच हांव भाग्यवान... तें मनांतल्या मनांत हांसलें.

आयज विणाची वाट पळयत उदय ऑफिसाभायर राविल्लो... ताका पळोवन विणा खोशी जालें. ताचे म्हन्यांत पावता म्हटल्यार विणाचीं पावलां मंदावलीं. चार पावलां पयसच उबे रावलें. बाबान पसंती कळयल्या देखूनच तो आयज आपली वाट पळयता म्हणपाचें विणान ताडलें.

दोगांयची नदरेंत नदर भरसली. तोंडार हांसो फुललो. विणाची नदर आपसूक सकयल गेली.

'विणा'

'हूं'

विणाक उदयान पळयलें.

'कितें चिंतता ?... म्हजें हांगा येवप तुका मानना ?...

'तशें कांय ना...'

विणान ताचे नदरेक नदर दीत म्हटलें....

'खंय या ?...'

'खंय ? घरा...'

'चल तर... तुका हांव पावयतां...'

उदयान मोटारसायकल चालू केली. विणाक घरा पावन तो भायले भायर गेलो.

विणाचो आनी उदयाचो मोग घसघशीत चंवरतालो. तांणी दोगांनीय जायत्या जाग्यांनी वचून एकलेपणांत गजाली केल्ल्यो. संवसाराची मांडणी रचिल्ली. फुडाराचीं सपनां पळयिल्लीं.

लग्नाचो विचार मनाक आफुडचे पयलींच विणाक एके नवे गजालीची सुलूस लागली. ताणें ती खबर रोखडीच उदयाक सांगली.

'उदय तुका कशें सांगूं ?'

'सांग विणा... कांयच लिपोवं नाका...'

विणा वोगीच... ताचीं उतरां ताळ्यांतच घुस्पतालीं.

'कितें जालां विणा ? उलयले बगर म्हाका कशें कळटलें...'

'उदय ?'

'कितें जालां ? अशें अनमनूं नाका. लग्नाक थोडोच तेंप आसलो तरी पूण कायद्यान आमी लग्न जाल्यांत... म्हाका कितेंय सांगपाक तुका

फाटींफुडें जावपाची गरज ना....'

'जाता तितले बेगीन लग्न जावया..'

'कित्याक ? म्हजेबगर रावं नज ?...'

विणा उदयाक पयळत रावलें. ताचे दोळे दुकांनी भरलें..

'उदय म्हाका दीस गेल्यात...'

'कितें ?'

उदय मोगाचे धुंदेंतल्यान जागो जालो.

'हय...'

विणा काकुणटेन भरिल्ले नदरेन उदयाक पळोवंक लागलें.... उदयाच्या मुखामळार अपराधी भाव उदेलो.

'तूं भियेवं नाका.. हांव लग्नाची तयारी जाता तितले बेगीन करतां.'

ताणें विणाक लागीं वोडलें...

'लग्नापयलीं हें... लोकांक कळ्ळें जाल्यार ?'

'लोक कितेंय म्हणूं.... हें भुरगें म्हजें...'

'उदय तुजे घरचीं ?'

'घरच्यांक कळचेपयनीच आमी लग्न जावया... तूं काळजी करूं नाका...'

'लग्नापयनीच आवयपण ?'

'हय... जल्माक येवपी ही कळी... तिका फुलूं दी...'

विणाच्या मुखमळार हांसो पातळ्ळो. ताका आवयपणाची जाणीव जालीं... लग्तापयनी आवयपण...

भुरग्याक जल्म दिवपाचें उतर घेवन उदयान विणाक घरा धाडलें.

उदयाचें आनी विणाचें लग्न व्हड दबाज्यांत जालें. विणाक आवयचें घर सोडून वतना रडें आवरलें ना. तें जितलें खंती जालें तितलेंच खोशीय जालें. विणाच्या जिवाक बरें दिसनाशिल्लें. गुरवारपणाच्यो कुरवो जावपाक लागल्यो मांयन विणाक कितें जाय नाका मनापासून विचारलें. थोड्यो सुचोवण्योय दिल्यो. घरांत ही खबर वाऱ्यांसारकी पातळ्ळी. मांय... मांव... खांकुडिल्लेवरी जातालीं..

आयज विणा सकाळींफुडें उठलें. न्हालें... उदय कालच्या कामाक लागून भायर सरिल्लो. आयज येवचो ना म्हणून सांगिल्लें. विणा तुळशिची पुजा

करपाक आंगणांत आयलें. एक अनवळखी मनीस आपल्याच घरची वाट चलता तें ताणें पळयलें. भितर वतना देराक विणान भायर कोण आयला म्हणपाचें सांगलें.

'उदय रायकाराचें हेंच घर ?'

परकी मनशान संजयाक विचारलें.

'हय... कित्याक ?'

उदयाक अपघात जाला....'

'कितें ? खंय ? केन्ना ?'

संजयान आबूज जावन विचारलें.

विणाच्याय कानार तीं उतरां पडलीं.

'कितें जालें ताका....?'

विणाची तकली गिरगिरपाक लागली. बोवाळ आयकून विणाची मांय भायर आयली.

'ताचे मोटारसायकलीक अपघात जाला, तो इस्पीतळांत आसा....'

संजय रोखडोच भयर सरलो.

दोन दीस जाले. उदय जिणे–मरणाचे शिमेर रावन झूज दितालो. आजूय कांय सुद्दीर येवंक नाशिल्लो. दोतोरय कांयच सांगूंक शकनाशिल्ले. विणा मोट्या कठीण प्रसंगाक तोंड दितालें. संजय विणाक पळोवन मनांतल्या मनांत हुंदकेतालो. आवय बापायक आनी विणाक धीर दितालो....

अपघाता उपरांत चवथ्याच दिसा उदयाचे जिणेची वात पालवली. विणाचो कुकूम पुसलो. गळ्यांतलें मंगळसुत्रय काडलें. विणाच्या नशिबाक लागलो लोक चुरचुरतालो. विणाच्या आवय बापायन येवन विणाक घरा व्हेलें.

विणान खाण जेवण सोडलें. केंसांचीं झोंपां मानेर सांडून तें एकटेंच कुडींत बसून येवजीत रावतालें. ही एकोडी जीण सोंपोवंक अशें ताका दिस... पूण उदयाच्या आनी ताच्या मोगाचो आंकूर पोटांत वाडटालो... ताका जल्म दिवपाचें उतर विणाक उदयान दिल्लें.

आवयचें मन विणाक पळोवन सामकेंच कळवळटालें. बाबाय खंती जाल्लो. मांय, मांव आत्र्यापयऱ्यान ताची खबर घेवन वतालीं. संजयय एक

दोनदां येवन विणाक धीर दिवन गेल्लो.

सांजवेळा चारांक सुमार घरामुखार एक टॅक्सी येवन उबी रावली. विणान पळयलें. मांय, मांव आनी संजय... बाबान तांकां भरिल्ल्या गळ्यान बसपाक सांगलें... सगलीं वोगीच... विणाचे मांयन म्हटलें...

'आमी विणाक घरा व्हरपाक आयल्यांत...'

'विणाचो हो बाळंटेर हांगा जावचो अशें विणाची आवय म्हणटा...'

'तशें जाल्यार बरें आसा... विणाचें मत कितें ?'

विणाच्या मांवाचो प्रस्न...

'ताका हे अवतिकायेंत विचारप समा न्हय...'

विणाच्या बाबाचे दोळे दुकांनी भरले....

'बाळंटेरा उपरांत.....'

विणाची आवय मदीं उलयली.

'बरें तुमकां जाय तशें...'

तांचीं उलोवणीं विणानय आयकलीं. विणाची खबर घेवन तीं गेलीं. विणा येवजुपाक लागलें. त्या घरांत परत वचप काय ना. पूण थंय आतां कितें उरलां ? कित्याक वचप ? उदय म्हाका सोडून गेलो. ताच्यो यादी घेवन त्या घरांत सगळी जीण कशी जगप ? हांगातरी आवय... बाबा आसात, उदयाघरच्या मनशांपरसय सामकीं लागचीं. तीं आयज म्हाका व्हरपाक आयिल्लीं... कित्याक ? तांकां संजयाचो आदार आसा. तो रोखडोच लग्न जाल्यार नवी सून घरांत येतली. थंय वचून छळ करून घेवपाचो..... ? विणाचें मत जालें थंय वचप ना...

विणा बाळंत जालें. चलो जालो. सगल्यांक खोस जाली, तेच बराबर दोळे दुकांनी भरलें. उदयाचे यादीन... विणाचेंय मन त्या सानुल्या जिवाक पळयनाबराबर भरून आयलें. तें बाबूच्या रुपांत उदयाक सोदतालें...

म्हयनो कसो सोंपलो कळ्ळेंच ना. मांय मांव जायते खेपे येवन गेलीं. संजयय येवन बाबूक धरतालो. विणाक कितें जाय नाका विचारतालो...

एक दीस गजाली करतां—करतां विणाक व्हरपाचो प्रस्न मांयन आनी मांवान काडलो.

'आमी कितें सांगूं..?'

विणाच्या बाबान म्हटलें.

'येता मूं तूं घरा ?'

मायन विणाक विचारलें. विणा गंभीर जालें. सगळीं वोग्गी. विणाचे दोळे घळघळ्ळे. मांयचे मोगाळ हात काय वेळ विणाचे फाटीर भोंवले...

'हांवें थंय कित्याक येवप ? म्हजे सगलें सोंपलें...'

विणान रडत विचारलें.

'अशें म्हणूं नाका... आमी तुजींच मनशां न्हय ?'

विणाच्या मांवान म्हटलें.

'तुका मोगान वाडोवं. आवय—बापाय इतकींच...'

विणाच्या बापायन विणाक समजावपाचो यत्न करतां म्हणून सांगलें.

घोवागेर वचंपाची खबर काडटकच विणाक त्रास जातात म्हणपाचें तांकां कळ्ळें. त्या दिसा उपरांत विणाच्या आवय बाबान विणाच्या मनांत रिगून ताचे विचार समजून घेतले.

थोड्या दिसां उपरांत सकाळींफुडें संजय आयलो. येनाबरोबर पाळण्याकडेन वचून ताणें बाबूक उखल्लो. ताचो उमो घेतलो. विणाक पळोवन तो हांसलो.

'बाबू, आई खंय ? हांवें तुका कितें हाडलां जाणा ? नवे कपडे... तूं घालतलो ? पळय पळय म्हाका पळोवन हांसता....'

संजयान विणाक म्हटलें.

'तो हांसता म्हणसर रडटा'

विणान त्रासीक आवाजांत म्हटलें.

'हय रे शाणू ?'

बाबूक घेतना विणान संजयाचें बोट नकळत घट धरलें...

'म्हजो हात तो....'

'आं.... हां....'

विणाक आपली चूक कळ्ळी. संजयान बाबूक हाडिल्ले कपडे विणाकडेन दिले.

'पळयना ?'

'हय... मागीर पळयतां....'

'ना आतांच...'

विणान पिशवेंतल्यान कपडे भायर काडले.

‘बरे आसात...’

‘हांव जाणा तुका पाचवो रंग मानवता देखून ह्या रंगाचे हाडल्यात...’

संजयाची इतली आपुलकी पळोवन विणाचें मन कळवळ्ळें. खरेंच कितलीं मायेचीं मनशां. हावें वोगीच तांचें मन दुखयलें. कितले त्रास जाले आसतले तांकां म्हजो न्हयकार आयकून. संजय एक खीण विणाक जाल्यार दुसऱ्या खिणाक बाबूक पळयतालो. संजयाच्या मुखामळार जावपी बदल विणान पारखिलो.

‘तुका हांव घरा व्हरपाक आयलां. येता न्हय ? आई–बाबानं धाडला म्हाका....’

संजयान विणाक एका दमांत सांगलें.

‘घरा या न्हय ?’

‘अं...’

विणान बाबूक पळयलें.

‘तूं येता न्हय ?’

विणाकडेन ह्या प्रस्नाक ‘हय’ आनी ‘ना’ एकय सांगपाक जालेंना.

‘तूं आतां एकटें ना... आमच्या वंशाचो हो दिवो आमच्या घरांतच वाडपाक जाय. तूं घरा यो.... तुजी आई–बाबा वाट पळयतात. हांव तुका व्हरपाक आयलां....’

‘थंय ? हांव ?’

विणान दुकां आडावपाखातीर घातिल्लो बांद फुटलो.

‘विणा ?’

विणाक एकदम कच्च जालें. सदांच वयनी म्हणपी संजयान नांवान उलो केल्लो. ताणें संजयाक पळयलें. दोगांच्या दोळ्यांत दुकां भरिल्लीं. एकमेकाचे नदरेक नदर दिल्यारय कांयच दिसनाशिल्लें.

‘विणा ? ह्या संवसारांत जरी उदय ना तरी पूण हांव आसां... म्हजेखातीर घरा यो.... हांव तुका आपणावंक तयार आसां... ना म्हणूं नाका....’

‘तूं लग्न जावचो ना ?’

विणाचो प्रस्न.

‘ना... तुजेखातीर... बाबूखातीर....’

संजयान विणाचीं दुकां पुसलीं. फुडाराच्या सपनाचें पडबींब एकमेकाच्या नितळ दोळ्यांत तीं पळयतालीं. दोंगांचेंय सपन एकच... संजयाच्या स्पर्शान विणा भानार आयलें.

'आं ?'

'विणा ?.... आयच्यान तूं म्हजी बायल... हांव तुका बायल मानतां.... तुजो उदय आयजय म्हज्यांत जियेता. ताका तूं आपणावचें ना ....?'

'हय...'

विणा संजयाकच पळयत उरलें. संजयान आपयनाबराबर वचून ताच्या गोपांत रिगलें.

☆

ताणें पिडेचो घात घेतलो....

पावसाळी सांज आशिल्ली. भुंयेचेर काळखाचो हय न्हयसो झिरझिरीत पड्डो पातळत वतालो. मळबांत खूबशीं काळीं कुपां ऐस – पयस पातळ्ळेली. झाडां मोन्यानींच आतां कितें जायत काय म्हणून तोंड उगडून मळबाकडेन पळयतालीं. भुरगीं हात पांय धुवन शुभंकरोति म्हणाक आवाजाची सर्त लायतालीं. जसो जसो काळोख दाट जायत वतालो, तशो सगल्या घरांनी लायटी पेटपाक लागल्यो. जनेंलांत रावन सैमाक तोखेवपी गजाननाचे कुडींत आनी मनांत काळोखच आशिल्लो. ताका वीज पेटोवची अशें दिसलें. पूण ताणें पेटयली ना.

गजाननाक लोक एक मोटो विद्वान भट म्हणून वळखताले. ताचें कामय व्हड... दुसऱ्यांचे जिणेंत पांय पसरून बसलेलीं केदींय कुबांडां तो हातच्या तळटार सोडयतालो. अडचल्ल्यांक म्हामायेवरी पावतालो. पिरायेच्या सातसठाव्या वर्सा लेगीत ताच्या मुखामळार एके तरेचें तेज मारतालें. ताचे दोळे हिमालयांतल्या तपस्यावरी खोल गेल्ले. तातूंत एके तरेचो चकचक उपाट भरिल्लो. मन आनी काया झरीच्या उदकावरी नितळ आनी खळखळीत.... ताचे कुडींचे सावळेखाला जायते जीव विसव घेताले. सगल्यांपरस व्हड म्हणचे ताचे

विद्वत्तेमुखार सगल्यांनी हाय खाल्लेली...

'अं. हें कितें ? वीज पेटयनासतना काळखांत तुमी बसल्यात ?' सरस्वतीन हातांतलें धुपाटणें जमनीर दवरलें. कुडींत उजवाड केलो.

'तुमकां पिवपाक कितें हाडूं ?'

'हुनशें कितेंय... लरांव जाता.'

सरस्वती गजाननाची बायल भितर गेलीं. उलोवपाक म्हणून तोंड मात उघडलेलें, गजाननाक खोंकलेन कासावीस करून उडयलो. सामकी ही काय ती तड जाली. तो जनेलांतल्यान उठलो. बांकार येवन लवंडलो.....

'आयकलें... लरांव हाडलां... उठ्ठात मूं ? हूनशें आसतनाच घेयात... जिवाक मातशी तरतरी येतली...'

सरस्वतीन गजाननाक भुजांक धरून उठयलो. लरांवान भरिल्लो पेलो गजाननान धपक्यांत रितो केलो. अशक्त जिवांत मातशी शक्त आयली. सरस्वती रिकामो पेलो घेवन रांदचेकुडींत गेली. गजानन बांकावेल्यान उठलो. कुडींत येवन बाज्जेर आड पडलो. रातभर ताच्या दोळ्यांच्यो पातयो चिकटनाशिल्ल्यो. चिकटल्यो जाल्यारूय आंगांतली पिडा दुस्मान जावन ताका वेगळायताली.

तीन वर्सां जालीं गजाननाक ही पिडा जाल्यार.... धडधाकट गजाननाचो इल्लो इल्लो करून सांपळो जालो. जेन्ना दोतोरागेर गेलो तेन्ना खूब उशीर जाल्लो. थुंकयेंतल्यान रगत पडपाक लागिल्लें. पिडेचें स्वरूप दोतोराच्या आटोक्याभायर पाविल्लें. एक आशेचो किरण म्हणून दोतोर वखदां दितालो आनी गजानन तीं मरण येना म्हणून घेतालो.

गजाननान शिताचे दोन गोटे कशे बशे पोटांत धुकल्ले... येवन न्हिदलो.... चार पांच दीस ताका न्हीद पडूंक नाशिल्ली. दोळे चुरचुरताले. सगळेकडेन सामसूम... रातकिडे किरकिरताले... गोट्यांतल्या गोरवांची जाग नाशिल्ली. सगल्यो लायटी पालवल्यो. गजाननाचो दोळो लागपाक ताच्यांतली पिडा जागी जावन कुशी परतूंक लागली. अशें सदांच जातालें. गजाननान न्हिदचें आनी ताचे पिडेन उठचें. मागीर सगली रात वळवळे, मळमळे, हाका लागून सरस्वतीय जागीच उरताली. खंयचें हून उदक दी... गुळी.... शरप..... पूण तितलोच वेळ गूण पडटालो.... मागीर परच तेंच....

आजय तो हांतुणार तळमळटालो. खोंकलीय येवपाक सुरवात जाली.

सोंसना जावन तो हांतुणार उठून बसलो. सरस्वती जागी जाली. तिणें नाल्ली काडून तोंडामुखार धरली. चडच रगत पडपाक सुरवात जाल्ली. एका उबाळासरशीं हड्डें धांप्यावरी वयर सकयल जातालें. मळबांतले जोगलावरी बरीं तटतट्टाल्यो. गजाननाच्या दोळ्यांमुखार मरण येतालें. पूण ताका व्हर नाशिल्लें. सरस्वतीच्यान ती दशा कशीच पळोवं नजो जाताली. देवाक आपले सौभाग्य वांचय म्हणून गाराणें घालताली. तिणें हून उदक हाडून गजाननाक दिलें. पांच मिनटांत ताका सूऽऽ जालें. तो परत न्हिदलो. सरस्वतीनय लायट पालोवन हांतरुणार फाट तेंकयली.

मळबांत गडगड मारपाक सुरवात जाली. जोगलांय चकचकतालीं. पावसाची पिरपीर चालूच आशिल्ली. आकांताचो वारो सुटलो. गडगड्यासरशीं सगली भूंय कुळकुळ्ळी. बरोच वेळ जालो गजानन जागोच आशिल्लो. सरस्वतीक रोखडोच दोळो लागलो.... गजाननाचें मन भायल्या वातावरणांत वचून भरसलें... तो येवजितालो...

म्हजी ही जीण फुकट. हावें जगप म्हणजे दुसऱ्यांक त्रास... म्हाकाय... सरस्वती म्हणून कितलो तेंप सेवा करतली ? तिणें म्हाका वांचोवपाचो यत्न करप.... पूण हांव जगतलों कितलो तेंप ? जगतलों म्हणून ही पिडा कांय म्हाका सोडचिना... देवा... म्हाका बेगीन व्हर. हे वळवळे म्हज्यान सोंसूं नज. ही पिडा म्हाका बसपाक दिना... अशा हालांत म्हाका जगपाक नाका... कांयच नाका.... देवा तुज्या पांयांकडेन व्हर म्हाका... हांव हे पिडेच्या विळख्यांतल्यान सुट्टलों....

मरण येवचें म्हणून गजाननान दोन म्हयने वाट पळयली. आतां तर ताच्यान हांतुणार लेगीत बसपाक जाय नाशिल्लें. सरस्वती रात दीस म्हऱ्यांत बसून पदरान दोळे पुसताली. पुतांक्रय दिसतालें, पुरो हे वळवळे. बेगीन सुटका मेळूं...

गजाननाक दिसतालें, धडधाकट बरे मनीस रस्त्यार खलास जातात. मरण तांकां आपशींच येता. म्हाका कित्याक येना ? मागून लेगीत. देवा म्हाका बेगीन व्हर. गजाननान देवाक जायते उलो मारले. पूण देवान ताचो उलो आयकलो ना.

गजाननाचे जाता ते हाल पळोवं नजो जावन घरांतल्यांनी ताका चरणतीर्थ दिवपाचें थारायलें. हाचेर गजाननाचें मत विचारलें. ताणें

राखडोच हयकार दिलो. गजाननाक खबर आशिल्लें चरणतीर्थ कित्याक दितात तें. तें तरी घेवन मरण येवं दी जाता तितले बेगीन. ताणें मनांत म्हळें. हाचेशिवाय आनीक उपायच नाशिल्लो.

दुसऱ्याच दिसा पांच भटांक आपयले. सगली तयारी जाली. गजाननाक भितरले कुडींतल्यान भायर हाडलो. खाटेरच उशीं तेकोवन बसयलो. पांचय भटांच्या पांयांचें उदक घेतलें... मंत्र म्हळे.

पृथ्वीव्यांयानी तीर्थनि तानि तीर्थानि सागरे।

सागरे तानि तीर्थानि पदे विप्रस्य दक्षिणे ॥

तोंडांत घातिल्लें तीर्थ गजाननान एका घोटांत गिळ्ळें. देवाकडेन मरण मागलें.

चरणतीर्थ दिवन आठ दीस उलगले. कांयच उपेग जालो ना. मरण येवचे बदला तें पयस वचपाक लागलें. गजाननान म्हळें जर मरण येवचें ना जाल्यार हांवच थंय वतलों. हांव जीव दितलों.

अशेंच एके रातीं तो उठलो. जड दोळ्यांनी सरस्वतीचेर एक नदर उडयली. जागरणान ती सुस्त न्हिदिल्ली. तो भायर फाटल्या दारांत आयलो. थंड वाऱ्यान ताचें आंग शिरशिरलें. बांयचे धडेर तो गेलो. एक... दोन.... तो थांबलो. जीव दिल्यार हांव अधोगतीक वतलो. म्हज्या आत्म्यांक शांती मेळची ना. हांव एक मोठो विद्‌वान अशें लोक म्हाका मानतात. पिडेक भिंयेवन जीव दिवप ? ना... हांव भिवकुरो न्हय... हांव जीव दिवचोंना... पूण हे त्रास... वळवळे... हांव जीव दितलोंच... लोक कितेंय म्हणूं... म्हजो आत्मो घुटमळचो ना... शांत जातलो. हांव मेलों जाल्यार सगलीं सुट्टलीं.

'जगदंबे पाव....'

गजाननान आपली कूड बांयंत झोकून दिली.

आवाजान घरांतलीं मनशां जागीं जालीं. बोवाळ जालो.... गजाननाचे हांतरूण रिकामें... सरस्वतीन व्हडल्यान किळांच मारली. तीय बांयकडेन धांवली. शेजारी पाजारी जमले. गजाननाची कूड कोणें तरी उडी मारून वयर काडली. हापापो आशिल्लो. जीव वचूंक ना.... आंगांत हुनसाण जाणवताली म्हणटासर कोणें वचून दोतोराक हाडलो....मरणाच्या दारांत पाविल्लो गजानन परत आपल्या घरांत आयलो.

ताणें दोळे उगडलें. हें कितें ? आपूण अजूनय हांतुणार ? आनी

सरस्वती रडटा कित्याक ? सगलीं जाणां वग्गीशीं ?

'हांव मरूंक ना ? म्हाका तुमी कित्याक वांचयलो ? देवा... म्हाका तुवें कित्याक धाडलो ?'

'तुमी म्हाका कित्याक पळयतात ? म्हज्या कपलार कितेंय घालात... जीव घेयात म्हजो.... तें जायना जाल्यार हे पिडेक मारात... पूण अशे भिवकुरे नदरेन म्हाका पळोवं नाकात...'

गजाननाचीं उतरां सगल्यांच्या काळजाक पिळोव घालतालीं.

दोन तीन दीस जाले. गजानन मरणाची भीक मागतालो. 'खबरेक आयिल्ल्यांक शरण येतालो. बडबडत रावन ताचो ताळो लेगीत पडलो... उलोवणें लेगीत कळना जालें... जिवाक एक मिनीट सुशेग नाशिल्लो. ते वळवळे पळोवन सगल्यांक दिसतालें... गजाननाक जाता तितले बेगीन मरण येवचें.

आयज गजानन मातसो वोगी आशिल्लो. कितेंतरी येवजितालो. ताची नदर घराच्या पाख्यांत घुटमळटाली. मळबांत उडपाक धडपडटाली. दोन दीस तो पिडेक सामकोच विसरलो... तिसऱ्या दिसा रातच्या बारा वरांचेर गजाननाक परत त्रास जावपाक सुरवात जाली... सामकी ही काय ती तड... घरांतलीं भिंयेलीं... पुतान वचून दोतोराक हाडलो... 'दोतोर... म्हाका सगले उपाय करून जाले... तूं आतां कित्याक आयला ? म्हाका मरपाक वखद दी.... म्हाका मारून उडय... तुजेकडेन ते खातीर वखद आसा...?
दी... दी.... म्हाका.... पांयां पडटां...'

'मरण कोणाच्याच हातांत ना... फकत उपाय करप चालू दवरपाचे'

दोतोरान गुळयो बरोवन दीत म्हळें.

'दोतोर पळय.. हें पाखें लेगीत कितलें वयर... ना जाल्यार हांव गळफांस लावन केन्नाच मरपाचों... हीं सगलीं पाळत दवरून रावतात... म्हाका मरपाक लेगीत दिनात... म्हाका मारिना जाल्यार हे पिडेक मार... दोतोर दोगांय जगप शक्य ना...'

दोतोर गेलो.... गजाननान व्हडल्यान हामेर ठोकली. तकली खाटीर आपटिली. हातपांय बडयले. निराश जावन तो हांतुणार पडलो.... फुड्यांत आशिल्ल्यांनी गजाननाक सांवरून धरपाचो यत्न केलो....

म्हऱ्यांत रावन पाळत दवरपी रवीक गजाननान म्हळें.

'रवी ?... तुका आई उलो करता.'

'बाबा... म्हाका न्हय.'

'ना कितें... तुकाच उलो केला. हावें आयकला.'

'ना बाबा तुमकां वोगीच तशें दिसलां.'

'वचून तरी पळय.'

रवीन मनांत म्हळें... भायर वचून पळोवचें ?... नाका.... एकदां ताणें जीव दिवपाचो यत्न केला.. ताका पातयेवप ना... खऱ्यांनीच त्याच खिणाक रवीक आवयन उलो केलो... रवी भायर गेलो....

चलून आयिल्ली संद सादून गजानन हांतरुणावेल्यान उठलो... ताचे सगले कुडींत एके तरेचें बळगें संचारलें... खाटेवयल्यान देंवन झपझप पावलां उडयत तो भायर आयलो. बांयची वाट चलपाक लागलो....

रवी कुडींत आयलो... बाबा खाटीर ना... ताणें भायर धांव मारली. फाटल्या दारांत... बाबा बांयचे धडेर पाविल्लो.

'बाबाऽऽऽ'

रवी व्हडल्यान आड्डलो. ताचो उलो गजाननाशिवाय सगल्यांनी आयकलो... घरांतलीं भायर येवन पयलीं गजाननान बांयंत घालून घेतलें. बांयच्या तळाक गेल्ली गजाननाची कूड परत वयर आयलीच ना...

☆

इलो

आनू निकतोच उठून दांत घांसतालो. ताणें हेवटेन तेवटेन नदर भोंवडायली. रस्त्यावेल्यान लोक चोम्यांनी चलत वताले. सगले कितेंतरी फुतफुतताले. गंभीरतायेन उलयताले. तोंडां सुतकी... दोंगरासकयल्या भाटांत लोक ऐस–पयस पातळ्ळेलो. लोकांचें थंय वचप इल्लें–इल्लें वाडत आशिल्लें.

'आनू ? तूं येना ?'

नागेशान आनूक आपयलो.

'खंय रे ?'

'तुका खबर ना ?'

'खंय रे सकाळीं फुडें ?'

आनून दोळे चोळीत विचारलें.

'थंय जमो जाला थंय... इलो पळोवपाक.'

'कोण खंवसलो रे ? कोणाचो इलो चल्ला ?'

आनूचो प्रश्न.

'कोण म्हणजे तुका खबरच ना ?'

'ना...'

'म्हणजे तूं खंय आशिल्लो तर ?'

'मावोड्या... दोन दीस जाले... जात्रेक गेल्लों...'

'काल सकाळीं रामदास खंवसलो. पळोवपाक लोक

जमल्यात... पोलीसय आयल्यात खंय. थंयच वतां हांव...'

'म्हणजे ? रामदास, राजू आनी संजू जुवळ्यांचो बापूय ?'

'हय... तूं येता मरे ?'

'इलो आनी कितें पळोवपाचो ? आतां कितेंय तशेंच आसा जाल्यार...'

आनून कान खरपीत म्हटलें.

'हय...मड्याचेर निमाणी नदर घालपाची आनी शिवाय पिकअप भरून व्हेलां...?'

नागेशान ताकतीक केली.

'कितें ? लाकडां ?'

आनून एक तोंड पिनसर जांबय काडली.

'लाकडां न्हय... हें... हें...'

नागेशान आंगठ्याचें बोट तोंडाकडेन व्हरीत म्हटलें.

'बरीं आसात दुडवांनी म्हणून आयकल्लें.'

आनून बेगीन बेगीन तोंड धुलें.

'च्या घेवंया मरे ? यो घरांत यो'...

आनून नागेशाक भितर आपयलो...

'च्या खंय ? हांगा च्या पियेत रावल्यार थंय गोबोर जातलो... मुस्तायकी सुध्दां नाका... सर भायर...'

'इतली ताकतीक कित्याक रे ?'

'कित्याक तें थंय वतकच कळटलें.... बेगीन चल...'

नागेशान आनूक फोर्सार केलो. आनून येवजिलें... अशें ह्या मड्यांत पळोवपासारकें आसा तरी कितें ? नागेश म्हण्टा म्हणून वचुया...

'तूं म्हण्टा जाल्यार या चल...'

दोगय उलयत चलपाक लागले.

'नागेश ? रामदासाक कितें जालें रे ?'

'तशें कांयच जावंक ना. काल सकाळीं बाजारांत गेल्लो... रस्त्यार घुंवळ आयली. सकयल पडलो. लोक जमले. म्हण्टा म्हणसर खंयचेकडेन कांय ना. पोलिसांनी उबारलो... निकाल केलो... दोतोरान सांगलें आताक म्हूण...'

'निकाल लायलो जाल्यार तूं खंय वता तर रे ?'

'निकाल म्हटल्यार तें रे. मरतकच तपासतात तें.'
'जांव बरो मेलो न्हय रे नागेश ?'
'बरो मेलो. म्हणजे कितें ?'
'आरे... दुयेंत ना... वखद ना... विरसद ना... अशें मरण बरें ?'
आनून नागेशाक पळयत म्हटलें.
'हय... दोन पूत आसात. सांगताले म्हातारपणांत हांव सिर्वीस करतलों म्हण '
'कोणाल्या म्हातारपणांत ?'
आनूचो प्रश्न.
'बापायच्या रे...'
'हांव समजलों आपल्या.'
'आनू ? तुवें सकाळींफुडेंच घोंट घेतला काय कितें रे ?'
'चे... तो घेतल्यार तुजेफाटल्यान कित्याक येतलों आशिल्लों ?'
'आसूं... चल पावलां उडय बेगीन... च्यांव च्यांव नाका...'
दोगांयचींय पावलां नेटान पडपाक लागलीं.
'कितें जालें रे ?'
नागेशान विचारलें. आनून कलसांवा बोलसांत हात घालो. एक विडये पोंतेर काडून तोंडांत धरलें. नागेशाच्या तोंडाकडेन पळयलें.
'आसा ?'
'फस्क रे ?... घे.'
आनून तोंडांतल्यान सू ऽऽऽ करून धुंवर सोडून मिशीन तापलें म्हणपाचें शिनाल दिलें...
'दुसऱ्या बोलसांत आनी एक पोंतेर आसा जाल्यार पळय मरे...'
नागेशान आनूक म्हटलें.
'नारे... हेंच घे... उरलां तें तूं सोपय...'
'पाड पडूं तुजें... हाड हेवटेन...'
विडये पोंतेर सोंपलें. हाताक निमणो धग लागतकच नागेशान शेंवटून दिलें. नागेश पयल्या मुद्द्यार आयलो.
'रामदास भाग्यवंत न्हय ?'
'कित्याक ? ताणें कितें व्हडलें काम केलां ?'

आनून प्रश्न विचारलो. आनी म्हळें...

'ना... पूण तरी आसतना शेंकड्यांनी लोक इल्याखातिर जमप म्हणजे?'

'आरे आनू... तशेंच कारण आसा...'

नागेशान आनूक म्हटलें.

'कसलें ?...'

'थंय पावतकच कळटलें...'

'तें जालेंच रे नागेश... पूण तुवें कितें आयकलां ?'

'इलो गडगडीत जातलो. दोगय पूत कुवेताक वचून दुडू घेवन आयल्यात. दोगांयनीय गाडयो घेतल्यात. घराक तिजुले...'

'हावें आयकल्लें तांचीं झगडीं जाल्यांत... दोगय कोर्टांत वचपाक भायर सरल्यात...'

आनून आयकल्ली गजाल नागेशाक विचारली.

'हय. ती फाटली गजाल. बापायन म्हणजे रामदासान तांकां फाटीं ओडले. म्हऱ्यांत बसयले. गोडीगुलाबेन बेंसाचे वांटे सारखे करून दोगांयकय दिले. आतां खोशयेन रावतात... चल उखल पावलां बेगीन बेगीन...'

नागेशान ताकतीक केली.

'राव रे... हावें गाडयांचें कितेंतरी आयकल्लें मरे नागेश ?'

'हय. गाडी दवरपाक शेड एकच. दोगय म्हण्टात ती आपणाक जाय... मागिर...'

'मागीर कितें ?'

'पोरनी मोडली... घराच्या दोनय कुशीक शेडी जाल्यो... नव्यो... घराचे वांटे दोन... शेडी दोन... गाडयो दोन...'

'म्हणजे भाव जशे जुंवळे... तसो संवसारय जुंवळो...'

आनू मदींच उलयलो.

'नागेश ? रामदासाक ह्या जुंवळ्याचो त्रास जाय नाशिल्लो रे ?'

'चे...'

नागेशान तकली वावडिली.

'आताक आयलो म्हणून म्हण्टां...'

'नारे आनू... रामदास नशीबवान... देखून जुंवळे जाले तागेर... दोगय

भांगराभशेन सांबाळटाले ताका...'

'रामदास कोणाच्या वांट्याक रे ?...'

आनून विचारलें.

'तो बाबडो शिमेर... झगडीं मिटलीं... दोगय पूत ताका सारकेच रामदासाक सारकोच आग्रो... राजू म्हण्टा म्हगेर राव... दुसरो पूत संजू म्हण्टा म्हगेर राव...'

'रावलो कोणागेर रे तो ?...'

'आठ दीस संजूगेर... आठ दीस राजूगेर, आळी–पाळीन...'

'खरेंच नशीब बरें आशिल्लें न्हय रे नागेश ?'

'रामदासान आपणागेर रावचें म्हणून झगडीं जायनाशिल्लीं रे तांचीं ?....'

आनूचो दुबाव.

'रामदासाक मानपाक नाका... दीस मेजूनच रावतालो...'

'सणां... परबांक ?'

'इतलें बारीक हांव नकळं... एक दीस गेल्यार दुसऱ्या दिसा आपोवणो...!'

'नागेश ! घोस्त कोणाचो ताका? राजूचो काय संजूचो ?'

'रामदासाक दोगय सारकेच न्हय रे ? दोगांयकडेन ताचें सारकेंच वागप...!'

नागेशाचो आनुचेर धेंगसो....

'सुनांकडच्यान कशी वागणूक मेळटाली ताका ?'

'सुनो?.... रामदासाक कांयच कमी पडपाक दिवंक ना तांणी.... ताचो थातो – मातो दिस्त जातालो दोगींयकडच्यान.... दोनय घरा तोच भौमान.... आग्रो..... मोग...... मदीं फक्त एक वणत....'

'नागेश..... रामदास नातरां मात पळोवपाक पावलो ना न्हय रे ?'

'नातरां ? आतां वयर रावन पळयतलो...!'

नागेश हांसलो.... आनूनय किडिल्ले दांत दाखयले....

'तें आसूं.... नागेश ? खरेंच पिकअप भरून व्हेलां ?'

आनून पावलांचो वेग कमी करीत विचारलें.

'पिकअप भरून तर... हावें पळयलां बांदावेल्यान. तांबयो थंयच

आपटिलो आनी तुका पळोवपाक धांवलों... तोंड लेगीत धुवंक ना.... म्हटलें थंयच धुवचें...!'
'ती पळय.... ही.... ती....'
नागेशान बोट दाखयलें....
'कोण ?.... ही ती रे रामदासाची सून ?'
आनून विचारलें.
'सून न्हय.... पिकअप.... पिकअप.... पोलीस ? कितें जालें रे हांचें ? पोलीस कित्याक रे आजून ? मिटूंक ना हांचें ?
नागेशान भुंवयो कपलाक तेंकयल्यो. आनू पांयांच्यो किल्ल्यो दामीत नागेशाफाटल्यान धांवपाक लागलो.
'पोलीस मारले झक.... हे गर्देंत आमच्या ताळ्यार पडत मरे नागेश ?'...
'हय रे आनू.... हांव आसतना तूं कित्याक भिता?'
आनू आती नागेश दोगय गर्देंत घुसले... पांय माडयत... लोकांक धुकलीत.... बकांड्यो खायत.... रामदासाच्या मड्याकडेन हजर जाले. सरपंच मड्याकडेन उबो रावन कसली तरी चवकशी करतालो...
'राजू ? तुजें कितें म्हणणें ?'
सरपंचाचो राजूक प्रश्न.
'बाप्पाचेर निमणे संस्कार हांव करतलों... म्हजे जमनींत.... हो अधिकार म्हाका आसा....!'
राजून सरपंचाक सांगलें
'संजू तुजें म्हणणें कितें ?'
सरपंचान संजूक विचारलें.
'बाप्पा म्हगेर रावतालो.... आठ दीस जाले.... बाप्पाचो इलो हांव करतलों म्हजे जमनींत...'
संजूचें म्हणणें.
'सरपंच ? हांव बाप्पाचो व्हडला पूत'
राजून म्हटलें.
'तूं खंयचो ? हांव व्हडलो पूत...'
संजून म्हटलें.

राजू आनी संजू दोगय जुंवळे पूत.... कोण व्हडलो आतां कशें कळटलें.... सरपंचाक कुवाडें पडलें. कितें करचें ? ताचेर पेंच आयलो. जमीन, घराचे वांटे जाले म्हणून मड्याचे वांटे करप शक्य ना. सरपंचाच्या कपलाक आंट्यो पडल्यो.

'नागेश..... नागेश.... आतां कशें जातलें ?'

आनून नागेशाक घसाघस हालयलो.

'वोगी राव रे....!'

'रामदासाचें न्हय रे.... आमचें....'

'कितें जालें?'

'थंय काजू मुळांत पळय.... फुटल्यो....'

जिबली चाटीत आनून म्हटलें....

'फुटूं दी....'

नागेश सरपंचाचें उलोवणें आयकुपाक गुल्ल जाल्लो....

'नागेश ? फुटल्यो हांव चल्लों....'

'आनू ? खंय धांवता ?'

नागेशान आनूक म्हटलें.

'काजू मुळांत पळय. बाटल्यो फुटल्यो....!'

'थार धर रे.... खूब आसा.... आयक पळोवया.....'

चाळवल्ले जिबेन आंवडे घोंटींत आनू सरपंचाचे उलोवणें आयकपाक लागलो.

संजून सरपंचाक परत एकदां म्हटलें.

'बाप्पाचो इलो हांव करतलों... म्हजे जमनींत...'

'ना..... ना.... हांव करतलों म्हजे जमनींत...!'

राजू संजूचे आंगार धांवन गेलो.

'अशे झगडूं नाकात... हें पळयात..... रामदासाक शिमेचो आडो मोडून मदीं सरण रचचें... मान्य आसा दोगांकय?'

सरपंचान राजूक आनी संजूक विचारलें. दोगांयनीय एकामेकाक पळयलें. 'हय' म्हणून तकली हालयली.

'अग्नी हांव दितलों...!'

संजून खणखणींत आवाजांत सांगलें.

‘मड्याचो इलो हांव करतलों...!’
राजू चार पावलां फुडें सरलो....
‘मड्याक दोगय अग्नी दियात ... राजू तूं पायांवटेच्यान. संजू तूं तकलेवटेच्यान....!’
सरपंचान निवाडो दिलो.
‘ना.... ना.... हांव तकलेवटेच्यान.’
राजू आड्डलो.
‘सरपंचान सांगलां तशेंच जातलें... हांव तकले वटेच्यान....!’
संजून म्हटलें.
‘तकलेवटेच्यान अग्नी दिनात....!’
जमावांतलो एकलो आड्डलो....
‘तशें नाका... तूं उजव्या पांयावटेच्यान आनी संजू तूं दाव्यावटेच्या पायाकडच्यान.... मान्य आसा ?’

सरपंचान विचारलें. दोगय तयार जाले. पंचायतीच्या निवाड्याप्रमाण सगलें जालें. जमनीचे शिमेचो आडो मोडून सरण रचलें. राजू आनी संजू दोगांयनीय मेळून मड्याक अग्नी दिलो. आनू आनी नागेशान कचरून यो म्हणसर पेटयलें. रामदासाक आर्गां ओंपीत झेलपटत ते चलपाक लागले... मदींच थामून आनून विचारलें....

‘आरे नागेश ? इल्याचें बरे भशेन जालें. अस्तींचे आनी बाराव्याचें कशें रे?’

‘तें तुका आनी म्हाका कित्याक लागलां ?... करुंनी दोगांकय.... आमकां पान सुटलें जाल्यार नाका जालां....’

आनू वाळवो पेंचीत हांसलो. शिमेवयलो इलो दोगांयच्याय पथ्थार पडिल्लो.

☆

पुनर्जल्म

सांजेचो वेळ आशिल्लो. हांव बशिल्लें थंयच्यान म्हाका माणकुलीं भुरगीं जायते खेळ खेळटात तें पळोवंक मेळटालें. थोडी भुरगीं आट्यांनी खेळटालीं. ते आटे जशें घुंवत धांवताले तशे म्हज्याय मनातले विचार घुंवत घुंवत फाटीं येवपाक लागले. भुरग्यांच्या जाग्यार पोरूंचे वायट उगडास धांवताले. जायतीं मनशां दोळ्यांमुखार येवन वतालीं. तांतूतलेंच एक नंदा. ताची याद जायना बराबर म्हज्या काळजांत खोल खंयतरी किस्स जालें. नंदा एक बऱ्या स्वभावाचें, म्हज्या काळजाच्या एका कोनशाक रावपी चली.

हांव जेन्ना पयल्याच दिसा कॉलेजींत गेलें त्या दिसा ताणेंच म्हाका येवकार दिल्लो. दोन तीन दिसांभितर कॉलेजीच्या कोनशान कोनशाकडेन म्हजी वळख करून दिल्ली. म्हाका कुवाडें पडलें... एक अनवळखी चली म्हजे इतलें लागीं येवन म्हाका आपुलकी कित्याक दाखयता ? हावें ताची वासपूस करपाक सुरवात केली...

'तुजें नांव कितें ?... तूं कितें शिकता ?'..

'म्हजें नांव नंदा... हांव कला विभागाच्या तिसऱ्या वर्साक आसां' ... तांणें म्हाका जाप दिली.

हावें म्हजीय ताका वळख करून दिवपाक सुरवात केली. 'म्हजें नाव वैशु... हांव कला विभागाच्या पयल्या वर्साच्या

शिकपाखातीर ह्याच वर्सा हांगा आयलां... पयली हांव फोंड्यां शिकतालें... हांगा म्हाका वळखुपी कोणच ना... तूंच पयलें... तेंय बी एका दिसांत म्हाका सांमकें लागशिल्लें जालां...' हें आयकून तें थंड हांसलें. हावें मनांत म्हळें कितलें मायेस्त चली. मागिर आमच्यो जायत्यो गजाली जाल्यो. पयलींचे शाळेचेबाबतींत, घरांबाबतीत, गांवांबाबतींत आनी कितें क़ितें.....

इल्ली–इल्ली नंदाची आनी म्हजी वळख वाडत वताली. आमी दोगांय जरी वेग–वेगळ्या वर्गांत शिकतालीं. तरीपूण सदांच मेळटालीं. आमच्यो खबऱ्यो जेन्ना रंगार येताल्यो तेन्ना कॉलेजीची वेळाची बेल लेगीत सट्ट करून आमच्या कानार पड नाशिल्ली. एक दीस आमच्यो खबऱ्यो रंगार आयिल्ल्यो. लॅक्चरां नाशिल्ल्या कारणान आमी दोगांय पासयेक वचपाक भायर सरलीं. उलयतां उलयतां नंदा मातशें मंद जालें. ताची हुशारी खंयचे खंय नाच्च जाली. हावें ताका पळयलें. घुंवळ्ळ्यावरी ताका जावपाक लागलें. एक हात काळ्जाकडेन धरून ताणें जमनीरच बसकण मारली. म्हजेर आकांत आयलो. कितें करचें कांयच कळना जालें. ताका हावें दोनय हातानी घट धरलें. ताणें खुणेनच म्हाका भियेवं नाका अशें सांगले....

'नंदा... तुका कितें जाता ?... अशें मदींच रस्त्यार बसूं नाका... थंय पेड आसा थंय या... घुंवळ येता तुका ?' हावें ताका हाताक धरून उठयलें. दोगांय पेडाकडेन वचून बसलीं. हावें परत नंदाक विचारलें...

'नंदा... तुका कितें जाता तर ? चल आमीं कॉलेजींत या. तुज्यान नज जाल्यार हांव तुकां घरा पावयतां' ....

'नाका... हांव बेस बरें आसां.... म्हाका कांयच जायना. तूं भियेवं नाका.' ताणें रडकुऱ्या तोंडाचेर मात्सो हांसो ह़ाडीत म्हळें.

'कांयच जायना... नंदा तुजें तोंड सामकें फिकें पडलां. दोळे खोल गेल्यात. अभ्यासाखातीर जागरणां मारता गो ?'

'हॅं.. कांय ना गो... हांव पयलीं भाशेन आसा...'

'ना... नंदा म्हाका फटोवं नाका... नंदा, म्हजेपासून तूं कितेंतरी लिपयता...'

'ना... वैशु... चल या आमी...' नंदान म्हज्या हाताक धरून उठत म्हळें.

'सोपूत आसा तुका म्हजो... कितें जाता तें सांगले बगर हांव येवचें

ना.' हावें थंयच बसून रावपाची तयारी दाखयली.

'वैशु, सोपूत कित्याक घातलो तुवें...' तें परतें बसलें. पयस पळयत रावलें. सकल दवरिल्लीं पुस्तकां काडून मांडयेर घेतलीं. आनी एक एक पुस्तकाच्या फोराचो कुडको करून, गुठली करून भायर शेंवटुपाक लागलें. ताका, म्हाका खूब कितें सांगपाचें आशिल्लें हें हावें वळखिलें. पूण उतरां जिबेच्या पोंतारच झिरकतालीं. थोडो वेळ मोन्यांनीच गेलो. म्हाका दिसलें हांवें घडये ताका कितें जाता तें जाणून घेवपाचो हट्ट धरून ताचें मन दुखयलें. पूण म्हाका खात्री आशिल्ली तें म्हाका सांगतलेंच.

'वैशु... म्हज्या काळजांत अशेंच एक एकदां दुखता. मागीर घुंवळ येता... दोन आठवडे जाले... ही दुसरी खेप... चड करून अभ्यासाचो ताण पडटा जावंये'...

'दोतोराक दाखयलें ?' हावें विचारलें.

'ना हावें तुकाच पयलें सांगलां. तुजे शिवाय कोणाक सांगूक ना.. हरशींच गो तें. व्हडलेशें कांय ना.' ताणें विशय फापुडलो. 'चल या आमी' नंदान पान परतिलें. हांवय थंयच्यान उठलें.

'नंदा हांव तुका पावयतां... हे दुयेंस मागीर कित्याचेरय पडलें जाल्यार.... घरा हांव सांगतां.'

'नाका...'

'पूण कित्याक ? चड जालें जाल्यार कितें करतलें तूं ?' हावें ताका समजावपाक सुरवात केली.

'नाका गो.'

'ना... हांव सांगतलेंच. तुजे फाटल्यान येवपी हांव... जाता जाल्यार धांवडय मागीर म्हाका.'

'नाका वैशु... आतां जर हांव दोतोरागेर गेलें आनी परत परत फावटी घालच्यो पडल्यो जाल्यार मागीर म्हजो अभ्यास... ?' तें निराश जाल्लेवरी तोंड करून म्हाका पळोवपाक लागलें.. म्हाकाय तें खरेंच दिसलें. पूण परिक्षा जातकीर मात वचून तपासच असो हावें ताका निमणो सल्लो दिलो. हावेंय त्या वेळार ताच्या अभ्यासाक बादा नाका म्हणून व्हडलेशें मनार घेतलें ना.

दर्यावेल्यो घुलो मुठींत घेवन एका खिणांत भिरकाटावन उडोवंच्यो तशे

म्हजे पयल्या वर्साचे दीस सोंपत आयले. नंदा तिसऱ्या वर्साक आशिल्ल्या कारणान अभ्यासाच्या दर्यात बुंडून रावतालें. म्हजेखातीर ताचेकडेन वेळ नाशिल्लो. तरीपूण कॉलेजींत आयल्यार म्हाका मेळ्ळेबगर तें वचनाशिल्लें. म्हजीय परिक्षा लागीं पाविल्ली. आनी आमी दोगांनीय एकामेकांक 'देव बरें यश दिवं' अशें म्हणून फाट केली.

परिक्षा जाल्यो आनी हांव मोटे उमेदीनं सोयऱ्यांगेर मजा मारपाखातीर रावंक गेलें. म्हाका नंदाची खूब याद येताली. म्हज्या वांगड्यांक हांव कॉलेजींतल्यो खूबशो गजाली सांगतालें. नंदाचे आनी म्हजे इश्टागतीविशींय हांव उलोवन वतालें.

हांव जेन्ना घरा आयलें तेन्ना म्हयन्याचे सुटयेंत म्हाका नंदाच्यो दोन चिटयो मेळ्ळ्यो. एके चिटयेंत ताणें बरयल्लें 'वैशु, म्हजी परिक्षा जाली. पेपर बरे बरयल्यात आतां सुटी घालोवपाक पुण्याक वतां. म्हज्या काळजांत त्या दिसावरीच केन्नाय दुखता. आयज चीट लेगीत बरोवपाची ताकद म्हाका ना. पूण तुजे उगडास थारो दिनात.' चीट वाचून म्हाका त्या दिसाची याद जाली. ताची अवतिकाय विचार करपासारकी आसली. आनी हें फकाणां करता... नंदा, पापया फकाणां करूं नाका. जीव पयलो सांबाळ. ताका वचून मेळचें देखून हावें चीट आरती परती केली.. परत वाचली. पूण नंदा कितलें शाणें ! ताणें चिटयेर आपलो नामो बरोवंक नासलो. तें येन्ना पुण्याक गेलांय जातलें कारण चीट म्हाका उसरां मेळिल्ली. बरयिल्ली ताच्या आठ दीस मागीर. इतल्यो गजाली केल्यो पूण सादो ताचो नामो लेगीत हावें मागूंक ना हार्चे म्हाका वायट दिसलें. हांव कॉलेजीच्या लागसरच राविल्ल्या कारणान फकत म्हजें नांव आनी कॉलेजीचो नामो बरयल्यार म्हाका चीट पावताली. आतां हांव नंदाक चीट कशें बरयतलें ? पूण शेवटाक बरोवंक शकलेंच ना...

अशेच दीस गेले. म्हजे परिक्षेचो निकाल जावन हांव बऱ्या मार्कांनी पास जालें. हुस्को आशिल्लो तो नंदाच्या निकालाचो. तें तिसऱ्या वर्साक आशिल्ल्या कारणान ताचो फुडार ह्या वर्साच्या निकालाचेर थारतलो आशिल्लो. ताची शिकून व्हड जावपाची इत्सा आशिल्ली. ताणें म्हाका एक दीस सांगिल्लें, आपूण पी. एच. डी. करतलें म्हणून. म्हाकाय ताची ही इत्सा आयकून उपाट खोस जाल्ली. हाचे फुडलें शिकप तें घेतलें आशिल्लें.

तें जर पास जावन खंयय पयस शिकपाक गेलें तरीय म्हाका तें विसरपाक शकचें नाशिल्लें.

काळजांत धडधडोवपी तो दीस उदेलो. नंदाचो निकाल हावें कॉलेजींत वचून पळयलो. ताचो नंबर पयल्या वर्गात मोट्या अभिमानान चकचकतालो. म्हाका व्हड खोस जाली. हांव सगल्यांक सांगत सुटलें. नंदा निकाल व्हरपाक येतलें आनी हांव म्हज्या काळजांतल्यो गजाली ताचे मुखार ओंकतले देखून दोळ्यांत तेल घालून ताची वाट पळयत रावलें. पूण शेवटाक हावें ताचें अभिनंदन करपाखांतीर सांबाळून दवरिल्लीं उंतरां शिळीं जायत गेलीं.

म्हजें कॉलेज परत सुरू जालें. पूण पोरूंचे इतली उमेद नाशिल्ली. हांव कितेंतरी शेणलां ताचो सोद घेवपाक पयस खंयतरी हेड्टालें. म्हजें नंदा शेणिल्लें. हावें कॉलेजींतल्या ऑफिसांतल्यान ताचो नामो मेळयलो. ताच्या घरा वचून पळय जाल्या घराक कुलूप आशिल्लें. शेजाऱ्याकडेन चौकशी केले उपरांत कळ्ळें, तीं मुंबय गेल्यांत म्हणून. नंदाच्या काळजांत खूब दुखता म्हणून व्हड ऑपरेशन करपाक ताका थंय व्हेलां. हांव ती वायट खबर घेवन परत्या पावलांनी घरा आयलें. मळबांत कुपां भरचीं तशे म्हजे दोळे दुकांनी भरले. म्हाका ताची चिंता जावपाक लागली. दोळ्यांमुखार हांसते नंदा येवन वचपाक लागलें. नंदा कशें आसा काय ? ताका कितें जालां काय ? अश्या जायत्या दुबावांनी म्हजी तकली भणभणूंक लागली.

थोड्या दिसांनी परत हांव नंदा रावतालें त्या बिराडार वचून आयलें. पूण कांयच खबर मेळ्ळी ना. अशेंच एक दीस हांव ताचेविशीं चिंततालें तेन्नाच पोस्टमॅनान नंदाची चीट हाडून दिली. चीट पळोवन हांव खोशयेन भुरकटलें. हावें थार धरिनासतना बेगीबेगीन ती उगडली. चिटयेंत बरयल्लें 'म्हजी याद आसा ? काय विसरलें ? वैशु, हांव व्हडल्या दुखण्यान पोखरलां. ऑपरेशन करपाखातीर हांगा मुंबय हाडलां. जीवन मरणाचे शिमेर हांव वांचपाखातीर झगडटां. ह्या एकलेपणांत म्हाका तुजी याद येता. हें दुखणें जरी केदेंय व्हड आसलें तरीपूण हांव बरें जावन तुका मेळपाक बेगीनच गोंयां येतां. तूं जरी गोंयांत आसलें तरी पूण तुज्यो यादी म्हज्या काळजांत घर करून हावें हांगा हाडल्यात.'

—तुजेंच, नंदा

चीट वाचून म्हजें काळीज खोशयेन आनी दुखान भरलें. हांव तशीच ती चीट घेवन देवा म्हऱ्यांन गेलें. 'देवा, म्हज्या नंदाक बेगीन बरें कर.. हांव तुजे उपकार केन्नाच विसरचें ना.' अशे म्हणून देवाक पांयां पडलें.

म्हाका सदांच नंदाची काळजी जाताली. नंदाचें काळजाचें ऑपरेशन जालां जातले. आनी रोखडेंच म्हाका मेळपाक ते गोंयांत येतलें हे आशेन हांव ताची वाट पळयत रावलें.

हांव बाजारांत गेल्लें. थंय म्हाका नंदाची शेजान्न मेळ्ळी. हांवें बेगीबेगीन लागीं वचून तिका विचारलें.

'आई... नंदा कशें आसा ? तुका कितें खबर कळ्ळ्या ?'

'बाय, नंदाक आजून हांगा हाडूंक ना... पयरच ताचो भाव येवन गेलो. नंदाचें काळजाचें दुखणें बरेंच बळावल्लें. ऑपरेशन जालें पूण आनीक दोन म्हयने हॉस्पटलांत रावचें पडटलें अशें दोतोरान सांगलां खंय... येतलें आनीक दोन म्हयन्यांनी.'

हांव ती खबर आयकून खूब खोशी ज़ालें. येतलें आनीक दोन म्हयन्यांनीं. पूण हे दोन म्हयने कशे वतले ?

म्हाका दिसलें इतले दीस नंदाक शेणोवपाक हांवच जबाबदार. हांवेंच ताका पयस केलें. ताका जेन्ना पयले खेपे दुयेसाचें शिनाल जाल्लें तेन्ना जर हावें ताच्या घरा वचून घरच्यांक सांगिल्लें जाल्यार तें दुखणें आयज ह्या थारार पावचें नाशिल्लें. केदी चूक केली हावें... तरीपूण त्या दुखण्यांतल्यान ताणें तड माल्ली ती व्हड.

एक दीस हांव लॅक्चराक बशिल्लें. सहज म्हजें लक्ष भायर गेलें. आनी कितें अजाप... संथ पावलां उडयत नंदा कॉलेजींत येतालें. म्हाका कसलेंच भान उरलें ना. क्लासांतल्यान हावें धांव मारली आनी नंदाक वचून वाटेरच घट्ट धरलें. दोगांनीय एकामेकांच्या खांदार हात घालून खोस परगटायली. हावें ताच्या दोळ्यांत पळयलें. म्हजे दोळे संतोशाचीं दुकां व्हांवयत ताच्या दोळ्यांत वचून मिसळ्ळे. नंदाचो पुनर्जल्म जाल्लो.

आयजय जेन्ना म्हाका नंदाची याद जाता तेन्ना जीण रिती दिसता. तें जरी आयज पुण्यांत शिकता तरीपूण ताचें मन म्हजे भोंवतणींच धुटमळत आसा हातूंत दुबाव ना.

☆

ना आलतड ना पलतड !

सुलून साडयेचो पदर माथ्यावेल्यान सकल वोडलो. ताचो शेव तोंडान घट्ट धरलो आनी वोल्यांची बालदी घेवन घरासकयली पांयवाट माडयत, संथ पावलां उडयत तें तळ्याचे देगेर पावलें. तळ्याचें निळें– निळें उदक पयसमेरेन पातळ्ळेलें... त्या निळ्या उदकांत देगेचे रूख ओमते मानेन धर्तरिचे गोमटें रूप नियाळटाले. सुलून ओल्यांची बालदी सकल दवरली. तें खीणभर थंयच्या फातरार बसलें. हरशीं हो वेळ बायलांनी तळ्यार गर्दी करपाचो. पूण आयज कोणूच नाशिल्लो... एके नदरेन सुलूक हें बऱ्याकूच पडिल्लें. त्या दिसासाकून ताका आपलें तोंड हेरांक दाखोवप कठीणच जाल्लें...

सुलून बशिल्ले सुवातेवेल्यान उदकाचो शिंवर दोळ्यांर मारपाखातीर मान सकल बावगयली. आनीक त्या नितळ उदकांत आपलें रूप पळोवन ताका पयलेच खेपे कच्च जालें. कित्याक? ताच्या कपलार ल्हानपणापासून मिरयत आयिल्लो कुकमाचो तिबो थंय नाशिल्लो... तो तिबो पुशीत पसून ताणें हारसो सोडिल्लो... आज अचकीत घडिल्ल्या ह्या प्रसंगान ताचें चित्त बावचळून गेलें...

इतल्यांत शेजारच्या रुखावेल्यान एका बक्यान तळ्यांत

उडी मारली आनी चोंचींत एक 'खोरू' धरून तें परतें झाडार वचून बसलें. तळ्यांतलो उदकांतलो चेरो एकदम हाललो... विसकटलो... सुलूक हे तरंग म्हणजे आपले जिणेचो चित्रपटूच कसो दिसलो. जिणेचो हो चित्रपट ताका फाटीं–फाटीं वोडीत व्हरतालो...

लग्न जावन तीन वर्सां जायत ना जायत ताचेर दुखाचो दोंगर पडलो... लग्न जायतपसून ताका एकय दीस सूख मेळूंक ना. आनी मेळपाचें आशिल्लें जाल्यार ताच्या नशिबांत तें नाशिल्लें. सुलून घोव आनी कुळागर सोडून कोणाचेच्च तोंड पळोवंक नाशिल्लें. ताचो घोव सदांच कुळागरांत काम करतालो. आपल्या कुळागरांत काम करून वेळ मेळ्ळो जाल्यार भाटकाराच्याय कुळागरांत नाल्लबी पाडपाक वतालो.

त्या दिसा सुलू तीनसांजचें दोड घेवन घरांत भितर सरतानाच भायर पणसार नातूक रडलें आनी तेंच नातूकं सुलूक ताच्या घोवाच्या मरणाची खबर घेवन आयिल्लें जायत. पूण हें अशें घडत म्हणून सुलून मात सपनांत लेगीत येवजूंक नाशिल्लें. घराफुडल्याच पणसार नातूक रडलें म्हणून तुळशीक तुपाचो दिवो लावन कांयच वायट जावं नाका अशें सांगून सुलू घरांत आयलें. घरांतल्या देवाक ताणें तुपाचो दिवो लायलो आनी रान्नीवेलो बुडकुलो धुवन ताणें तातूंत शिता गोटे शिजोवंक आदन दवरलें... आनी आपल्याच मनासारको खतखतो आयिल्ल्या त्या आदनांत ताणें दोन मापां तांदूळ घाले. घोंव आयज् पाड्याचो दिसवडो घेवन येतलोच अशें म्हणून ते भायल्या शेणान सारयल्ल्या तुकतुकीत अश्या सोंप्यार येवन बसलें. त्या नाल्लांचें आनी दिसवड्याचें मेळून आपल्याक एक साडी घेवन दीच असो हट्ट आज धरतलेंच हे तयारेंन तें आशिल्लें.

बरोच वेळ जालो तरी घोवाचो पत्तो ना हें पळोवन ताका हुस्को जावपाक लागलो. परत एकदां येदोळच्या नातकाचें रडणें कानाचे पड्डे फोडूंक लागलें. ताणें परत चरू सांगून घेतलो. चुलीवेल्या शिताचो खतखतो केन्नाच थांबिल्लो. सगळेकडेन थंड जाल्लें....

वेळ वता तसो सुलूच्या दोळ्यांतल्यान पावसासरी देंवूंक लागल्यो. भायर थंड वारो व्हांवतालो पूण सुलूच्या आंगाक मात घाम सुटिल्लो. शेजाऱ्याक कोणाकय वचून सांगतलें म्हळ्यार लागसाराक घर नाशिल्लें. रातीचें भायर सरप, भिंयेवन मरपाची पाळी. सुलूक कितें करचें कांयच समजना जालें.

ताचो जीव अटंग्या रानांत पडलो.

दुसऱ्या दिसा भाटकाराच्या चल्याचें लग्न आसलें, म्हणून उशीर जालो दिसता अशें म्हणून ताका एक मन सांगतालें. पूण दुसरें मन ताका भिश्टायतालें. सकाळच्या पारार भायर सरतना सांचो स वरांपयनीं आपूण कसोयतरी घरा येतलोच, वाट पळय, भियेवं नाका. सिमेवयलो देंवचार आसा. भंय कांयच ना, अशें घोवान सांगिल्लें. आनी आतां तर रातचीं धा वरां जायत आयिल्लीं.

गणून पाडलें आनी तो भाटकारागेर दिसवड्याखातीर गेलो. हातार दिसवडो पडपाचो सोडून काळच ताका वोडून व्हरतलो हें तो खंय जाणा आशिल्लो ! तिळसान जाल्यारय आनी 'एकच घराफुडलो माड उरला तो पाड रे... एकच किद्याक सांडटा ?...' अशें म्हणून भाटकारान फोर्सार करतकच तो माडार चडलो. पोटाक भूक लागिल्ल्या कारणान वयर पावता म्हणसर ताका घुंवळ येता शी दिसली. दोळ्यांमुखार खुब्ब काजुले चकचकले. धर्तरि मांयन एका गुपाट काळखांत तोंड फिरयलें अशें ताका दिसलें. केन्ना ताचो हात सुटलो आनी गुटली केन्ना जमनीर आपटली तेंच ताका कळूंक ना. ताची बोब आयकून भाटकार भायर आयलो. गणूक पियेवंक उदक दिलें पूण कांयच उपाय चल्लो ना. उदकाचो घोंट आपले मायेस्त बायलेच्या दुखाचीं दुकां अशें ताका दिसलें.... शेवटाक ताका देवाचो आपोवणो आयिल्लो आनी वचपा शिवाय दुसरो मार्ग नाशिल्लो.

गणून मान सकल सोडली. त्याच वेळार 'म्हजे बायलेचो बरे तरेन सांबाळ करात ....' हीं उतरां पयलीं आनी निमणीं उलोवन ताणें देवागेरची वाट धरली. किदें करचें कांयच भाटकाराक सुचना जालें. लग्नाक आयिल्ल्या लोकाक कितें सांगचें ? सुलूक कशें सांगचें ? ताका कांयच येवजना जालें. गणूच्या उकत्या दोळ्यांत ताका सुलूची म्हूर्त दिसली आनी नकळत ताच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. ताणें स्वताच्या चल्याक गणू म्हऱ्यांत बसयलो आनी पेट्रोलमास घेवन भायर सल्लो. लग्नाची तयारी करपी लोक गणूक पळोवन चुरचुरले. सुलूचें नशीब फुटकें. येदी व्हडली जिणेची वाट चलपाची आसली पूण सांगात मात नासलो. जिविताच्या वाटेंत खूब संकटां आनी दुखांय आसलीं पूण तीं भोगपाक कोण सांगाती ताचेबराबर आसलो ?

सुलून भायर सोंप्यार बशिल्लें थंयच्यान पेट्रोलमासाचो उजवाड पळयलो आनी ताचो जीव सूऽ ऽ ऽ जालो... पूण हातांत पेणी ना तें पळोवन ताच्या आंगार परत एकदां कांटो उबो रावलो. ह्या आंगावयल्या कांट्याचें आनी पणसावेल्या नातकाचें नातें आसल्यासारकें परत एकदां सर ऽऽऽ फट ऽऽऽ फट ऽऽऽ असो आवाज करून नातूक उडून गेलें.

आतां सूलूक कशे तरेन समजावचें, किदें सांगचे भाटकाराक कांयच येवजना जालें. भाटकारान सुलूल्या घराच्या आड्याचो आखाडो काडलो आनी तो घराच्या पयल्या सपणार पावलो. ताचें देंवलेलें खुमणें पळोवन सुलू भिलें. ताणें बेगिबेगीन घोवा विशीं एकार एक प्रश्न विचारपाक सुरवात केली. पूण भाटकार थप्प... तशें सुलू चडच भियेलें. घराक चावी कर आनी आपलेबराबर सकल यो अशें भाटकारान सांगलें. सुलून जेन्ना भंयान किदें जालां काय म्हणून विचारलें तेन्ना उचंबळून आयिल्लीं उतरां भाटकाराच्या मुखावटेन भायर पडलीं. ताणें मान सकल केली... 'तुज्या घोवाक देवान आपयलो. तो आमकां सोडून गेलो.' सुलूक एकदम आपल्याचेर मळब पडलेलेवरी जालें. तें ल्हान भुरग्यावरी रडूंक लागलें. आनी ताची काकळूट पळोवपी भाटकार दोळ्यांत दुकां हाडून परत एकदां 'यो' अशें म्हणून सुलूचो थरथरपी हात ताणें घट्ट धरलो. आनी ल्हवू ल्हवू... मठी देंवपाक लागलो. आपलेच चलयेवरी तो सुलूक समजायतालो. पूण आतां ताचो कांयच उपाय नासलो. एका सोबीत घरामुखावयली तुळसच करपून वचची तशी सुलूची दशा जाली.

सुलून धांवत वचून घोवाच्या देहाचेर घालून घेतलें. घोवाच्या फुटिल्ल्या माथ्यावेल्यान येतल्या रक्तांत ताका आपलीं सगलीं सपनां व्हांवन गेलीं अशें दिसलें.

बारा दीस जाले आनी सुलूच्याय जिवनाचे बारा दीस जायत आयले. घरांत एकलें रावप बरें न्हय म्हणून सुलूल्या सांगाताक रावूंक आयिल्ले ताचे आवयन सुलूक आपल्या घरा व्हेलें.... ताका कांयच उणें पडचें न्हय म्हणून दोळ्यांत तेल घालून जागरणां केलीं.

'सुलू, ए सुलू, जागें जा. अशें रडटा कित्याक ? किदें जाला तुजें ? सपनेवंक बी ना मुगो ? ए सुलू ऽऽऽऽऽ जागें जा.' आवयच्या उल्यांनी सुलू जागें जालें. तें खरेलेंच भिल्लें—सपनेल्लें... सपनांत तें आनीक गणू खंयतरी

पयस एक निर्मनुष्य जाग्यार फिरपाक गेल्लीं. थंयच एकां हळदुव्या सर्पान.... पायांक विळखो घालो.... सुलून किळांच मारून सोडली.... आवय गे !

दीस उजवाडलो तें पळोवन्न सुलून हांतूण कवळिलें. झिळमिळटा आसतनाच व्हाळार वचून येवपाक म्हणून.... दिसाचो समाज ताका हीन लेखता देखून.... काळखांत वचून येवचें हे तयारेन तें भायर सरलें. आखाड्याभायर आयलां जायत शेजान्नीली नदर दुस्त ताका रोखून पळयता तें दिसलें. शेजान्न सकाळीं फुडें आपल्याक फटफटीत कपाल पळोवचें पडले म्हणून नाक मुड्डीत घरांत गेली.

शेजान्नील्या चेडवाक सोयरीक आयिल्ली. उतर आयज मेळपाचें आसले. उतर किदें येत काय ? आज सकाळीफुडें रांड पळयली आनी किदें जातलें आतां ? आनी तिळसनां शेजान्नीन केल्लो गाळींचो शिंवर सुलूच्या कानार उसळ्ळो. पाड पडिल्लें खंयचें. कित्याक जियेता देव जाणा. जल्माक आयिल्लें तेन्नाच मेल्लें जाल्यार आमीय सुट्टलीं आसलीं.

शेजान्न उबी चुट्टी कशी पेटली.... वता थंय सुलूची गजाल ती पानाचो बटवो व्हरून पान जशें दुसऱ्यांक चाबडावपाक दितात तशेंच वायट गजाली उठोवन दिवपाक लागली. सुलूगेर रातचे दादले मनीस येतात आनी आपलो जावप्री जांवय ही रांड घोव करूंक पळयता.... हें आयकून ताका जीवच दिवया अशें दिसलें. ही रात कशी सारची तें, तें येवजूंक लागलें—गाळींच्या शिंवराक लागून.

तें अशेंच एक दीस तळ्यार गेल्लें. 'सुलू, वोगी कित्याक ? रागारशें कित्याक ? तूं म्हाका म्हजे भयणीसमान. तुज्यो भावना कोणी दुखयल्यात तें सांग म्हाका. तुजेखातीर हांव जायतें करपाक तयार आसां' कपडे उमळपी सुलून तकली वयर काडली आनी तें हासलें. प्रश्न विचारपी, सुलूचे शेजान्नीलो जावपी जांवय आसलो. शेजान्नीन त्याच वेळार ज्युस्त तांकां पळयल्लीं. ताकाच लागून चड्च तिणें व्हदळ सुलूची विटंबना केल्ली. गाळी ताच्या कानाचे पड्डे चिरीत गेल्यो. 'व्हाळार चेडी कपडे उमळूंक वचना तर लोकांच्या चेड्यांची वाट लावपाक वता. चेड्यांची सोयरीक मोडून सवाशीण जावंक सोदता, सुलूक रावं नजो जालें. ताणें कानांत बोटां घातलीं.

रातीं आवय ताचें म्हऱ्यांत येवन बसली. तिचीं दुकां सुलूक न्हाणोवंक

लागलीं. बाय, समाजान तुच्छ लेखलां थंय तूं आनी हांव कितें करतलीं ? देव आसा. भियेवं नाका, दुखाचो घोटें पयलीं गिळचो मागीर सुखाचो. आतां आमी लोकाल्यो उश्ण्यो गाळी आयकूनच दीस सारपाचे. देव आमकां संकटातल्यान वाटायतलोच.

'गे रांडे ? हांगा सकाळीफुडें किद्याक पावली गे ? वचत थंय नट्टा मगे. दुसरो जागो ना तुका. देवान जागो दवरला थंय तरी वचून खागे रांडेपणाचे भोग. पाडपडूं तुजें. सती तरी वचपाचें न्हय गे ?' फाटल्यान आयिल्ल्या कर्कश उतरांनीं सुलूची तंद्री भंगली. सुलून पळयलें, शेजान्न तोंडांतल्यान इंगळे ओंकताली.... तिचो तोंडाचो पट्टो चालूच आसलो.

'दळिद्रें खंयंचे. खंयी जीव दिवचो सोडून फुटकें कपाल घेवन हेडत रावता. सकाळीं फुडें तोंड पळयल्यार दीस केन्नाच बरो वचचो ना. आज ते दुसरे सोयरिकेक गेल्यात....'

'शेजान्नी हांव रांडूलच. तातूंत म्हाजी चूक किदें ?'

'तूं रांड जाली हीच पयली चूक तुजी'

'कितेंतरी तोंडा येता तें उलोवं नाका... तुजोय म्हज्यासारको घोव मेल्लो जाल्यार तुका कळटलें...'

'थुमेकाल. पाड पडिल्ल्या म्हजो घोव मरूं म्हण्टा. ताणें तुजो पोटलो खाला काय तुजें भाडें दिवंना ?... चल तूच आदीं मर. बूड उदकांत' शेजान्नीन जळफळत सुलूच्या बचकुलांक धरून ताका उदकांत शेवटून दिलें.... सुलू बुचकळ्यो खावंक लागलें. उदकातल्यान वयर येवपाक ताणें तकली वयर काडली.... शेजान्नीलें आक्रस्ताळें तोंड पळोवन तें तळाक गेलें... तें बरोच वेळ वयर येंवक ना.

शेजान्न भांबावली. तिच्या हातापायांक कडकडो भरलो. कशीबशी ती घराचे वटेन धावंक लागली.

☆

घुस्पल्ली जीण

दिसान दीस पिराय वाडत वताली. वाट पळोवन दोळे थकिल्ले. दिव्यासकयल काळोख फांकचो तशेंच सोबीत दोळ्यां भोंवतणी काळे वाटकुळे डाग आपलो जागो आडावंक सोदताली.घरांत चित्त लागनाशिल्लें. भायर सरपाची माणसुकी नाशिल्ली. सगले कडेन एकूच धुसपूस.

'हे घेडयेचें लग्न जातलें तरी केन्ना ?'

पारू मात हाचो विचार करनाशिल्लें. केन्नाय तरी आपलें लग्न जातलें आनी आपल्या फाटल्यो पांचूय भयणी लग्नाक मेकळ्यो जातल्यो म्हणपाचें तें जाणा आशिल्लें. पूण केन्ना ? ह्या ताज्या जाण्टाय तरणेपणांत कोण राजकुंवर येवन ताजो हात धरतलो आशिल्लो?

पारूच्यो आशा इल्ल्यो इल्ल्यो करून सामक्योच पालोवन वताल्यो. सगळ्या भयणीमदीं पारूच मात्शें वेगळें, सादें, रेक्त. दिसपाक एक नंबर. दोळ्यांत भरसारकें. ताच कूडय रेखीव आयज इतलें सुंदर जाल्यार सात–आठ वर्सा पयलीं.. पूण मागीर घोवावटेच्यान कांयच उतर येनाशिल्लें.

तशें घरांतलें सगळें काम पारूच परतालें. आयज तर कामाफुडें ताका बसपाक लेगीत फावलें ना. दोड घेवन तें हुमरो मात हुंपपाचे तयारेंत आशिल्लें, ताका फुडल्या दारांतल्यान हांसत हांसत येवपी रामबाब दिसलो. आयज

आनी खंय जोडूंक आयलो काय हो ? येवजितच पारून गोली भाणांत ओतली. परत बांयचेर गेलें. गोलयेक राजवाचो फांस घालो. आनी बांयत देंवयली बुडूक... बुडूक करून आवाज करीत गोली उदकान भरली. गोली घेवन तें आयलें. उदक सगळें भरून जालें. वतां वतां रामबाबालीं उतरां ताच्या कानार पडलीं.

'बाबू, सांगपाचें म्हटल्यार–न्हवरो तसो बरो. गोंयचो, चाळीस वर्सां नक्षत्र, हुंडो हाचो कांयच प्रश्न ना. फाल्यां ते हांगा पारूक पळोवपाक येतले. भाटांबेंसानय कांयच कमी ना, फुडलें सगळें मागीर थारावचें. तूं चड कांयच वोडून धरूं नाका. जाता जाल्यार, न्हय करच तूं. हां. सांगपाचें म्हळयार दुसऱ्यांपणचो तो. कालच आमगेर आयला.'

फुडलीं उलोवणीं आयकुपाक पारू थंय खंय आशिल्लें ? जेवणां जायनाबराबर तें बद्द भाटांतल्या लोजार गेलें.

'देवा पावरे सायबा हें तरी जमल्यार पुरो.'

वताचो कड सोंसना जावन पारू भितर येवन आड पडलें. ताका दोळो केन्ना लागलो. कळ्ळेंच ना. रोखडेंच तें सपनेवंकय लागलें.

सपनांत तो राजकुंवर आयलो. मात्सो पिरायेन जाणटो तरी पूण सुटसुटीत. पारू ताका पळयत उरलें. म्हण्टा म्हणसर ताणें पारूक हाताक धरून व्हेलें लेगीत. पारू ताका खूब लजलें. मुरगटलें. ताचे कुडिचें पोरसूं जावन तातुंतल्यान कितलीशींच फुलां हांसपाक लागलीं.

दुसऱ्या दिसा सांजचे ते आयले. पारूक पळोवपाक. न्हवऱ्याक व्हंकल मानली. तशें पारू आसलेंच पसंत पडपासारकें. तसो रायबारी रामबाब, न्हवऱ्याक, गणीक आदल्या दिसा म्हणटालोच.

'जाणा मरे गणी ? चली सामकें उजू हात. नाका दोळ्यान सुंदर. नदरेंत भरपासारकें. घर कामाक एकदम हुशार. ताका जर पळयलेबराबर तूं पसंत करिना जाल्यार म्हाका नांवच दुसरें दवर.' पूण पळयतां पळयतां आमकां मात विसरशी हां.'

आनी तो गालांतल्या गालांत हांसपाक लागलो. ताचें एकय उतर फट जालेंना. गणीन रायबऱ्याचे मद्यस्तेन बेगीनच लग्न थारायलें. व्हंकलेवटेच्यान तशी कांयच व्हडलीशी वासपूस जाली ना. थोड्याच दिसांभितर दारामुखार माटव नटलो, थटलो, आनी रितोय जालो. दीस

कशे सोंपले कांयच कळ्ळें ना.

लग्न जालें खरें पूण गणीक मात एक प्रश्न पडिल्लो. तारू इतलें सोबीत, हुशार आसून लेगीत इतलीं वर्सां आंकवार कशें उरलें ? म्हाका आयज तें इतलें मानवलें जाल्यार वयार आस्तना कोणाकच कशी ताचेकडेन लग्न जावपाची इत्सा जाली ना ? पळोवपाक काय कितेंय नोत दिसलें ना. मागीर अशें कशें ?

दुसऱ्याच दिसा पारू नवें घर, नवो संवसार थाटपाचे तयारेन मोगाच्या कशा मनशांक सोडून वचपाक भायर सरलें. फाटल्या भयणांक आपणें वाट करून दिली. तरीयपूण आपूण खंयच्या उज्यांत जावं उदकांत पावल घालतां हें ताका खबर नाशिल्लें. आपलें एकट्याचें लग्न जावप ना आनी ताची ख्यास्त सगळ्यांक भोगची पडची न्हय म्हणून आपले जिणेक कांट्यां खुंट्यांचो काय फुलांचो विळखो घालचो हें लेगीत ताणें केन्नाच चितलेंना. गणीचें घरदार, इस्टेट, मनशां कांयच जाणा जावन घेनासतना तें ताचे बराबर लग्न जालें. म्हैसूर शार आनी घर सोडून वतना ताच्या तोंडांतल्यान फक्त उस्वासच आयकुपाक आयले. आवयक वेंग मारून तें खूब रडलें. धडधडट्या काळजान एकलेंच त्या मनशाबराबर वचपाक भायर सरलें. आवयचोय नाईलाज जाल्लो. तें गेलें पूण वतना उलयल्लीं उतरां मात आवयच्या कानांत अजून घुमतालीं.

'आवय.. हांव म्हैसूर सोडून पयस ह्या अनोळखी मनशाबराबर वतां जर वांचून उरलें जाल्यार परत तुमचें तोंड पळोवपाक येतां नाजाल्यार...'

पारूचो संवसार टापटीप चलिल्लो. हरशीं घोव ताचेर खूब मोग करतालो. पूण सभावान खूब किटकिटो. सगळें कशें दिस्ता दिस्त जावपाक जाय. इस्टेट म्हणपा इतली नाशिल्ली. तरीयपूण पारूक फटयलेंच म्हटल्यार जाता. घरांत घोव एकलो आशिल्ल्या कारणान सगलें कशें चक्क. जरी कुळार पयस आसलें तरीपूण येतो–वेतो आशिल्लोच. एक भास सोडल्यार हरशीं कोणेंच ताका गोंयाभायलें म्हणून हिणसावंक ना. हातूनच पारूक पांच वर्सांभितर तीन भुरगींय जालीं.

भुरगीं वाडटालीं तसो तसो गणीचो सभाव इल्लो चडच किटकिटो जाल्लो. पारू बाबडें कोणाक म्हणून पळयतलें ? रानतलें, भुरग्यांक न्हाणयतलें, घरकाम करतलें काय, गणीची पुजा, न्हाण हाची तयारी

करतलें ? तातूंत ताची पुजा, सोवळें खुबूच खर. नुस्त्याचें बोडूक लेगीत कावळ्यान हाडून घरालागसार वडयल्यार थंय शेण सारोवप आनी ह्या भुरग्याफुडें तर ताका सोवळेपणांत समाधान अशें जायनाशिल्लें. सद्दां एक ना एक किरकीर आसतालीच.

असोच एक दीस तो देवाची पुजा करतालो. भुरगीं लागसरच खेळटालीं. धुडगूस कांडटालीं म्हटल्यार जाता. इतल्यान 'बाबा बाबा, म्हाका मनु मारता' म्हणून राजू येवन गणीचेर पडलो. जालें सगळी पुजा भश्टली. 'पाड पडूं तुमचें. पुजा करता म्हणून दिसना रे ? तुका तरी हांकां पळोवंक जायना गो ? खंयच्या मसणांतल्यान येवन आफुडलो देव जाणां. भायर यो गो तें'.

'कितें ? भुरगीं कितें करतात. खंय वतात हांव दीसभर कशें पळोवं? घरांत कामाचो रगाडो केन्ना सोपचना. ताचे फाटल्यान हीं फाटोफाट जाल्लीं भुरगीं. तुमचीं कामां कशें पळोवं हांव सगळें ? तुमचोय वांटो आसा ह्या कामांनी.'

'कितें ? म्हाका परती जाप करता ? जर हांव हें करपाचे लायकेचो आसां जाल्यार तुका लग्न करून हांगा हाडचों नाशिल्लों. हुंडो नक्षत्र कांयच पळयनास्तना हांवेन लग्न केलें. तें कितें भुरग्यांक पळोवपाक आनी रांदचेकुडींत मरपाक ?' गणी रागान वांवभर उसळ्ळो.

पारू वग्गी रावलें. आपलें काम आनी आपूण होच हालीं ताच्या जिविताचो उद्देश जाल्लो. पारूक दिसतालें. लग्न जालें, बरो घोव मेळ्ळो, भुरगींय जालीं. पूण सूख म्हण्टात तें केन्नाच ना. ताचें मन सदांच खंयतरी हेडत आसतालें. एकटें आसले म्हणटकच ताची नदर खंयतरी पयस कितें तरी शेणलां तें सोदपाक वताली.

आयज राजूक बरीच थंडी जाल्ली. शिंकांर शिंको आनी खोकलेन ताचो जीव अर्दो जाल्लो. थंडेची सुलूस लागिल्ल्याक आठ दीस जाल्ले. पारून झाडा पाल्याचें जायतें वखद कलें. पूण कांयच उपेग जालोना. ताका कुडकुडो भरलो. जोरान ताणें दोळें वरशे केले. दोतोरागेर व्हरतली म्हटल्यार दोतोर शारांत. घोवय पंदरा दीस घरा नाशिल्ल्या कारणान पारू एकलें वतलें तरी कशें ? बरें ह्या अनवळखी गांवांत सांगात तरी कोणाचो ? भुरगीं तशीं समजिकायेचीं आशिल्लीं. पूण पारूक वोगीच दुगदूग. आनी

हे परिस्थितींत पारून राजूक खांक्याक मारलो आनी उरिल्ल्या दोगांकय समजावन तें दोतोरागेर वचपाक भायर सरलें.

दोतोरान राजूक तपासलो; वखद बरोवन दिलें. तें हाडपाक राजूक बांकार बसोवन पारू फार्मासींत गेलें. वखद घेतलें आनी फाट मात परतिल्या. ताच्या दोळ्यांचेर ताचो विश्वासच बसना. ताचे दोळे एखादे फट पळयत. पूण मन फटींगपणां कशें करत ? हयं. ताची आवय आशिल्ली ती. काळी साडी. कुडीर फक्त हाडां. पूण हांगा कशी पावली ? गोंयांत कोणें हाडून सोडली तिका ? पारू पळयतच उरलें.

'पारू ? म्हाका वळखलें ना तूं ? रक्ताचें नातें विसरलें ? पयलीं कितले उमळशिकेन मेळटालें म्हाका. आतां तेच आवयक विसरलें ? गरीब जावं. दिसवड्यान आमी व्हड व्हड बिलडिंगो बांदल्यो. त्योच बिलडिंगो आमचें जिणें जंय थंय फाफडून गेल्यो. आयज ह्या जगांत कोणच ना म्हाका. एकलेंच आसां हांव. ही ऽ ऽ ती गांवांत बिलडींग बांदतात थंयच आमचो पंगड काम करता. स म्हयने रावलीं आमी.'

पारू आयकतच उरलें. अशें हिचें जालां तरी कितें ? ताणें विचारपाक म्हणून तोंड उगडपाक तिणेंच जावन तिचे जाल्ले भोग सांगपाक सुरवात केली.

'बाय, आमी पोटाक लागून अशींच दीसरात भोंवत आसतात. म्हजो घोव बिलडिंगो बांदपाचें काम करतालो एक दीस काम चालू आसताना स्लॅब पडलो. ताजे पोना म्हजो घोव. आतां एकलेंच आसां हांव. पोटाची खळी भरपाक हांगा थंय भोंवत आसां. सद्या ह्याच दोन वर्सांत गांवांत रावतां. मागीर खंय वचत देवाक खबर. तुजी खबर म्हाका मेळटालीच, पूण ह्याच दोन वर्सांत कांयच आयकलेंना.'

तिची दशा पळोवन पारूची मान सकल गेली. ताका कांयच उतर फुटना जालें. ' बरें गे येतां हांव. येतां केन्नाय तुका मेळपाक. राजू, म्हजो चलो, जोरान खतखतता ताकाच वखद हें. दोतोरागेर बसयला ताका. वतां हांव.'

'पारू एकलेंच वता ? नाका.. हांव येतां तुका पावपाक.' पारू वग्गी रावलें. ती पारूक पावपाक घरामेरेन आयली. पारूक तितलोच सांगात .

एक दीस तिणें पारूक आपली बुरशी वस्ती दाखयली. कसलें जिणें ती

जगताली ! रावपाक सुवात ना. पिवपाक उदक ना. सदांच झगडीं – झुजां चलतालीं पूण तिका थंयच खरो सर्ग दिसतालें. तिका तिची वस्ती, तिचो लोक व्हड आसलो. पारू अर्दवरच रावलें खरें, पूण ताची गांठ सामकीच विटली. नाका जल्म हो !

पारू आनी तिच्यो भेटीगांठी वाडतच वताल्यो. पारूच्या घोवाक हातूंतलें कांयच खबर नासलें. चोरून चलिल्लें हें सगळें. पूण कोमो धांपलो म्हण सकाळ जावंची रावता ?

एक दीस पारू मेळपाक गेलें आनी भुरग्यांकडच्यान घोवाक घरा येतकच हें कळ्ळें. ताणें तशी रुजवात कांयच केलिना. पूण ताच्या मनांत दुबावाची पाल चुकचुकलीच.

असोच एक दीस तो तिचे पाळटेर रावलो. पारू फाटोफाट तोय घरांतल्यान भायर सरलो. पारूक मात कांयच खबर नाशिल्लें. पारू ते खोंपटेकटेन गेलें. पळय जाल्यार भायर पांच पंचवीस लोकांची गर्दी. सगळीं जाणां कितेंतरी उलयतालीं. पारू तांकां धुकलून भितर गेलें. हांतुणार ती तळमळटाली. जाता ती पिडा सोंसना जावन किळचताली. पारूक कितें करचें कांयच कळना जालें.

‘आवय.... आवय कितें जाता तुका ? दोतोराक हाडूं ? आवयऽऽऽ ?’

‘पारू ? नाका ... दो... तोर म्हाका. हांव आतां बरें जावपाचें ना. म्हजी एकच इत्सा. ती पुरी कर. म्हाका एकदांच हातान उदक पाज आनी तिणें आंवडो गिळ्ळो.

पारून तिका उखल्ली. मान पांयांर दवरून ताणें कुलेरान तिका उदक घालपाक सुरवात केली. दोन घोंट पोटांत गेले. न्हय, ताळयांतच घुस्पून रावले. तिसरो घोंट वाळूंतल्यान झिरपुपाक लागलो. तिणें मान वडयली. आंग थंड पडलें.

पारून व्हडल्यान हामेर मारली. आवय... म्हणून कपल आपटून तें रडपाक लागलें.

भायर उबो आशिल्ल्या गणीक कितें जालें म्हणपाचें कांय कळ्ळेंना. तोय खोंपटेंत भितर सरलो, पारूक पळोवन ताका कितें जालें तें कांयच कळना जालें. ताणें ते बायलेचे दोळे हात वोडून बंद केले. लागसारचेंच पांगरूण काडून तिचे कुडीर घालें. पारूक हातान आदार दिवन उठयलें

आनी वोडीतच भायर घेवन आयलो.

'नाका म्हाका व्हरूं नाका. तिका सोडून हांव येवचें ना.'

'कोण ती तुजी ? एक रस्ताद बायल. चल पयलीं घरा. ना नातें ना गोतें. गेलें मरणाळें गावपाक.' गणीन पारूक उखलूनच व्हरपाची तयारी दाखयली. पारू कशेंच आयकपाक तयार नाशिल्लें.

'सांग म्हाका. कोण ती तुजी.' गणी पारूचेर तापलो. पारू मात्शें न्हिनळ्ळें. शांत जालें, वोग्गी उबें रावलें. सकल मना घालून.

'पारू ? कितें जालां ? कोण ती तुजी ? बाय सगळें सांग म्हाका.' गणीन पारूची खाडकी वयर काडीत म्हळें.

पारूच्यान घोवाचे नदरेक नदर दिवंक जालें ना. ताचे ओंठ फक्त पुटपुट्टाले. शब्द भायर फुटनाशिल्ले. अखेरेक उशणो धीर हाडून ताणें उलोवपाक सुरवात केली. ताचो गळो भरून आयलो. दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो झरी व्हांवताल्यो.

'सांगतां पूण म्हाका तूं मारचोना ना न्ही ?

' ना पारू तूं म्हजेंच. तुका केन्ना हांव एक़ सुबेज शब्द उलयलां ? सांग, सांग म्हाका.'

'तूं म्हाका सोडचो ना न्हय ? पारून भितभीत विचारलें.

'ना. ना गो.'

'म्हजे तकलेर हात दवरून सांग.'

'घे दवरलो'

'ती.. ती... म्हजी आ... वय.'

'कितें ? ती बायल ?'

'हय तीच ती''

पारू गंभीर जालें.

'तुजें कन्यादान केल्लें ती कोण तर ? यजमानपणाक बशिल्लें तें जाडपें कोणाचें ? आवय बापूय म्हणूनच तांणी तुजें कन्यादान केलां न्हय ?' गणीन पारूक प्रस्नार प्रस्न विचारपाक सुरवात केली.

'ना. कन्यादान केल्ली ती म्हजी आवय न्हय. ती मानिल्ली. खरी आवय ही', ताणें मान वयर काडली आनी अभिमानान म्हटलें.

'मुस्लीम ती. कन्यादान केल्लें तो बापूय' पारू खंयतरी पयस पळयत

दुकां गळयत उलयत रावलें. गणी आयकतच उरलो.

'म्हजी आवय वयार आयिल्ली तेन्ना एके शाळेंत मदतनीस म्हणून काम करताली. तें शाळेंत म्हजो बापूय मास्तर आशिल्लो. थंयच म्हजे आवयचें पावल चुकलें,' पारू उलयतां उलयतां आडखळटालें. हुंदकेतालें.

'म्हजे आवयक दीस गेले. गांवाक हें.....' आनी ताणें आंवडो गिळ्ळो ताणें गणीक पळयलो. गणीचे दोळे खुणेनच ताका फुडें उलोवपाक धीर दिताले.

हें कळना बराबर लोकांनी, म्हज्या बापायक तिचेबराबर लग्न जावपाक फोर्सार केलें. पूण एक हिंदू आनी मुस्लीम. ही म्हजी खरी आवय. म्हजी जीण एकोडी ना. ती जळींमळीं घुस्पल्या. तुका आयज हांवेन सगळें सांगलें. उपकार कर. म्हाका जात ना म्हणून एकलें मात सोडून वचूं नाका ' आनी ताणें गणीच्या पांयांर घालून घेतलें. ताका रडें आवरना जालें.

गणीक पडिल्लें कुवाडें सुटलें. तिचें लग्न कित्याक जायनाशिल्लें तें कळ्ळें. तिचे सोबीतकायेक घडोवपी कलाकाराची वळख जाली. तिचे घुस्पल्ले जिणेचो अर्थ कळ्ळो. गणीन पारूक वयर उखल्लें. आनीं वेंगांत घेत म्हळें.

'ना.. ना, पारू, तुका हांव म्हाका सोडून खंयच पयस वचपाक दिवचो ना. तुका हावें अर्धांगिनी मानल्या ती जीणभर साथ दिवपाक. तुका हांव समजतां पारू. तुजें दूख तेंच म्हजेंय दूख. जात कसलीय जाली म्हणून म्हजें पारू दुसरें जावं येता ? चल घरा या आमी. तुज्या घरा.' आनी ताणें पारूचो हात धरून ताका वोडलें.

पारून खोंपटेक फाट करून घरची वाट चलपाक सुरवात केली.

☆

चूड दाखोवन म्हारू... !

गण्यामामाक आयज हो दुरीग बांदून आपलो जागो आडावपाकच जाय आशिल्लो. तो फातर ताका मानवलो... काळोकिट्ट.... मोट्या बुराकांचो, ताका एके तरेचें तेज मारतालें. त्या फातरार आशिल्ल्या त्या गोमट्या वोंवळी रुखान ताका आपल्या पाळांनी घट्ट धरिल्लो. ह्या फातराचे कशे कपचे काडप हें येवजितच गण्यामामान राघुक उलो मारलो.

'राघू, हांगा यो.... पळय उजू वटेन सुरवात कर आनी असोच हांगा सोंपय.... पळय तिरपे कपचे काड... बसकेचो फातर फावो तसो जमतलो... कशें जाता तशें कर'... गण्यामामान मानांयाक फर्मान सोडलें.

'राघु... राघु... राव. त्या फातरार घण घालूं नाका... म्हारवाचो तो'... पंगडांतलो मानाय आड्डलो.

'म्हारवाचो फातर फोडप ?' दुसऱ्यान विचारलें.

'आरे... तुमी ह्या विसाव्या शतकांत लेगीत म्हारू मानतात? कितें रे... म्हारू बी कांय ना... फोड रे तूं'... गण्यामामान म्हळें...

'ना धनया, हो फातर फोडप आमचें काम न्हय... हें

पातक... उपाशीं रावन पूण हें काम आमकां जमपाचें ना'... मानांयान सांगलें.

'तर्शे जाल्यार आनीक कांम ना... चलूंक लागात'...

वतात तर आमी'... मानांय फाटीं सरले...

'सरळ सांगात रे आमी करिना म्हणून. म्हारवाचें निमित्त कित्याक ?... तुमकां दिसता जायत, कुळागराक शीम उरची न्हय आनी जागो तुमकां मेळचो म्हणून. तुमकांच कामां येतात ? मारतां भिसक्यार तुमच्या... हाड तो घण... हांव पळयतां म्हारू काय कोण तो'... गण्यामामान घणान त्या फातरार घाव घालपाक सुरवात केली... मानांय पळयत उरले... बरोच़ वेळ जालो पूण घणाचे घाव फातराक एक लेगीत चीर घालूंक पावले नात...

'धनया ! हांव नाक नाशिल्लेवरी परत एकदां सांगतां. हांगचें देवस्पण निबर... हो म्हारू गांवची राखण करता... जर म्हारवाक दुखयलो जाल्यार बादता तो'... जाण्टेलो मोनो उलयलो.

'खंयरे तो म्हारू ? हावें इतले घणाचे घाव घाले तरीय भायर कित्याक येना तर तो ? म्हज्या गळ्यांत जानवें आसा... तोंडांत गायत्री मंत्राचो जप आसा... हांव देहान पवित्र आसां. तो कितें ह्या म्हारवाक भिंयेवपाक ? वोगीच देवान भट केलोना म्हाका'... गण्यामामान रागान आनीक दोन घण घाले.

'ना धनया, म्हारवाक हें कर्शेच मानचें ना. दर अमाशेक म्हारू आपली भोंवडी सोंपोवन ह्या फातरार उसरपत घेवंक बसता... जाण्टेले मानतात ह्या फातराक... तो फातर तुमी फोडटात ! एका ल्हानश्या आड्याखातीर ?... हो फातर हांगा कोणाकच तोपचोना. पूण काडलो जाल्यार मात... विचार कर'... मोन्यान धनयाक समजावपाचो यत्न केलो.

'आतां मात गण्यामामाक राग आयलो... पाड पडूं रे... तुमचें आनी त्या म्हारवाचें. पुरो तुमचो ताचेवेलो मोग. तुमचीं गवेतां म्हारू येता भरूंक ! वचत थंय पिडा ह्या म्हारवांची... खंय पिंपळ दिसलो ताचेर बस... खंय वोंवळ दिसली थंय फतकल मार... वचत थंय हांचें राज्य... हांकां मरण कशें ना काय म्हण्टां !'... गण्यामामा वतल्या मानांयांक

पळयत उलयलो.

फातर फुटना जावन गण्यामामाचे हात सोलपले. घण त्या फातरार आपटून गाळी वालीत तो घरा वचपाक आयलो. तिळसान जायत आयिल्ली... पाण्ट्यार वचून हात्पांय धुता म्हणसर झिळमिळटें जालें... घरंची वाट सदचीच आशिल्ली. सगळे कडेन किण्ण जालें.... लागच्याच झाडार कावळो केंकाटलो... वेल्यान एक सुकी बडी गण्यामामाचे तकलेक घश्टून सकल पडली.... ठप्प.... करून आवाज जालो.... माकडांनी कलकलाट केलो... गण्यामामाच्या आंगार सरर्र करून कांटो फुललो... येदो व्हडलो मर्द तो. ताका भंय केन्ना दिसूंकच ना. पूण हो खीण तो मातसो कांचवेलो.... दोन पावलां चल्ला इतल्यांन दोन हात लाम घब्ब करून आवाज जालो. लागीं गेल्यार एक फातर.

'तिळसन्याची कोणा पिंडा मारते ? कोण म्हाजेर फातर मारतो ?'... ताणें चारय दिकांनी पळयलें... पूण काळोख.

परत ताणें चलपाक सुरवात केली. पूण फातर मारलो कोणें ? येवजिता आसतनाच आनीक एक फातर फाटीक घश्टून गेलो. एका हातान फाट सांसपीत ताणें तोंडाचो पटो सुरवात केलो...

'कोण रे तो ? असो म्हजेंफुडे यो रे... आपूण दुसऱ्याची जागा पडींग उरून कशी खावपाक मेळटा तें पळोवप. तुमच्यांनी कामां जायनात... काम केलें जाल्यार दोळे फुट्टात तुमचे... आमची नसाय जाता तुमकां...' अशें बडबडत गण्यामामान पांच मिनटांची वाट उतरली.

परत घब्ब... घब्ब करून ताच्या मुखार चार पांच फातर पडले... आतां मात तो भिलो... भंयान तो घामसाणलो. घरा येवन ताणें वण्टीक तेंकून फतकल मारलें... लागींच बायल सोर गुंथताली. घोवाक पळोवन तीय दुबावली.

'अशें काय करतात तुमी ? काय जालांय तुमां ? देवा पाव रे मज...' तिणें उदक हाडलें... ताका पाजलें... ताची तकली उखलून धरली... तो सामको कडकडटालो.

गण्यामामा कितेंतरी सांगूंक सोदतालो. पूण उतर स्पश्ट जाय

नाशिल्लें...

'कोण ?... कोण रे तो ? फा... तर शेंव... टिता ?'

'कोठें कोण ? तुमी घरी हाय न्हवें ? ही बघा मी... दोळे उघडा बघुंया... बायलेन ताका हालयत म्हळें.'

'मीं घरी हाय ! खरेंच ? मग म्हाजेर फातर कोणें मारले ? ते मानाय म्हाजेर येतना फातर शेंवटव्या लागले. आतां कोठें ते ?'

बायलेन गण्यामामाचें आंग तेळ्ळें फातर ? पण फातर जर मानांयांनी मारल्याय जाल्यार आंगार दुखापत नाय कशी ?

'मानांय बी कोण नाय... माकड असणां ते. वाटेवल्ले आमुल्लेचीं घोटां हाय न्हवे... व्होते असणां तिचेर घोसळ घालीत... जेवा अणी स्वस्त न्हिजा आतां... वाट्टे मीं... पेजीची कुयां बरी सरसरीत हाय...' अशें म्हणत तिणें आपल्या आदारान गण्यामामाक रांदचेकुडींत व्हेलो.

जेवतना ताणें सगलो फाक्त बायलेक सांगपाक सुरवात केली... 'जाणे मगो... आमच्या आगारांत ती वोंवळ हाय तेथेंच एक फातर हाय. तेथे मी आज काम करव्या गेल्लों... ती फातर फोडव्या कोणच तयार नाय म्हणून मीच ते फातरीर घणाचे घाव घातले. पण अजाप म्हणजे त्या फातरी एक सुध्दा चीर गेली नाय... शेवटीं मी घण तेथेंच आपटिला अणी पाणट्यार गेलों. मानायांची अणी म्हाजी बाचाबाची जाल्ली... ते घरीं गेल्ले. हातपांय धुवन मी घरी मात येव्या लागलांय... त्या दुश्टांनी म्हाजेर फातर मारया सुरवात केली... फुडें येवन झगडव्या काळीज नांय त्यांस म्हणून फाटल्यान काळखां काम करता ते...'

घब्ब... घब्ब... आवाज जालो.

'बघ... बघ... अजूनय म्हाजी फाट कशेच सोडीत नाय...' आतां मात गण्यामामा गळसणलो.

'कोठें ? हें बघा कोमल तें... माजर... फळ्यार उडी माल्ली त्याणें. चला न्हिजा आतां... मनांत तेंच घोळोलें जाल्यार भंय वाडणा तुमचा... देवा पाव रे सायबा...'

रातचें जेवण जेवन तीं न्हिदलीं... भायर गुपाट काळोख जाल्लो...

लागींच न्हिदिल्ली बायल आनी चलो, वसंत सुस्त न्हिदल्यांत म्हणपाचें तांच्या सुसकाऱ्यांवेल्यान गण्यामामान ताडलें... व्होदळ जाल्या नकलाम्यांक लागून ताका कशीच न्हीद येनाशिल्लो.

खट... खट... सरक... सरक...

'ऊठ... ऊठ... आयक तो आवाज... ऊठ...'

'कोण ? कोण ?...' बायलेन बेजारत म्हळें...

'ऱ्हा बघतो मी. पागेलांत कोण तरी हाय. उश्ण्या धिरान ताणें बायलेचो हात धरलो. तीं दोघांय जनेलाकडेन पावलीं... ताणें दोळे फोडीत भायर पळयलें... अमासेच्या काळखांत लेगीत ताका हय न्हयशें दिसलें... काळेंच... ताचे दोळे लिकलिकताले. पांय हालताले... ताच्या हातांत दोन बडयोय आशिल्ल्यो... इतलें म्हणसर बायलेन लायट पेटयली... पळय जाल्यार एक बैल उबो रावन आपलीं शिगां खाजवतात म्हणून लांकडी पनेळार घांसतालो... ताचोच आवाज तो...

'बघा. भ्रम तो तुमचा... न्हिजा बघुया स्वस्त... देवा दिवा लावन येते मी.' वात लावन दोघांय न्हिदलीं.

गड... गड... घबांयच्च...

अर्दकुटे न्हिदेंतच गण्यामामान किळांच मारली... ताचो आवरो उडलो... बायल जागी जाली... लायट पेटयली. गण्यामामा हांतुणार कडकडटालो.

'बग... बग... आतां खरेंच कोणें फातर मारले....'

'कोण ? कोण रे तो ?' बायलेन व्हडल्यान विचारलें.

जापच ना... तिणें उदक हाडलें... गण्यामामाच्या दोळ्यांक लायलें. पिवपाकय दिलें. तिणें एक व्हड सुस्कारो सोडलो.

कोण फातर मारता ? कशे मारता ? आनी आवाज कसो येता ? हें एक कोडेंच आशिल्लें... कोण फातर मारता तें पळोवपाक तीं जागींच रावलीं...

ठप्प ... ठप्प... म्हऱ्यांत पळय जाल्यार दोन काळेकिट्ट फ़ातर. नळे फुटनाशिल्ले पूण फातर पडटाले... खचीतच हे फातर वेगळे आसात म्हणपाचें बायलेन ताडलें... अर्द मिनीट सुमार अशेंच घडत रावलें... मागीर मात सगळें शांत जालें....

रातची नकलामी दोगांच्याय दोळ्यामुखार आसली... बायलेन ते फातर पुनोवन धडे सकल शेंवटिलें...

गण्यामामा उठून भायर आयलो. आखाडो हुंपला मात म्हऱ्यांत दोन–तीन फातर....

'हां... पळयतां आतां कोण तो ? असो फुडें यो रे'... ताणें हातांतलो तांबयो जमनीर आपटिलो... त्या काळ्याकिट्ट फातरांचेर अभिशेक जालो. ताका कोणच दिसलो ना. फातर मारले कोणें ? कोणाचें कुबांड काय ? तो फाटीं परतलो...

वोल्या पंचांत बायल सोपणां चडटाली. पाटावेलीं दासवंदां काडून तिणें पिचकोळ्यार दवरीत म्हळें :

'देवाचे पुजे चला अणी चूक मागा'... अशें म्हणत सपणां चडून गेली लेगीत ती...

गंद पुजेचें ताट, शिरण्यांचो नेवेद घेवन गण्यामामा शिमेवेले घुमटेचे पुजेक वचपाक भायर सरलो...

घुमटे म्हऱ्यांत पावपाक थोडीच वाट उरिल्ली... इतल्यांत एक फातर येवन ताटार पडलो... सामान जमनी भरवण जालें... दुसरो फातर कमंडलूचेर पडून उदकय सांडलें... तो भिलो... ताणें धांवत येवन घुमटेक न्हिदून पांयां पडपांक सुरवात केली...

'देवा, म्हाका वांचय... पुजा बांदतां तुजी. अशो नकलाम्यो मात म्हाका जावं नाका... चूक जाल्या जाल्यार माफ कर म्हाका ..'

चूक मागून तो घरा परतलो. दीस असोच सोंपलो... आजय परत फातर पडत म्हणून ताणें माळयेसकल बाज्जेर मांद्री घाली... त्या दिसा कांयच जालें ना.

दुसऱ्या दिसा मात माळये सकलय फातर पडपाक लागले. तो बाज्जेपोंदा गेलो. पूण कांयच उपेग जालो ना... फातर पडत रावले... ताकाय ती संवयच जाल्ली.

अशेंच एके रातीं ताच्या सपनांत एक दादलो दिगंबरावरी नाचपाक लागलो.... ताणें गण्यामामाक सांगलें...

तुवें म्हजे बसकेर घणाचे घाव घातल्यात ... भोग आतां कर्माचीं फळां... पळयतां तुजो वंश कसो तिगता तो... तो नाच जालो...

अशेच पंदरा दीस गेले... गण्यामामाच घरा आसताना फातर पडटाले. देव–देवस्पण जालें... शेवट तो चूक मागपाक म्हारवा म्हऱ्यांत गेलो.

'देवा, चुकलों हांव... माफ कर म्हाका. तुज्या ह्या जाग्यांत असलो पापी मनीस फावना. देवा, तुजी पुजा म्हज्या वसंताकच करपाक लायतां. हांव ह्या जाग्यार लेगीत येना' ... गण्यामामा थंच्यान घरा आयलो... ताणें आपली साटली पोटली बांदली... वसंताक उलो केलो.

'वसंत, मी काशीयात्रे जातो. ह्या म्हारवाचे बसकेची पुजा कर अणी तुमीं सुखान ऱ्हाया... येतो मीं....'

काशीयात्रेक गेल्लो गण्यामाम परतलोच ना... वसंत नेमान त्या फातरार एक गंदफूल वडयतालो. पूण त्या म्हारवाचेर ताचो विश्वासच नाशिल्लो. इतलीं वर्सां कोणें पुजा केलीच ना. हावेंच कित्याक करपाक जाय ? अशे विचार लेगीत पुजा करून येतकच ताच्या मनांत येताले.

अशेच चार म्हयने गेले. वसंत आत्र्यापयऱ्यान पुजा करतालो आतां तीय बंद जाली. ताका दिसलें बापायन घण घालून जागो केल्लो म्हारू आतां निवळ्ळो जातलो...

रांदचेकुडींतल्यान आवयन वसंताक उलो मारलो...

'ओ वसंता... न्हात नाय रे ! न्हा अणी पुजे चल...'

'कोठें गे ! त्या फातारची पुजा क[illegible] गेला तो म्हारू मी कितके दिवस जाले पुजा केलीच नाय त्याची... कोठें काय जालांय ?'... ताणें ही... ही... करून हांसपाक सुरवात केली....

सांज जाली. भायर पावस पिरपिरतालो.... दारांत सोंप्यार वसंत बसलेलो. थंच्यान ताका गोठ्याकडलीं गायरी भोंवतणीं फुललेली शब्दुलीं हांसतालीं... एकदम एक कोगूळ आयली आनी घोसाळेचीं हळडुवींच फुलां कांयच न्ही अशें म्हणत कचकच करून शेपटी हालयली आनी उडून गेली. कुंवाळेवेले पैंगीळ एके वळींत चलताले. वोगीच वसंताक तांची घाण आयिल्लेवरी जाली, तो थंच्यान उठलो... कपडे करून बाजाराक वचपाक

भायर सरलो.... पाण्ट्याकडचो आखाडो हुंपला मात ताचेर एकदम कसली तरी सावळी पडिल्लेवरी जाली... ताचें आंग थरथरलें. ताची सगली आंगांतली शक्त कोणेंतरी ओडून काडिल्लेवरी दिसली... ताका कांयच येवजना जालें... तो घरा धांवत सुटलो....

घरांत भितर सरनाबराबर ताणें धार धांपलें. तो बुद्द वचून जमनीर पडलो. आवयन ताका सुद्दीर हाडलो.

'आई... आई... मज काय होर्ते... मी जातों ... मज तो बलावतो... बघ हात दाखोवन बलावतो... मी जातो...' वसंतान सगळें बळगें एक करून नेटान दार उगडलें आनी भायर घालून घेतलें.....

पावस भुंयेक झोडपितालो... वाऱ्यान तर झाडांक पिळूनच काडपाक सुरवात केल्ली... वसंत झडपत वोंवळीपोंदा गेलो... ताणें वोंवळींक वेंग मारली....

कड... कड... घो ऽ ऽ ऽ... वोंवळी झाड जमनीभरवण जालें...

'देवा, काय जालें हें ?'.... अशें म्हणत धांवत येवपी आवयन फातरीर कपल आपटून आलेंट्यो मारपाक सुरवात केली...'

☆

उबंत आवय

वयनीन तुळशीकडेन निरांजन पेटोवन दवरलें. तुळशीचे पांच भोंवताडे काडले. ओणव घालून पांयां पडली. घरांत येवपाक परतली. घराचे पावळे भायर कोणतरी एके बायलेन येवन बसकण मारली. म्हऱ्यांत चार काचींबुचीं. एकटें होटयेंत... वयनीचीं पावलां तिचे म्हऱ्यांत पावतकच थामलीं. वयनी तिका लागशिल्ल्यान पळोवपाक लागली. काकळुतेन भरिल्ली नदर.... फटफटीत कपल.... चेहरो कश्टी... तिचे म्हऱ्यांत एक भुरगो. माथ्यार गाठोडें. वयनी आपल्याकच पळयता देखून ती मातशी भिंतीक तेंकून बसली. मळबांत कुपां भरचीं तशे तिचे दोळे दुकांनी भरले.

'कोण तूं ?'

वयनीचो प्रश्न.

'हांव गोकळें. वळखना ?'

गोकळ्याची जाप...

'कोण जाय तुका ?'

'म्हाका आलाशिरो जाय.'

'कित्याक ?'

'म्हाका भाटकारान भायर घातल्या..'

'खंय रावता तूं ?.....'

'पलतडीन...'

उदक आडावपाखातीर घातिल्लो बांद फुटचो तशें तिका रडें फुटलें. मांडयेवेल्या भुरग्याक तिणें छातयेकडेन आंवुळ्ळें. दोनय हात जोडले.

'वयनी... म्हाका आयचे रातीपुरतो भितोडेक आलाशिरो दी... उजवाडनाफुडें हांव वतां...'

वयनी येवजीत रावली...

गोकळ्याक दिसलें, ना म्हणची ना मूं? व्हड उमळशिकेन तिणें वयनीचो चेहरो नियाळ्ळो.

'वयनी... ना म्हणूं नाका.. रातचें ह्या भुरग्यांक घेवन खंय वचूं ? भाटकारान अशें करपाचें न्हय ...'

'तें आसूं.... मागीर उलोवया.. आयची रात हांगा पडवेर राव तूं ...'

गोकळ्यान आयची रात आलाशिरो मेळ्ळो देखून व्हड सुस्कारो सोडलो. दोळे पुसले. वयनी भितर गेली.

'आवो ऽऽ भूक...'

गोकळ्याच्या चेडव्यान भूक सोंसना जावन म्हटलें.

'आवोऽऽ खांवच्यान दी '

दुसऱ्यान भेंकरो सोडलो. वयनी भायर आयली.

'गोकळ्या... हांव पेजेक दवरतां..'

'वयनी, म्हजेकडेन थोडे तांदूळ आसात तेच शिजोवन वाड आमकां...'

'आसूं.. दवर ते... फाल्यां उपकारतले तुका... आयज आमचे घरचीच पेज जेवात तुमी ...'

'आमकां लागून तुका तरास...'

गोकळ्यान उपकारी नदरेन वयनीक पळयत म्हटलें. सकाळच्यान पोरांच्या पोटांत गोटो वचूंक नाशिल्लो. पेज खंयची, ह्या वेळार निवोळ लेगीत तिच्या भुरग्यांक दिल्यार जाय आशिल्लो.

वयनी पेजेक दवरून गोकळ्याच्या म्हऱ्यांत येवन बसली.

'गोकळ्या, भाटकारान अशें कित्याक केलें...'

वयनीचो प्रस्न.

'भुरग्यांचो बापूय पोरूं दुखण्यान हांतरुणार पडलो. भाटकाराक शेताचो सगलो खंड पावोवप जमलेंना. बाकी उरली...'

गोकळ्यान एक व्हड हुंडको गिळ्ळो. पेजेक बुडकुलो रांदनीर

खतखततालो... गोकळ्याची नदर थंयच थिरावल्ली... कांय खीण दोगांय वोगीच...

'गोकळ्या म्हाका सांग तूं.. परकी मानूं नाका ..'

'थोड्याच दिसांभितर घरकार आमकां सोडून गेलो...'

पदराच्या पोंतान तिणें दोळे पुसले.

'भाटकारान तुका किद्याक भायर घातली ?'

'अंदूंय सगलो खंड घालप जमलेंना.. बाकी उरली. भातच पिकलें ना जाल्यार खंयचें घालतलीं गे ?'

गोकळें उलोवपाची थामली.

'मागीर?'

'भाटकारान म्हटलें बाकी पांच दिसांभितर पावयना जाल्यार घरांतल्यान भायर सर...'

'तुका भाटकारानच भायर घातली तर ?'

'हय.. खोंप मोडली... सामान भिरकोटोवन उडयलें...'

गोकळें न्हिन्नळत सगलें वयनीक सांगताली. रांदनींतल्यान येवपी धुंवर सगल्याक पातळ्ळो. वयनीन दोळे पुसले. तिचेफुडें वयनीचें मन ल्हान जालें. वयनी उठून रांदनींत लाकडां सारपाक भितर गेली.

हेवटे तेवटेच्यो गजाली करता म्हणसर पेज शिजली..

'गोकळ्या ? भुरग्यांक लायता मगो ? पोरसांत पोंवल्यो आसात त्यो हाड. बिरयो करपाक..'

वयनीचीं उतरां आयकून भुरग्यांचीं तोडां मातशीं टवटवीत जालीं.

'वयनी.. उजवाडाक कितेंय दी...'

वयनीन पेत्रोलाचो दिवो आनी कोयतूल दिलें...

गोकळ्यान बऱ्योशो पांच पोंवल्यो हाडल्यो, बिरयो केल्यो. वयनीन पेजेचो तोप तांकां वाडपाक भायर हाडलो.

'वयनी.. पेज मातशी पातळ कर...'

'कित्याक गे ?'

'आमकां ती पावचिना.. सकाळच्यान पोरां उपाशीं आसात.. थोडें उदक घाल...'

वयनीन तापलेल्या उदकाचें तपलें हाडलें. पेजेंत उदक वोतून ती देडपट

वाडयली.

'गोकळ्या धाकट्याक चार कुयां लाय मगो...'

'हां.. लायतां..'

गोकळ्यान धाकट्या भुरग्याक कुयां लायलीं. गोकळें आनी तिचीं भुरगीं बिरयो पुसून पेज पियेलीं. म्हऱ्यांतल्या गाठोड्यांतल्यो पिनकऱ्यो चार गोदड्यो आनी कपयाळें गोकळ्यान जमनीर घालें. पांचय भुरग्यांक एकामेकांक तेंकून गच्च न्हिदयलीं.. उशट्याचेर शेणाचो लोळो भोंवडायलो.

'गोकळ्या, पेत्रोला दिवो आनी फस्क दिवं गो ?'

'नाका वयनी..'

वयनी भितर गेली. चार उंडयो कशोबशो पोटांत धुकलल्यो. भायर येवन हुंबरार उबी रावली..

'गोकळ्या ? तूं न्हिदना ?..'

वयनीन गोकळ्याक विचारलें. गोकळ्यान इल्लेंशें तोंड करत वयनीक म्हटलें..

'वयनी.. आमचेखातीर तुका तरास..'

'त्रास कसले ?'

'वयनी तूं आमकां देवा भशेन पावली..'

'गोकळ्या, आतां न्हीद पळोवया..'

'न्हीद ?म्हाका ? आयची रात कशीय सोंपतली. फाल्यां कितें ?'

'फाल्यां ? कितें जातलें तर?'

'फाल्या खंय वतलीं ? कोणय तुजे सारकी देवता मेळ्ळयार उपकार जातले.. काम करून खंयय पोट भरीन हांव.. पोरांक लागून एक खोंप तरी जाय...'

गोकळ्याच्या दोळ्यांमुखार एक व्हड प्रस्न चिन्न..

गोकळ्या फायचें चिंतूं नाका... आतां न्हीद पळोवया... फाल्यां उदेवपाक आजून कळाव आसा..'

'वयनी ? तुमचो खूब जागो आसा.. म्हाका खोंप काडपाक वेंतभर जागो दिशी ?'

वयनीच्या तोंडाक तिणें आशेन पळयलें. गोकळ्याच्या प्रश्नान वयनी मातशी घुस्पली..

'आयची रात राव तूं.. फाल्यां पळोवया....'

वयनी फट्ट करून उठून भितर गेली. शेंदरी जमनीर पातळायली. दिवे पालयले. जमनीक फाट तेंकयली. भायल्या गोकळ्याच्यो व्यथा तिच्या दोळ्यांच्यो पातयो लागपाक दिना जाल्यो. ती येवजुपाक लागली. गोकळें इतल्या भुरग्यांक घेवन खंय वतलें ? कितें करतलें ? कोण तांकां वाडटलो? तिका हांगाच राव म्हटल्यार कशें जातलें.... कामाक उपकारतलीच.. भुरग्यांचोय वावराक आदार जातलो. येवजितां येवजितां वयनीचो दोळो लागलो..

सकाळ जाली. गोकळ्याचे जागेन वयनी जागी जाली. भायर आयली. हुमऱ्यार उबी रावन गोकळ्याक पळयत रावली. गोकळें उठून उबी रावली. वयनी राव म्हण्टा काय हे आशेन.. कालचे रातीं काळखांत लिपिल्ल्यो गोकळ्याच्या तोंडावयल्यो व्यथा आतां वयनीक स्पश्ट दिसपाक लागल्यो..

थोडो वेळ वाट पळोवन गोकळ्यान म्हटलें..

'वयनी .. वयतात आमी..'

गोकळ्याचो गळो भरून आयलो. तिणें धाकट्या चेड्याक हांडीर मारलो वयनी हुमऱ्याचें सपण देंवून सकल आयली.

'गोकळ्या तूं आयचो दीस आमगेर राव.. हांव तुका आमच्याच कुळागरांत खोंप बांदून दितां..'

वयनीन हांसत्या मुखान गोकळ्याक दोळ्यांनीच धीर दीत म्हटलें.

'देव तुजें बरें करूं..'

गोकळ्यान हांडीवेल्या चेड्याक जमनीर दवरलो. वयनीक पांयां पडली. गोकळ्याच्या कपलावेल्यो सुरकुत्यो एका खिणांत नाच्च जाल्यो.

दुसऱ्याच दिसा वयनीन गोकळ्याखातीर खोंप उबी केली. गोकळ्याक वयनीन कामां सांगलीं तीं पटापट जावंक लागलीं..

गोकळें वयनीच्या कुळागरांत वावर करताली. गोकळ्याचो व्हडलो चेडोय खणणी मारपाक, माग काडपाक, बेणोणी काडपाक हात-बोट लायतालो. गोकळें वयनीचे कपडे, आयदनां धुवपाक सदांच येवपाक लागली.

आयज आयदनां घांसतां-घांसतां गोकळ्यान वयनीक म्हटलें..

'वयनी.. दनपारच्या शिताचो निवळ तूं गोरवांक दवरूं नाका.. आमकां

दी ...'

गोकळ्याचीं उतरां आयकून वयनीचें काळीज चुरचुरलें..

'दवरतां.. मागीर चेड्याक धाड..'

गोकळें सदांच दनपारची येवन निवळ व्हरपाक लागली. रातचें जावं दनपारचें कितेंय जेवण उरलें जाल्यार वयनी तिकाच दिताली. ती जेवण घेवन वतना वयनीक उपकारी नदरेन पळयताली.

गोकळें वयनीच्या घरांत आपूण जावन वावुरपाक लागली. वयनीन सांगनास्तनाच गोठो नितळ करताली.. पोरसूं बेणटाली.. गोरवांक सांबाळटाली.. झिळमिट्यार कल्लें घेवन कुळागरांत शिंपपाकय वचपाक फाटीं रावली ना.. गोकळें गोरवांक खंयच्यानतरी हरवण सोदून हाडून घालताली. तांची अपुरबाय करताली. एक दोन नुस्त्याचीं बोडकां कावळ्याची नदर चुकोवन हाडून माजराक घालताली.. तिचो सगल्यांचेर मोग जडलो. तिच्या आवजाचो सगल्यांक सराव जालो..

दीस गेले तशी गोकळ्याचीं भुरगीं दांगा—पांगांनी वाडलीं. गोकळ्यान व्हडल्या चेड्याचें आनी दोगां चेडवांचीं लग्नाय केलीं. लग्न करनाबराबर चेडो वेगळो रावपाक लागलो. थोड्या तेंपान दुसरो चेडो एका चेडवाचो हात धरून खंयतरी गडप जालो. तिसऱ्याक सोऱ्याचें व्यसन जडलें... तिगांभितरल्या एकाय चेड्यान गोकळ्याक कांयच पालोव दिलोना.. जाण्टेपणांत लेगीत ती गंदावरी झरली....

दीस आनी वर्सां सोंपलीं... गोकळ्याक म्हातारपण आयलें. तिणें खस्ती खायत एक दीस हांतरूण धरलें.. अर्धांग जालें... हातपांय पयलींभशेन चलना जाले.. तेच अवतिकायेंत व्हडलो पूत नळयांच्या घरापोंदा रावन सुखांत दीस सारपाक लागलो.. पूण गोकळ्याच्या तोंडांतल्यान एक उतर आयलें ना...

गोकळें कुले घश्टीत घश्टीत पेजेचो धोकळ रांदताली. खोंपी भोंवतणीं झडिल्लो रुखांचो पतरो हाडून उज्याचें भागयताली. वयनी तिका आत्र्यापयऱ्यान शिदो धाडून दिताली... ताचेर ती भागयताली....

फाटलें सप्तक वयनी गोकळ्यागेर वचपाक पावलीच ना.. आजय वतली म्हटल्यार म्हाळ चार दिसांर पाविल्लो. भट जेवणाक येवपाचे.... तयारी करपाक जाय आशिल्ली..

घरामुखावेले वाटेन वचपी गोकळ्याच्या व्हडल्या पुताक वयनीन सादयलो. गोकळ्याखातीर शिदो ताचेकडेन धाडून दिलो.

वयनीच्या घरांत आयज म्हाळाचो बोवाळ... सकाळपासून वयनी बोवाळांत.. सांचीं जेवणां बी जावन ती गोकळ्यागेर वचपाक भायर सरली. तिचे खातीर ताटांत जेवण घेतलें..

'गोकळ्या ऽऽऽ ये गोकळ्या...'

कुले घश्टीत गोकळें भायर आयली.

'वयनी कशी आसा ?'

'आसां बरी..'

वयनीन खोंपभर नदर भोंवडायली, कुसकट वास सगल्याक भरिल्लो... घाणीचो वास वाऱ्याच्या झोतान भस्स करून नाकापुडांत भरतालो.. वयनीची गांठ विटली. पूण मुखामळार तें दिसलेंना...

'गोकळ्या... तुका जेवण हाडलां...'

'खंय रे तो... चेडचा, वयनीचें ताट मातशें रिकामें करून दी...'

गोकळ्यान नातवाक सादयलो तें पळोवन वयनीन म्हटलें...

'तुका हाडल तें...'

गोकळ्यान येवजिलें. वयनीक घडये वायट दिसत... म्हज्या ताटांत वोतून दवरतां. मागीर नातरांक वांटून दिवया. तशेंच कुले घश्टीत भितर वचून तिणें एक ताटाचो कट्टो हाडलो. जेवण तातूंत वोतलें..

'गोकळ्या.. पयर तुका तांदूळ आनी नाल्ल चेडचाकडेन धाडिल्ले ते पावले मगो ?..'

'हय...'

गोकळ्याची नदर चुकोवन जाप..

'खरेंच पावले मगो ?'

आतां मात गोकळ्याक फट उलोवप जमलें ना. ताणें तोंड घट धरलें...

'तुका पावलें ना तर ? म्हाका दुबाव आशिल्लोच.. ल्हानपणांत जांकां तुवें आमगेरचो निवळ घालून व्हड केलीं तांणी तुका फाट फिरयली.. आपूण जावन तांकां तुजी काकळूत येच ना. हावें धाडून दिल्लें तें लेगीत ताणें तुका दिवंक ना.. तूं उपाशींच उरलें...'

गोकळें उपाशीं उरलीं देखून वयनीचें मन कळवळ्ळें. तिची नदर

गोकळ्याच्या मुखामळार पडली... गोकळ्याचें मुखामळ सुन्न.. कपलावेल्या सुरकुत्यांनी जीव ना.. दोळ्यांची कांयच हालचाल ना. वोंठांनी एकामेकांक घट्ट वेंगायल्लें... सगलें भोगिल्ल्याचीं जायतीं तृप्त ल्हारां ताच्या मुखामळार उदेवन अस्तमतेक गेलीं.

'गोकळ्या ? तूं जेविना ?'

गोकळ्यान वयनीक नदरेनच नाका म्हणून सांगलें.

'गोडशें तरी खा..'

गोकळ्यान परत तकली हालयली... नाका....

'इल्लें तरी खा...'

गोकळ्यान गोडश्याची एक उंडी तोंडांत घातली. कशी बशी करून गिळ्ळी. ऊ ऽऽ क. तिका उचकी आयली. गोकळ्यान वयनीक थरथरपी हात जोडपाचो यत्न केलो.. फुडलीं उतरां तिच्या ताळ्यांतच घुस्पलीं. गोकळें खूब कितें सांगपाचो यत्न करताली, पूण सांगपाक जायनाशिल्लें. ती कितें सांगपाक सोदता तें वयनीक कळ्ळें. तिचे दोळे वयनीचे उपकार मानताले. थरथरपी वोंठ हाची गवाय दिताले. गोकळ्याचो घुस्मटमार जावपाक लागलो. गोकळ्यान परत गोडश्याची उंडी हातांत घेतली. पूण ती परत ताटांत पडली. गोकळ्याची कूड जमनीर लवंडली. वयनीन एक व्हड किलांट मारली आनी ती हो हो करून रडपाक लागली.

☆

काळखाच्या पोटांत...

चार वण्टींभितर पोलिसांचे नदरेखाला बशिल्ल्या यशवंतान जनेलाकडेन येवन भायर पळयलें. काळ तोंड उगडून सैम गिळपाक उबो रांविल्लो. दर्यावेळ भयानक ... ल्हारां घोघेत येवन तडीर घालून घेतालीं. झिळमिळटो काळोख... अस्ताक वचपी चंद्रीम... आनीक थोड्यावेळान फांतोड जातली...

यशवंताक दिसलें फांतोड जावंच नये. दोळयांमुखार देहभान विसरून खेळपी हीं ल्हारां हुपून पयस मळबाचे देगेपेल्यान वचचें... हे बंदखणीतच म्हजो शेवट जावंचो... हें कलंकीत तोंड घेवन म्हाका चार वण्टीं भायर वचपाक भंय दिसता... सुशिलेक हावें ह्या जगांतल्यान धांवडायली... चवदा वर्सांची बंदखणीची ख्यास्त आज सोंपता... परवां दिनूचें लग्न... ताच्या लग्नाखातीर घरा वचपाकच जाय... आनी चार–पांच तासच हांव ह्या दर्याचो सांगाती... दोन म्हयने जाले म्हाका दिनू येवन मेळून गेल्यार... आयलेबराबर आवयची याद काडलेबगर रावना... हे खेपे ताणें म्हाका ती बातमी सांगली...

'बाबा... हावें चली पसंत केल्या... तुमची परवानगी' ...

'परवानगी आनीक कसली ? लग्न जाता मरे ?'

'हय' ...

'कितें करता ती...'

यशवंताचो प्रश्न.

'नोकरी...'

'लग्न जावन संवसार सुखान कर... जाता तितले बेगीन...'

'बाबा... बेगीन कित्याक ? तुमी बंदखणीतल्यान सुटून येतकच हांव लग्न जातलों...'

'म्हजी वाट पळोव नाका...'

'बाबा... अशें कित्याक म्हण्टा ?'

'ना... दिनू तूं लग्न जा' ...

'बाबा... तूं घरा आयले बगर हांव लग्न जावचोंना. तुज्याच हातान म्हजें लग्न जावपाक जाय' ...

हांव दिनूच्या मायेच्या धाग्यांनी घुस्पलोंच... हावें ताका घरा येवन लग्न करपाचें उतर दितकच तो घरा गेलो. दिनूच्या लग्नाखातीर म्हाका हे वण्टी भायर वचपाक जाय. ही फांतोड उदेवपाक जाय... घरा वचून रावप म्हाका शक्य ना... हांव खुनी... यशवंताच्या दोळ्यांमुखार ती भयानक रात येवपाक लागली...

पुनवेची पावसाळी रात. वाठार सुस्त न्हिदिल्लो. यशवंताक आनी सुशिलेक मात न्हीद येवंक नाशिल्ली. यशवंत हांतरुणावेल्यान उठलो. दार उगडलें... वाऱ्याचें शितळ ल्हार ताका घश्टून गेलें. रातराणयेचो मंद वास नाकापुडांत रिगलो...

'सुशिला' ...

'हूं...'

सुशिला हांतरुणार उठून बसली. दिनूच्या आंगावेलें पांगरूण सारकें केलें.

'आमी भायर वचून बसुंया ?...'

यशवंताच्या प्रश्नार सुशिला वोगीच... तो तिचे म्हऱ्यांत आयलो... भुजांक धरून तिका उठयली.

'म्हाका खंय आपयता ?...'

'भायर' ...

'भायर नाका...'

सुशिलेन ताचो खांदावेलो हात पयस केलो. यशवंतान तिका हाताक धरून भायर व्हेली. सुशिलेन ताका घट्ट धरलें...

'कितें जालें...'

'म्हाका झाडांच्या सावल्यांचो भंय दिसता' ...

'भंय कसलो ? हांव आसा तो...'

'या तर...'

दोगांय चलपाक लागलीं. पोरसांतले बांयचेकुडेन येवन उबीं रावलीं. यशवंत कडेर बसलो. ती उबीच... सुशिलेक ताणें हाताक धरून आपले म्हऱ्यांत बसयली.

'सुशिला रातराणी पळय... पाना-पानांनी फुल्ल्या... तुवेंच रोयल्ली न्हय ती ?...'

'हय...'

'वयर पळय... मळबाच्या तळ्यांत साळकां फुलल्यांत...'

यशवंतान तिची खाडकी धरून तकली वयर केली... सुशिलेचें ताच्या उलोवण्याचेर लक्षच नाशिल्लें. ती वचपाक उठली... तिका जाल्ल्या दुयेंसाक लागून तिका कित्यांतच गोडी नाशिल्ली...

'खंय वता ?'...

'दिनू ! !'

'बस तूं... उठचो ना तो...'

यशवंतान तिका बळयांच बसयली...

'सुशिला... एक विचारूं ?...'

'कितें ?'

सुशिलेन यशवंताच्या तोंडाक पळयलें.

'हांवें कितें थारायलां...'

'कितें...'

'लग्न...'

'कोणाचें...'

'म्हजें...'

'कित्याक ?'

'तूं अशी दुयेंत...'

'हांव बरी जातलीं...'

'ना... तूं केन्नाच बरी जावंची ना... दोतोरान सांगलां...'

'ही रातराणी पळय... सुकिल्ली... पावस पडले बराबर तिका पानां आयलीं... घोंसांनी फुलां... काय बरो परमळ. हांवूय बरी जातलीं... म्हाका

जगपाक जाय...'

'ना सुशिला. तूं बरी जावचिना... फुलचिना... म्हाका जायतें सूख केन्नाच दिवपाक शकची ना... देखून हांव दुसरें लग्न जातां...'

'हांव जिती आसतना दुसरें लग्न ? हांव हें केन्नाच जावपाक दिवचीं ना... हें शक्य ना...'

सुशिला चक्रावली...

'म्हजें आयकून तरी घे ... सुशिला...'

यशवंत उठून उबो रावलो.

'म्हाका कांयच आयकुपाचें ना. हांव घरांत वतां...'

'सुशिला, अशें म्हणूं नाका. तुजी सवत तुजी सेवा करतली... सुखी करतली... तुका कांयच कमी करचोंना हांव...'

'एकदा सांगलें न्हय... हाव तुमकां दुसरें लग्न जावपाक दिना म्हणून...'

सुशिलेन नेटान तकली हालयली...

'सुशिला अशें म्हणूं नाका...'

यशवंत तिचे म्हऱ्यांत आयलो. ताणें तिका लागीं वोडली, 'म्हाका घरांत दोन बायलो नाकात...'

'हाव तुजेखातीरच दुसरें लग्न करतां.'

यशवंतान सुशिलेक आपले वेंगेंत घेतली. ताचे हात कडकडटाले... मनांत खवदळ...

'सुशिला हांव तुजेर खूब मोग करतां...'

यशवंताच्या आवाजांत थरथर...

'म्हाका तूं जाय सुशिला... हांव खरेंच तुजेर खूब मोग करतां...'

ती ताचे वेंगेंतल्यान सुटपाक धडपडपाक लागली. हे संदीचो फायदो घेवप... ही सुटून गेल्यार अशी संद परत येवची ना... सुशिला तर आपलो हट्ट सोडपाक तयार ना... ताणें तिका चडच आंवळून घेतली आनी बांयंत धुकलून दिली..

घब्ब... ताचें सगलें आंग शिरशिरलें... अवसर आयिल्लेवरी तो घरांत धांवत आयलो. काळीज ताणें दामून धरलें पूण भितरली धडपड थामोवप ताका शक्य नाशिल्लें... सगली रात अशीच गेली...

दुसऱ्या दिसा सुशिलेच्या मड्याबराबर यशवंताचें कर्म उफेलें. सगलीं

सोयरी जमलीं. मावशेन येवन दिनूक वेंगेंत घेतलो. यशवंताच्या हाताक बेडयो पडल्यो... पोलीस ताका व्हरपाक लागले... दिनून आकांत केलो... यशवंतान दिनूक मावशे सुवादीन केलो... यशवंत सकले मानेन पोलिसां फाटल्यान चलपाक लागलो...

पोलीस चवकशे उपरांत यशवंत खुनी थरलो. ताका चवदा वर्सांची बंदखणीची ख्यास्त फावो जाली.

आयज तीं चवदा वर्सां सोंपलीं. यशवंताक केल्ल्या कर्माचो पश्चात्ताप जातालो. घडये सुशिला दुयेंसान बेगीनच सोंपतली आशिल्ली. आतां म्हजें लग्न खंयचें ? दिनू बाशींग बांदून म्हजी घरा वाट पळयता. सुशिलेच्या रुपान नवी सून घरांत येतली. यशवंत कितलो वेळ जनेलांत रावन येवजितालो. चंद्रीम बुक्क... करून दर्यांत बुडलो... फांतोड जावपाक लागली. यशवंत थंयच जमनीर बसलो... दोळे धांपले.

यशवंत बंदखणीतल्यान सुटलो. पांदऱ्यांतल्यान सवण्याक सोडयले उपरांत उडपाक येना तशें तांचें जालें... गांवचो लोक केन्नाच माफ करचो नाशिल्लो. घरा आयलेबराबर केल्ल्या कर्माचो पश्चात्ताप जाला आसतलो अशें समजून लोक ताचेकडेन वेलेवयर उलोवपाक लागले. फाल्यां दिनूचें लग्न... यशवंत दिनूच्या लग्नाक आयिल्लो. ताका लोकांचें पडूंक नाशिल्लें.

दिनूच्या लग्नाचो दीस उदेलो. पुण्यवचन करपाक यशवंत बसलो. खूबश्यो बायलो येवन यशवंताक आनी दिनूक कुकूम लायताल्यो, यशवंताचे म्हऱ्यांत पळयताल्यो. दोळे पुसताल्यो... खरी कुकमाची धनीण ना... यशवंताचे नदरेंतल्यान हें सुटलें ना... दुखाचे कवळे यशवंताचें मन पोखरताले... लग्नाचो दर एक विधी करतना यशवंताचे दोळे भरून येताले. हो दीस आपल्या नशिबांत आयला हें एक दुर्भाग्य काय भाग्य ताकाच कळनाशिल्लें... आयज जर सुशिला आशिल्ली जाल्यार... सुशिलेच्या मर्णादिसा ताच्या दोळयांतल्यान एक लेगीत दूक व्हांवलें ना... आयज तो मेकळेपणान दुकां गळयतालो... सुशिला म्हाका केन्नाच माफ करचिना... म्हजी मरमेरेन बायल जावन रावपाची म्हजेकडेन भीक मागिल्ली तिणें... सुशिलेच्या नावान जेन्ना सवाशणीची होंट भरली तेन्ना तर तो सान भुरग्यावरी रडलो...

लग्नाच्या म्हुर्ताक फकत अर्दवर आशिल्लें. दिनूक न्हवऱ्याच्या भेसांत

पळोवन यशवंत खोशी जालो. गांवचे लोक दिनूच्या लग्नाक मनमेकळेपणान वावुरताले... सोयरीं शालू-भांगरां घालून बोवाळटालीं... म्हाका सगळ्यांनी माफ केलां आसतलें ?... हांव कलंकीत म्हणपाचें ती आजून विसरूंक नात... हाचेफुडें हांव पुताक आनी सुनेक हें कलंकीत तोंड कशें दाखोवं ?... यशवंत आपल्याच विचांरात गुल्ल जाल्लो... एका काळ्याकिट्ट जगांत वावुरतालो...

लग्न बरे तरेन जालें. नवी सून घरांत आयली. तिची तोंड भरून तोखणाय जाली. रातच्या जेवणा उपरांत बोवाळ कमी जालो. दीसभराच्या श्रमांनी पुरो जाल्ल्यांनी हांतरुणां-पांगरुणां घेवन जमनीक फाट तेंकयली. दिनून येवन कालचेसारखेंच यशवंताक हांतरूण घालून दिलें. यशवंताक मात कशीच न्हीद येनाशिल्ली. तो येवजितालो. दिनूचें लग्न जालें... म्हजेवेली मोठी जबाबदारी सोंपली...

थोड्या वेळान सगलेकडेन लायटी पालवतकच तो उठलो... भायर आयलो... काळखांत वचून उबो रावलो. पोरसांतले बांयचो कांठ अर्दवट कोंसळिल्लो... तो बांयचे धडेर वचून उबो रावलो... बागोवन भितर पळयलें. काळोकिट्ट काळोख. तो फाटीं सरलो. थंयची रातराणी बाविल्ली... ताणें फाटीं वळून घरार नदर मारली... तो घराभोंवतणच्या सुन्न वाठारांत घुस्मटपाक लागलो... पयस कोले ताळो सरांटून बोबो मारताले... काळोखच काळोख. उगड्या-नागड्या मळबांत नखेत्रां दांत विचकायतालीं... चंद्रीम नाशिल्लो... कसलो तरी कुजकट वास वाऱ्याबराबर येवपाक लागलो. यशवंताच्यान थंय उबें रावप शक्य जालें ना. घराचे उरफाटे दिकेन तो चलपाक लागलो. काळ्याकिट्ट काळखाच्या पोटांत वचून रिगलो...

☆

कुवाडें

ती सद्दां पिंपळाचे भोंवताडे काडटा. चार दिसांपयनी ती आमच्या शेजाऱ्यांगेर रावपाक आयल्या. सद्दां हांव कॉलेजीक वतना तिका पळयतां. बलकांवांत बशिल्ली. घुस्पल्ले केंस सोडयता पूण केसांचो घुस्पून परत पुंजको जाता. तिचें तें बलकांवांत बसून केंस उगोवन केन्ना जाता देव जाणा. हांव कॉलेजांतल्यान येतां तेन्नाय ती थंयच आसता. दोनय हातांनी पेपर उगडून दोळ्यांमुखार धरिल्लो... मखामळ दिसनाशिल्ल्या कारणान ती बातम्यो वाचता काय कितें येवजिता कळपाक मार्ग ना. म्हजीं पावलां तिका पळोवन एक खीण आडखळटात. पूण थामनात.

म्हाका पिंपळाची भोव ओड. वोत मोव जालें म्हणजे हांव पुस्तक घेवन पिंपळापेडार वचून बसतां. त्यावेळार अस्तमे वाटेन येवपी शितळ वारें आनी ताका लागून जावपी पानांची सळसळ मन संतोशीत करता. एकलेंपण आशिल्ल्यान अभ्यासय बरो जाता. पावसाळो सोडल्यार वरसयभर म्हजी ही सदचीच संवंय. पूण आतां...

चार दीस जाले तीय हांगा येता. ती कोण ? शेजाऱ्यांगेर कित्याक आयल्या ? तिचें आनी तांचें नातें कितें ? इतली निर्शेल्लेवरी ती कित्याक पावलां मेजीत चलता ? दिसता

तिची चवकशी करची ? पूण ताजी जाणविकाय म्हाका कित्याक ? जावं बाबडी कोणय. ना... ह्या दिसांनी तिचे भोंवताडे म्हजी कटकट जाल्या. तिच्या भोंवताड्यांच्या उपद्रवांक लागून म्हजें मन विचलीत जावपाक लागलां.

भोंवताडे काडटाना सुर्वेक ती ल्हवू–ल्हवू पुटपुट्टा. भोंवताडे वाडत वतात तशी तिची चाल आनी आवाजय वाडत वता. मागीर म्हजेमुखार दोन हात पयस ती सपणार बसता. एकेच नदरेन म्हाका पळयत. म्हजें लक्ष तिचेकडेन आसा पूण तिका हांव अशें दाखोवन दिना. पूण हाका लागून म्हजी अभ्यासांतली तंद्री मात पुराय तुटल्या. चार दीस जाले सेगीत अशेंच घडटा...

ती म्हाका कितेंतरी सांगतली जावं विचारतली अशें समजून एक दीस हावें मान वयर करून तिजेकडेन बारीकसाणीन पळयलें. तिचेर अवेळीं जाण्टेपणान घुरी घातिल्ली. मुखामळ खूबच कश्टावल्लें. देह सडपातळ... आंगार नाजूकशी जरीची कड आशिल्ली साडी. तसलोच पोलको... गळ्यांत मणी, मंगळसुत्राचो एकोडो पोड. तेशिवाय आंगार भांगराचें थीग ना. हातांत एकेक कंवचेचें कांकण... कपलार एका रुपयाच्या नाण्यायेदो कुकमाचो तिबो. केसांचो आंवळून बांदिल्लो गच्च आमाडो फुलां नाशिल्ल्यान नागडो–उगडो...

पयल्या दिसा हावें तिका कांयच विचारूंक नाशिल्लें. दुसरो, तिसरो आनी चवथोयं दीस तसोच गेल्लो. म्हजे फाटल्यान ती थंय कितलो वेळ बसून आशिल्ली कोण जाणा... त्या दिसांनी मात घरा वतकूच म्हाका दिसलें.... म्हज्या अभ्यासांत खंड पडत देखून तिणें म्हाका हटकिली ना. पूण हावें तरी तिची वासपूस करपाची. चुकलेंच म्हजें... फाल्यां अशें घडल्यार... आनी आयज सदचेवरीच ती म्हजे म्हऱ्यांत येवन बसली. हावें मुमुरखेंच हांसून तिका आपलीशी करून घेवपाचो यत्न केलो. पूण तिच्या मुखमळार कांयच बदल ना...

हावें तिका प्रश्न केलो.

'तुजें नांव कितें ?'

पूण तिची उलोवपाची तयारी दिसली ना. हावें परत तिचे मातशे लागीं वचून विचारलें.

'तुजें नांव...?'

'इंदू...'

'भोंवताडे कित्याक काडटा ?'

'हरशींच...'

तिची तुटकी जाप.

'अशें आसचें ना. भलायकी, भुर्गेंबाळ, कितेंयतरी कारण आसपाक जाय... हय मूं ?' म्हज्या प्रश्नार ती वोग्गी रांवली. मान फिरोवन दुसरेच वाटेन पळोवपाक लागली. प्रश्न मानवलो नाम्हूये... हावें दुसरो प्रश्न केलो.

'घरकार कितें करता ?'

'तितलें विचारूं नाका...'

'तुजें आनी ताजें बरें ना ?...'

म्हजो निलाजरो प्रश्न.

इंदू उठून चलपाक लागली. हावें तिचो हात धरून तिका थांबयली. आनी फाटी ओडून परती म्हजे म्हऱ्यांत बसयली.

हावें उलोवणें परतिलें.

'तुजें घर खंय ?'

'पिसुरल्या'

'तुजीं हांगा कोण आसात ?'

'मानलीं जाल्यार आसात. नाजाल्यार कोण ना...'

'म्हणजे ?'

'पिरू... ती म्हजी भयण... सगलीं आपल्या सुखाचीं...'

'म्हणजे ? भयण तुका बरी करिना ?'

'खूब बरें करता... आवय–बापूय लेगीत... पूण...'

'पूण कितें ?'

'ना उलयल्यांर बरें... जालें तें जालें... तूं कितें वाचता ?'

इंदूचो म्हाका प्रश्न...

'हांव शिकप करतां... अंदू बी. ए. चें निमणें वर्स...'

'निमणें म्हणजे ?'

'तिसरें...'

'तूं कितें शिकलां, इंदू ?'

म्हज्या प्रश्नार इंदू ओंठ चिड्डीत हांसली. पिश्यांवरी मदींच एकदम तिणें तोंडावेले हावभाव बदलले.

'हांव... हांव शिकूंक वतालें... शाळा सोडपाक लावन घरच्यांनी म्हाका घरा दवरली... आनी मोग करपाक शिकयलें...'

'कितें सांगता तूं ?'

हावें विचारलें.

'हय बऱ्या गिरेस्त न्हवऱ्याचें हांयस दाखयलें आनी मोग करपाक शिकयलो... म्हजे जिणेचो नाश करून वडयलो. तिडक येता म्हाका तांची...'

तिच्या दोळयांतल्यान दुकां गळ्ळीं... हावें तीं हातांतल्या लेसान पुसलीं. हावें तिचो हात म्हज्या हातांत घट धरून म्हटलें...

'वयार आयिल्ल्यो चलयो चुकतात. मोगाच्या नांवान पावल चुकून होमखणांत पडटात. पूण तुजें कितें वेगळेंच शें दिसता...'

'हांव कोणाचीच चूक म्हणिना. पूण आवय बाबान विचार करपाचो... येदो व्हड बँकेचो मॅनेजर म्हजे कडेन लग्न करीत काय ना म्हण...'

आतां म्हाका इंदूचें तोंड सुटिल्लेवरी दिसलें. हावें जाता तितली तिच्या तोंडान म्हजी उमळशीक भागोवपाचें थारायलें. हावें ल्हवूच फुडलो प्रश्न केलो.

'ह्या मॅनेजराची आनी तुजी वळख खंय जाली ?'

'आगो... वळख खंयची... गांवांत बँक उघडली. आमी दूद विकतालीं. बँकेचो मॅनेजर... खरें म्हणजे नांव लेगीत नाका ताचें. तो आमगेर दूद व्हरपाक आयलो. एक दीस–दोन दीस आनी मागीर सद्दां. आंकवार आशिल्लोच. देखणो... बूट सूट... ताचो मोह म्हाकाय जालो. तो दूद व्हरपाक आयलेबराबर सदांच ताका थांबोवन माळयेर बसोवन च्या आनी शिरो दिवन म्हाकाच माळयेर धाडपाची कितें गरज ?'

'तुमचेच माळयेर रावतालो तो ?'

'ना... ताका थंय बसोवन म्हाका थंय धाडटालीं तीं...'

'म्हणजेच तूं वयार आयलां. मॅनेजरालागीं जमल्यार बरें अशें तांकां दिसतालें जावंये...'

'ना. पूण म्हाका तशें दिसलें ना. सुर्वेक म्हाका आई धाडटाली म्हणून हांव वतालें. पूण दीस वाडत गेले. तसो तो म्हजे मनांत भरूंक लागलो. हातूंतय सगलो म्हज्या घरच्यांचोच डाव आशिल्लो...'

'म्हणजे तुजो घरच्यांचेर आरोप आसा ?'

'हय... म्हजें इश्कोल सकाळीं आठांक... बँकेचो वेळ धांक... एक दीस मॅनेजराकडेन उलयतां–उलयतां म्हाका उशीर जालो. तेन्ना खरें म्हणजे घरच्यांनी आपूण जावन म्हाका माळयेवेल्यान आपोवन हाडून इश्कोलांत धाडपाचें. तें तांणी केलें ना. अशें एकदां न्हय. हजारदां... ताचो परिणाम... हांव निमाणें नापास जालें... नाजाल्यार येन्ना कोणाचीय राणी जावन संवसार करतलें आशिल्लें...'

म्हाकाय इंदूचें खरेंच दिसलें. शिकपी चलयेक सोयऱ्याचे खुशालमतीक धाडप ही सामकी चूक. पूण फुडें इंदूची जीण कशी गेली ? आनी आतां ती पिंपळाचे भोंवताडे कित्याक मारता हें कुवाडें आजून सुटूंक नाशिल्लें. हावें तिचो हात म्हजे मांडयेर दवरून घट धरीत म्हटलें...

'मागीर तुजें लग्न त्या मॅनेजरा बरोबर जालें काय ना ?...'

इंदूचे नदरेंत हे प्रश्नान इंगळे धगधगपाक लागले.

'लग्न ?... हूं...'

'म्हणजे ?...'

हावें तिच्या गळ्यांतल्या मंगळसुत्राकडेन परत पळयलें...

'जाणा मगो बाय, हांव फसलें... तो भोग करपाक तयार आशिल्लो... लग्न न्हय... ताणें म्हाका फसयली... आनी एक दीस बदली घेवन गांव सोडून पयस खंयतरी गेलो... तो आयलोच ना...'

इंदून दोळ्यांतलीं दुकां पुसलीं... आनी एक व्हड सुस्कारो सोडलो...

'तुजो संवसार, भोगी आनी शिकप तीनय उडून गेलीं तर...'

हावेंय खंत परगटायली.

'हय... हांव म्हणून जितें रावलां... म्हज्या जाग्यार दुसरी आशिल्ली जाल्यार जीव दिवन मेकळी जातली आशिल्ली...'

'अशें अभद्र उलोवं नाका इंदू...'

हावें इंदूच्या तोंडार हात दवरून फुडलीं उतरां दामून दवरलीं...

'इंदू ? एका मनशाफाटल्यान हो संवसार निसू पडला ? मनांत येत जाल्यार त्या मनशाक विसरून दुसरो...'

म्हजें उतर तोडून तिणें केंकावन म्हटलें –

'म्हज्या घरच्यांचो... आवय–बापूय भयण हांचोय होच विचार आशिल्लो. देखून हाचेफुडें लग्न जावं नये हो म्हजो विचार मोडून एका पाप्यापितरासारक्या मनशाक उबो करून म्हज्या गळ्यांत हो मंगळसुत्राचो

पोड बांदून वडयलो... ताचे संपत्तीची हाव आशिल्ली तांकां...'

इंदून पोलक्यांत लिपिल्लो मंगळसुत्राचो पोड भायर काडलो... तिणें त्या पोडाक तिडकीन, तिरस्कारान किस्मिलो... आनी म्हाका वेंगेंत घेवन ती हो ऽ ऽ हो ऽ ऽ करून रडपाक लागली... म्हज्याय दोळ्यांत दुकां भरलीं...

'इंदू... रडूं नाका... नशीब आसता जण एकट्याचें...'

हावें तिका समजावपाचो यत्न केलो. इंदू उठून उबी रावली. म्हजे पसून चार हात पयस. म्हाका फाट करून...

'हावें ह्या घोवाक सोडलो...'

इंदून म्हजेवटेन तोंड करून मंगळसुत्राचो पोड म्हाका दाखयत म्हटलें.

'म्हजो संवसार ह्या दुसऱ्या न्हवऱ्याबराबर जावंचोना. म्हणजे हांव करचेंच ना. हो मंगळसुत्राचो पोड हांव तोडून वडयतली आशिल्लीं... पूण...'

तिणें एक लांब सुस्कारो सोडलो. दुकानी भरिल्ल्या दोळ्यांनी म्हजेकडेन पळयत म्हटलें...

'जल्माक आयली. मोग केलो. लग्न जालें. म्हजो मोगी खंयतरी जितो आसतलो. देखून ह्यो पिड्डुको आनी मणी घालतां...'

'आनी पिंपळाक भोंवताडे ?' म्हजो हुतहुतो प्रश्न.

'पिंपळ म्हणजे देव. ताचे भोंवताडे काडटां–काडटां म्हजो शेवट जावंचो... तोयबी ताचे सावळेंत... हीच एक अश्रणी उरल्या...'

इंदूच्या उतरांनी म्हजे तकलेंत मोड उठलें. एक उध्वस्त जीण सिनेमावरी दोळ्यां मुखावेल्यान पासार जाली.

हावें हातांत उक्तें आशिल्लें पुस्तक बंद केलें. दोळे धांपले. म्हज्याफुड्यांतल्यान इंदू पिंपळाचो पालो माडयत पयस वता म्हणपाचें म्हाका जाणवलें. हावें दोळे उकते केले. पिंपळाचें एक पोरने शिरपंजर जाल्लें पान म्हजेमुखार येवन पडलें.

इंदू म्हाका फाट करून चलत आशिल्ली. म्हाका दिसलें तिका थांबोवची. तिका बरें दिसत अश्या चार उतरांचो शिंवर मारून तिका टवटवीत करची. पूण ती पिंपळा पेडाचीं सपणां देवन पयस पाविल्ली... तिनसांजचे कातर वेळेंत इल्ली–इल्ली गडप जाली.

☆

तुजी वाट धर

म्हेळ्या कपड्यांची पोटली शैलान खांकेक मारली आनी तें गणयत गणयत तळ्याची वाट चलपाक लागलें. पणसा मुळांत पावलें... कपड्यांची पोटली जमनीर आपटिली... तळयेकडल्यान कपडे धोपटिल्ल्याचो आवाज आयकपाक येतालो. तें थंयच बसलें.

'ये शैला... कपडे उमळपाक येना ?'

ताका शेजान्नीन हडकिलें.

'मागीर येतां... धिट्टी पडल्यात थंय.'

'हांव वयतां गो बाये...'

'वच... वच...'

शैलान तिका तोंड वांकडें करीत म्हटलें. शेजान्नीन उजवे हांडीवेलो कपड्यांनी भरिल्लो पांटलो दावे हांडीर घेतलो आनी दोन–तीन खेपे फाटीं वळोन पळयत ती तुरू–तुरू करून चलपाक लागली.

'दोळे फुटकी पळयता पळय...'

शैलान मनांतल्या मनांत तिका दोन वायट उतरां दिलीं. ती सपणां देंवन तळयेर गेली तशें शैलान पणसामुळांतले सात गुळगुळीतशे फातर पुंजायले आनी तें खेळपाक लागलें. तळयेवेलो बोवाळ कमी जालो तशें तें उठलें. मानेर जाय तशा

लोळपी केसांचो ताणें तटतटून आंबाडो बांदलो. कपड्यांची पोटली घेवन ताणें तळयेची वाट धरली. चलतां–चलतां तें मदींच थामतालें. तळयेवेल्या वाठाराचेर किदें शेणिल्लेवरी नदर भोंवडायतालें. खिणाखिणाक मुखामळार बदल, मदींच हांसो... मदींच चिंता उफेताली. तळयेचीं सपणा देंवतना ताणें परत एकदां नदरेन कोनशान–कोनसो तपासलो. कोणच ना... सगळेकडेन सामसूम... तें तळयेधडेवेले फातरीर बसलें. दोनय पांय उदकांत... झेलाद उदक... कावळ्या दोळ्यासारकें नितळ... ताचे पायांच्या तळटाक खातखुतल्यो जाल्यो. कपड्यांची पोटली सोडून तें कपडे भिजोवन फातरीर आपटुपाक लागलें... दोन तीन खेपे ताचीं बोटां फातरी खांचींत गेलीं. कशे बशे कपडे धुवन जाले. हातपांय निवळ आस्तना लेगीत ताणें शाबू लावन धुले. तें फातरीर बसून येवजुपाक लागलें...

घब्ब... उदकाचो शिंवर शैलाच्या आंगार उसळ्ळो. तें जिवाच्या आकांतान फातरीर उबें रावलें. सपणांवेल्यान कोणेतरी उदकांत उडी मारिल्ली.

‘तूं... तो... हांव कसलें भियेलें जाणा ?...’

दोगांय एकाच सुरान हांसलीं. रमेशान पोशे भरून शैलाक भिजोवपाक सुरवात केली.

‘हांव पळय हां रोमी....’

‘पळय रोमी म्हटल्यार वोगी रावंचो ना हां...रमेश काय बरें नांव म्हजें...’

‘हांव रोमीच म्हणटलें...’

‘पळय मागीर रडटलें...’

‘रोमी... रोमी... रोमी... कर कितें करता तें...’

रमेश शैला म्हऱ्यांत आयलो. मानग्यान ल्हवूच येवन पायांक धरून वोडचें तशें शैलाक उदकांत वोडलें. शैलान रमेशाचे तावडींतल्यान सुटपाक खटपट केली पूण फुकट... तळयेंत मदीं पावतकच ताणें शैलाक सोडून दिलें... दोन–तीन बुचकुळ्यो खातकच परत धरलें... मातशें सावशीद जातकच विचारलें...

‘म्हणटलें रोमी ?...’

‘ना...’

'चूक माग...'

रमेश गालांतल्या गालांत हांसलो...

'चुकलें पायां पडटां' ...

रमेशान शैलाक हाडून फातरीकडेन पावयलें... बेगिबेगीन तें तळयेधडेर आशिल्ल्या रुखाफाटल्यान वचून लिपलें... रमेश उदकांतल्यान वयर सरलो...

'शैलू रागार गो ?'

'हांगा येवं नाका हां' ...

'म्हजी लज दिसता...?'

'हय...'

'लग्न जातकच कितें करतलें ?...'

'तुका किदयाक त्यो जाणवायो' ...

'हरशींच... हांव हांगाच बसता. पळोवया. कितलो वेळ थंय कुडकुडटा तें...'

'रमेश ?...'

रमेश वोग्गी. ताका फाट करून बसला.

'रमेश ?'

बारीकसो फातर काडून शैलान रमेशाचेर मारलो.

'कितें गो ?'

रमेशान फाटी पळयलें तशें तें परत लिपलें.

'मातशे म्हजे कपडे दी मरे...'

शैला काकुळटेक आयलें...

'खंयचे ? पूण रागार ना जाल्यार दितां...'

'ना...'

शैला मनांतल्या मनांत हांसलें. रमेशान कपडे हाडून दिले. कपडे घालून तें रमेशाम्हऱ्यांत येवन बसलें. कितलोशेंच वेळ तीं गजाली करतालीं. दनपार जातकच तीं घरा गेलीं... शैलान घरा येवन कपडे सुकत घाले. घराच्या हुमऱ्यार येवन बसलें.

'शैला. तुका चीट आयल्या.'

मावशेन शैलाच्या हातांत चीट दिली आनी ती भितर गेली. कोणाची

काय ? ताणें चीट आरती–परती करून पळयली. आवयचीच... पूण हें कशें शक्य आसा ? हातांतली चीट ताणें सपणार दवरली...

'चीट कोणाची गो शैला ?...'

शैला वोगीच

'वाच मगो...'

मावशी शैला म्हऱ्यांत येवन बसली. चीट उगडून शैलाच्या हातांत दिली आनी दोळ्यांनीच तिणें ताका वाच म्हणून खुणायलें.

चीट वाचता तितलें शैला घुस्पागोंदळांत पडपाक लागलें... ताचें मुखामळ बावलें...

'कितें बरयलां गो बाय ?...'

'मावशे, आवय पंदरा तारखेक घरा येतली... मावशे म्हजी आवय मरूंक ना' ...

शैलाक आवय जिती आसा म्हणून खोस जावपापरसय दूखच चड जालें. कित्याक येता काय हांगा ती ? हांगा गांवभर आपलें नांव घाणायलां... लग्न जायनास्तना म्हाका जल्माक घालें... बेगीनच येतां म्हणून सांगून कोणावांगडा कलकत्याक पळून गेली. धा वरसां जालीं. आपलें काळें तोंड घेवन आतां हांगा येता तरी कित्याक ? हरशींच म्हाका लोक नाकानाका तें म्हण्टात.. ती येतंकच आनी आयकपाकच नाका. त्या दिसा कोणेतरी येवन मावशेक आवय पनेळ उमथून बुडली म्हणपाचें सांगलें. शैलान तें आयकल्लें पूण ताका वायटय दिसलें ना आनी बरेंय दिसलें ना. ती खबर आयकतपसून शैलाक आवयची एकय चीट येवंक नाशिल्ली. शैलाक दिसलें आपणें आयकल्ली ती खबर खरी आसुये. मावशी तर केन्नाच आवयविशीं कांयच सांगनाशिल्ली. तेंय बी विचारिनाशिल्लें. पूण आयज ही चीट वाचून ताका अजापच जालें. जिती आसा तर आवय म्हजी... रमेशान बी फकाणां करूंकना मूं ?... ताणें चीट परत पळयली. ही सय आवयचीच. बरपय तिचेंच... शैलान चीट पिंजून भायर वडयली.

दुसऱ्या दिसा शैला कपडे उमळपाचे नास्तना लेगीत, रमेश तळयेर सदचेभशेन न्हावपाक येतलो म्हणून तळयेर गेलें. तळयेधडेर बसून तें एक एक शेंकरो काडून उदकांत शेंवटुपाक लागलें... कितलो वेळ गेलो... शेळोणी घालीत रमेश आयलो. तोंडार उश्णो हांसो हाडीत शैलान म्हटलें.

'बस...'

रमेश शैलाम्हऱ्यांत बसलो.

'आयज़ वग्गी मगो... कितें जालां ?'

'कांय ना...'

'मावशी उलयली ?'

'ना...'

'शेजाऱ्यांनी कितें म्हटलें ?'

'ना...'

'कितें जालां तर ?'

शैला सकले मानेन तकली हालयतालें. रमेशान खाडकेक धरून शैलाची तकली वयर काडली. शैलाच्या दोळ्यांत दुकां...

'म्हाका सांगिना ?...'

'म्हजी आवय...'

'कितें जालें आवयक ? ती केन्नाच मेली न्हय गो ?'

'ती जितीं आसा. पंदरा तारखेक ती घरा येता...'

'मागीर रडपाक कित्याक जाय ?'

'तुका ती कसली तें खबर आसूंनय...'

'कितेंय जालें तरी पूण आवय ती तुजी... तें आसूं... म्हाका एक सांग पळोवया... बाप्पा म्हाका लग्नाचें विचारतालो. केन्ना लग्न जावया गो ?'

रमेशान विशय बदललो.

'आवय येतकच...'

शैला लजलें.

'आयज धा तारीख पांचच दीस आसात. पंदरा तारखेक आवय येतली. सोळा तारखेक मागीर पें ऽ ऽ ऽ डूम...'

रमेशान शेळोणीं घालून शेनाय वाजयल्ल्यावरी केलें. पावसाफाटल्यान वत येवचें तशें शैला हांसलें....

'तू सांगता मरे तर आवयक ?'

'हय तर... मागणी हांवच घालतलो...'

शैलाक मागणी घालपाक येवपाचें उतर दिवन रमेश सदचेभशेन न्हांवपाक गेलो. शैला घरा परतलें...

आयज आवय येतली म्हणून शैला खंयच गेलें ना... दनपारचीं अडेज जालीं. एक टॅक्सी येवन दारांत उबी रावली. मावशी रोखडीच भायर गेली. शैला जनेलाकडेन येवन उबें रावलें. एक बायलमनीस टॅक्सीचें दार उगडून सकल देंवली. टॅक्सींत आनी कोणतरी आशिल्लो. ताणें मावशेक कितेंतरी सांगलें. मावशेन तिका हाताक धरून भितर हाडली. आवयच ती... पूण तिची दशा अशी कशी जाली ? कोणें तिची अशी दशा केली काय ? शैला जनेलाकडल्यान येवन दारात उबें...

'शैला... आवयक विसरलें... तिचे दोळे गेल्यात. तिका दिश्टी पडना...'

मावशेन शैलाक आवयम्हऱ्यांत हाडलें. शैला चार हात पयसच उबें...

'शैला ?... बाय म्हजेर रागार... हांगा यो...'

आवयन शैलाक वेंगात घेवपाक हात फुडें केले.

'बाय... हांव तुजेखतीरच हांगा आयल्या...'

'तू म्हजेखातीर येवंक ना... तुजी दशा अशी जाल्या म्हणून तुका हांगा हाडून सोडल्या. हांव तुजे फुड्यांत केन्नाच येवचें ना... तूं म्हजी आवय न्हय...'

'शैला, अशें म्हणू नाका. खरेंच हांव तुका लागूनच घरा आयल्यां... म्हाका आतां कोणाचो आदार ?... हांव कोणाक नाका... हांव जरी घर सोडून गेल्ली तरी पूण तुका कांयच कमी करूंक ना बाय... मावशेक विचार... म्हजे जोडीचेरच तूं इतलें व्हड जालां... हावें जरी पयसो वायट मार्गान मेळयला तरी पूण पयनी म्हज्या वायट नशिबान आनी मागीर तुज्येखातीरच हांव जगलां... जर तूं म्हाका आवय म्हणपाक तयार ना जाल्यार...'

उलयतां–उलयतां आवय हुंडक्या–हुंडक्यांनी रडपाक लागली. आवयची काकळूत पळोवं नजो जावन शैलाचें काळीज वितळपाक लागलें. ताणें धांवत वचून आवयक वेंग मारली.

दुसऱ्या दिसा रमेश आयलो. मावशी आवयक घेवन दोतोरागेर गेल्ली. शैलान भायर येवन रमेशाक बसपाक सांगलें...

'आवय खंय गो ?'

रमेशान विचारलें.

'दोतोरागेर...'

‘केन्ना येतली ?...’

‘खबर ना... रमेश तुका कितें सांगपाक जाय...’

‘सांग मगो...’

‘तूं जर लग्न जातकच आवयची जापसलदारकी घेतलो जाल्यार...’

‘जाल्यार कितें ?...’

‘हांव लग्न जातलें ?...’

‘म्हणजे ?...’

‘रमेश म्हजे आवयची भलायकी बरी ना... तिका एके वायट पिडेन पोखरल्या. तिका म्हज्या आदाराची गरज आसा... एकेच आशेन ती घरा आयल्या...’

‘म्हणजे ?... तुजेबराबर ती म्हगेर येतली ?...’

‘हय...’

‘हें पळय... म्हाका तूं एकटेंच जाय... पिडेन पोखरिल्ली तुजी घाणयारी आवय नाका...’

‘म्हजी आवय घाणयारी न्हय...’

‘शैला तुका जर आवयची सेवा करपाक जाय जाल्यार मोग कित्याक केलो ?...’

‘रमेश ?... असो तिडकूं नाका... हे अवतिकायेंत म्हाका जर तिका सोडून वचचें पडटा जाल्यार... म्हाका लग्नच नाका... रमेश... तूं तुजी वाट धर...’

रमेशाच्या मोगापरस आवयच्या मोगाच्या पासांनी शैलाक घट बांदून घातलें... शैलाचीं उतरां आयकून रमेश कांटमूंय चाबिल्लेवरी खुर्चेवेल्यान उठून चलपाक लागलो...

☆

वाऱ्यावयलें सपन....

पावसाळो सोंपलों अशें समजून रुक्मीण हुस्क्यामेकळी जाली. घर सोडून पयस खंयय कामाक वचपाक लागली. आयज भाटकाराच्या शेतांत विष्णू, तिचो घोव आनी ती मेरो काडटालीं... तिची नदर मळबार गेली...

'आयज दमटेंच दिसता...'

तिणें घोवाक म्हटलें. विष्णूनय वयर पळयलें... थोड्या वेळान दमटान वेंगायल्ल्या मळबांत गॅर्र पेटपाक सुरवात जाली. तिचो जीव आकूळ–पिकूळ.... काळीं कुपां वाऱ्याबराबर नेटान धांवत येवन माथ्यावयर जमलीं. जोगलां मारपाक लागलीं..... आचो मारून रुक्मीण धांवत सुटली. तिचेफाटल्यान विष्णूय... कोणेंतरी मळबांतल्यान शेंकरे मारता तशे कुपांनी धर्तरेर घालून घेतलें.... रुक्मीणीचेर आकांत....

'कितें बाये ह्या पावसान येवजिला ?....'

तिणें खोंपींत पावल दवरलें...

मार्गशिर्ष म्हयनो पूण म्हाताऱ्या पावसाक तरणाट्यावरी मद चडिल्लो.. खिणाभितर ताणें कोलवाच्या पाख्याच्या चाळणींतल्यान भितर उडी मारली.. खोंपींत तळें सांचलें....

'भायर मिरसांगो घाल्यात त्यो हाड....हांव भात पळयतां...'

खर्शेंत तिणें घोवाक ओर्द सोडली. कोनशाचें वजें आनी

बुटी घेवन तिणें खळ्यांत धांव मारली. व्हड व्हड वेगों मारू, बुटी दोनय धोंपरांमदीं घट धरून तिणें सुकन घातलेलें भात भरलें.... माथ्यार वजें घेवन ती भितर येवपाक लागली.

'पाड पडूं पावसाचें. आतां जर असो पावस पडलो जाल्यार...'
पावसाचेर फडफडटना मदींच घोवाकय तिणें दाडेक धरलो.... तो मिरसांगो घेवन भितर आयलो...

'खंय दवरूं ?...'

'म्हज्या माथ्यार...'

विष्णून मोन्यानी मिरसांगो सुक्याश्या जाग्यार दवरल्यो.

'लुंवपाक वचून भात हाडप. मर मर मरप. तुका ताचें कांयच ना... घरांत हाडलें म्हणून जागो नाका दवरपाक ? घरां बांदतलो खंय ! हळद लागली तोंडाक ...

गोदड्यो, डबे, लाकडां, कपड्याचीं बोनरां हाताक मेळटा तें तिणें राशीर मारलें. वेल्यान कापोत धांपली. पांवळ्यो जंय – जंय वोतताल्यो थंयचें सामान उखलून विष्णून दुसरेकडेन दवरलें. रुक्मीणीन चेड्याक सादयलो.

'शाणू... ए शाणू'

पावसाच्या धुमशेणाक लागून तिचो उलो खोंपीभायर पावलोच ना. दोनय हात जमनीक तेंकोवन ती बसली., विष्णूय कडव्याक तेंकून बसलो. कानाक लायिल्ली शेन्ताची विडी तोंडांत धरली. उठून रान्नीकडेन गेलो. फस्काक हात घाल जाल्यार तें पेटपाचे अवतिकायेंत ना. ताणें विडी तशीच कानाक लायली...

'विडयो फुस्कावपाचें बरें येवजता दीसभर... घराचें कांयच कानामनार घेवपाक नाका. चार वरसां पयलींच घर उबें जावपाचें ?...

'हांवें कितें बांदिना म्हटलां ?....'

'बांदतांच म्हटलां. पूण केन्ना सुरवात करपाची ? विडी फुस्कायली म्हणून घर बांदून जावचेंना....'

'विडी फुस्कायतकच म्हाका घराचो प्लान्त येवजता...'

'प्लान्त येवजता बोडक्याचो.. एक विडी फुस्कायतकच प्लान्त येवज़ता जाल्यार दुसरी फुस्कायतकच घराच्या कामाक सुरवात कशी जायना ?'

‘बांदुया गो... पोरूं तें जालें. शेजाऱ्यांनी मदेर व्हरूंक ना जाल्यार .. अंदूं मात बांदपाचेंच ...’

‘हांव विचारतां तुवें मदेर दिलेंच कित्याक ?’

तिणे उबी रावन पदर कमराक खोयलो...

‘तो आयलो न्हय गो दारांत...’

‘आयलो म्हणून कितें जालें ? कमराचें न्हेसण सोडून माथ्याक बांदप ?’....

‘तूं नकळो तो कसले अडचणेंत घुस्पल्लो तो.... हांव मदेर दिनाज़ाल्यार ताचो गाडोच वचपाचो... बाबडो कितें खातलो आशिल्लो... ?’

‘पुरो पुरो... तुवें केल्ले उपकार.. आनी कोणय जाल्यार येन्ना बंगलो बांदतलो आशिल्लो ’.

‘आसूं गो.. तुजी आपली सद्‌दां एकच कटकट ...’

इतल्यांत भायर जोगलां चकचकलीं... आनी गडगड मारलो...

‘आयक... आयक... भायर कितें चल्लां तें... कळटा न्हय तुका हे भाशेचो अर्थ ?...’

मास्तरान भुरग्याक विचारचें तशें तिणें ताका विचारलें...

‘आवयऽऽस कुडकुडो आयलो... च्याक दवर पळोवया

‘जाणां जाणां तुका कसलो कुडकुडो आयला तो... हांव दवरिना च्याक...’

‘दवरिना जाल्यार नाका दवरूं...’

विष्णू भायर वचून सोंप्यार ब्रसलो...रुक्मीणीचें वरवरें चालूच... ताका खबर आशिल्ली रुक्मीण गाळी घालपाक कारण आपूणच.. घर बांदपाची ऐपत आसून लेगीत तें काम रेंगाळटा... तो येवजुपाक लागलो... पोरूं ताणें घराखातीर नळे घेतले... मदेर जमयलें... पारे घालपाखातीर माती फुगयली.. टायप आनी धोडवणेंय भाड्याग मागून हाडलें... कामेऱ्यां मानांयांक लेगीत सांगलें. पूण त्याच दिसांनी रस्त्याचें काम सुरू जालें... आकारवाड्यावेल्यान नवो रस्सो वचपाक लागलो... दिसाक वीस रुपया दिसवडो... गांवचे कामगार लोक सगले रस्त्याच्या कामाक वचपाक लागले. उरली तीं फकत रुक्मीण आनी विष्णू. विष्णूच्या घराचें काम कोणच कानार घेना जालो. घराच्या कामाची तांणी दोगांनीय तयारी केली.

रस्त्याचें काम सोंपोवन रोखडोच घराक हात घालंचो म्हणून... पूण त्याच दिसा सांजवेळा पिर्वोळचो देमू दारांत हजर...

'टायप व्हरपाक आयलां.. तुमचें कांयच जावंना काय कितें रे ?

'रस्त्याचें जालें न्हय रे...'

विष्णू पिरंगलो...

'आमचीय सगली तयारी जाल्या .. हांवं समजलों तुजें घर जालें दिसता...

'मातशें रावल्यार जायना ? रस्त्याचें फकत चार दिसांचें काम आसा...'

'ना... चेड्याचें लग्न फुडल्या म्हयन्याक थारायलां... लोकाचें चेडूं घरा हाडपाचें म्हण्टकच...'

'बरे तर व्हर...'

देमून टायप व्हेलो... शेजाऱ्यान मदेर व्हेल्लें ताचो पत्तोच ना... थोड्या तेंपान ताणें मदेराचे अर्दे पयशेच हाडून दिले... रस्त्याचें काम सोंपलेबराबर येतना वतना शेजारी विष्णूच्या घराची चवकशी करपाक लागले.. विष्णू कितेंय ना कितें निमीत सांगून घराचें काम फुडें धुकलतालो.. पावसाळो सामको तेंकलो तशें ताणें खोंपिकूच परत हात घातलो.. पोरूं अशें पूण अंदूं कशेंय करून करपच.. नित्शय करून तो घरांत गेलो...

अंदूं येन्नाच तयारी करपाक लागल्यार घर उबें जातलें अशें येवजून रुक्मीणीन दुसऱ्याच दिसा घोवाक ताकतीक करपाक सुरवात केली... मिलीर वचून मदेर हाडलें पोरूं माती कालोवन दवरिल्ली ती सारकी केली.. टायप हाडलो. खोंप मोडून बुन्याद खणली...

पारे अर्द्यार पावले.. विष्णू आनी रुक्मीण दीसभर घराखातीर वावुरतालीं.. आनी रातचीं शिंया कुडकुड्यांत आंब्यापोंदा घातिल्ल्या चुडटांच्या माटवापोंदा घराचीं सपनां रंगयत रात सारतालीं...

एक दीस सकाळीं फुडेंच विष्णूची भयण आयली.. विष्णूक कडेन व्हरून तिणें कितें तरी सांगलें...

'आगो... हांगा यो मातशें...'

रुक्मीण उलो आयकून तांचे म्हऱ्यांत गेली...

'ते घराखातीर दवरल्यात ते धा हजार हाका दी...'

'घराचे पयशे.. कित्याक ?..'

रुक्मीणीन विष्णूची भयण मितूच्या तोंडाक पळयलें...

'सामकें संकटांत पडलां हांव.... चेडवान नाक कापलें म्हजें... लग्न लावन दिना जाल्यार तोंड दाखोवपाक लज...'

मितून दोळ्यांत दुकां हाडीत रुक्मीणीचे पांय धरले..

'पंदरा दिसांभितर पयशे पावयतां तुमचे...'

रुक्मीणीन भितर वचून धा हजार हाडले आनी मितूच्या हातांत दिले...

पंदरा दीस जावन गेले पूण मितू पयशे घेवन आयलेंच ना... रुक्मीणीन तिका घराचें काम उरतलें म्हणून रकादार रकाद धाडले. घराचें काम आनीक फकत धा दिसांचें जातलें.. मागीर मेस्ताक आपोवपाचो. रुक्मीण फुडल्या कामाचें येवजिताली..

'आयज पयशे जाय आशिल्ले..'

तीनसांज जाली तशी कामेऱ्यांनी पयशे मागपाक सुरवात केली..

'आनी फकत चार दीस रावात... तुमचे सगळे पयशे हांव पावयतां..'

'पांच दीस जाले आमी काम करतात..... पयशे ना जाल्यार सांजेक जाय तें हाडप खंयच्यान ?'

'फायच्या कामाचे पयशे आयजच घेवन वच म्हणून सांगपी आमकां खूब मेळटात. तूं जर आमचो दिसवडो आयज दिना जाल्यार आमी फायच्यान कामाक येवपाचीं नात...'

रुक्मीणीन तांकां समजावपाचो खूब यत्न केलो. पूण तीं तिचें कांयच कानामनार घेवपाक तयार जालिंनात. दुसऱ्या दिसा सकाळीं कोणच कामाक आयली ना. दर एकट्याच्या दारांत वचून रुक्मीण पांयां पडली. पूण कांयच उपेग जालो ना...

विष्णूच सगळ्याच वटांनी बुचकळ्यांत पडलो. एके वटेन भयण आनी दुसरे वटेन घर...

विष्णूचे सांगणे प्रमाण एक दीस रुक्मीणच मितूगेर वचपाक भायर सरली...

'म्हाका पयशे जाय... घराचें काम अडलां...'

रुक्मीणीन तिका सांगलें..

'तुका पयशे दिवपाक आयज म्हजेकडेन पयशे नात...'

'आमच्या घराचें कशें जावपाचें तर ?...'

‘हांव तुजो पयशान पयसो पावयतां... पूण खरेंच आयज म्हजेकडेन एकय पयसो ना...’

‘तें कांयच म्हाका खबर ना.. म्हाका पयशे जाय.. हांव पयशे दीसर हांगा बसतलीं...’

रुक्मीण आदेसभर थंय बसली पूण फुकट. पयशे मेळपाची कांयच आशा नाशिल्ली.. ती घोवाकच धाडचो अशें येवजून घरा परतली...

दुसऱ्या दिसा विष्णूय तेंच आयकून घरा परतलो... मदेर व्हेल्लो तो शेजारी तरी आपल्याक ना म्हणचो ना म्हणून तो तागेर गेलो.. पूण ताचेकडच्यान कांयच झडपाची आशा दिसली ना.. तो घरा परतलो...

‘आमचें घराचें सपन अर्दकुटेंच उरतलें....’

अर्दकुटें घर पळोवन विष्णून रुक्मीणीक म्हटलें.. फुडलीं उतरां आयकपाचे अवतिकायेन रुक्मीण नाशिल्ली...

‘म्हज्या कश्टांचो पयसो तुजे भयणीन गिळ्ळो.... म्हज्या चेड्याक रावपाक आतां खंयचें घर ? शेजाऱ्यान मदेर गिळ्ळें... म्हजें घर अंदूय उबें जावंक ना.. तांचें दोगाचेंय कशेंच बरें जावचेंना.. देवा तांकां तूंच पळय...’

अशें म्हणून तिणें कपलार हात मारीत जमनीर बसकण मारली...

☆

मिलेर फुटलो

ठण.. ठण.. ठण.. ठण..

गवळाची कवडी उगडून धनगरान बोकडांक हॅक... केल्या उपरांत बोकडां जशी वांकडे–तिकडे दोंके शेंवटीत भायर सरचीं तशीं– शाळेंतल्यान भुरग्यांची झूंड भायर पडली. एकामेकांक धुकलीत, लाथो मारीत, बोवाळ करीत तांणी शाळे भोंवतणचो वांठार तकलेर घेतलो. कोणें एकल्यान दुसऱ्याचो बुशकोट वोडलो... ढुमको मारलो. खांकेंत पट्टी रोमली. दर एकट्यान 'वांगड व्हर वांगड व्हर' म्हणून दुसऱ्याक जायतसो थापटायलो. थापटां खंय आनी कशीं बसलीं कोणाकच कळ्ळीं नात. शाळेंतल्यान भायर सरलेबराबर सगल्या भुरग्यांनी आपापल्यो वाटो धरल्यो.

'शामू... शामू... हो पळय रमेश... मारूं ताचेर ?' रंगून शामूक ल्हवूच विचारलें.

'मार... मार... हरशीं आमी जाय ताका. . आतां आमकां साणून वता... मार तूं... '

ढब्ब... रंगून रमेशाचे फाटीर सणसणीत वडो काडलो.

'आवय ऽ ऽ ऽ गे... '

रमेशान फाटी वळून पळयलें.

'बोल कोणें मारलो म्हजेर ?'

'हांवें...'

रंगून हड्डें फुडें काडीत म्हटलें.

'हांव आवोक सांगतलों... '

'सांग... सांग दाडीमिशी लांब...'

'सांगतलोंच...'

'सांग म्हटलें न्ही... हांव भियेना...'

'आसूं... रे, रमेश... चल या आमी...'

तिगूय चलपाक लागले.

'रमेश, तुका हीं चवथेचीं गणितां कशीं कळटात रे ?'
शामूचो प्रश्न.

'हांव घरा वचून करतां म्हणून. तुमकां शिकोवं ?'

'नाका. कठीण तीं. कामतबाईच वायट... मारता...'
रंगून म्हळें.

'आनी ती दांडेंबाई, कोंकादर.'

शामू.

शामू हावें एक कविता केल्या. म्हणूं ?'

रंगू माचयेर पद म्हणपाक उबो रावचो तसो रावलो.

'म्हण मरे...'

'कामतबाई काम करता... दांडेबाई दांडो धरता. कामतबाई दांडेबाईचें काम करिना जाल्यार... दांडेबाई कामतबाईचेर दांडो मारता... '

रंगूचे कोटयेचेर शामू पोटभर हांसलो. रमेशाक हय न्हयशें हांसपाक आयलें.

'रंगू... राव पेरां काडुया...'

'नाका रे बाबा... आवो सांगता शाळेंत वतना... येतना जावं केन्नाय दुसऱ्यांची वस्त चोरपाक जायना...'

रमेशान म्हळें...

'आवो तुका सांगता... आमकां न्हय... आमची आवो दुसरी...'

शामून म्हळें...

'हांव घरा वतां... 'रमेश...

'वाटेर पेडार देंवचार आसा. तुका खातलो. वयता जाल्यार वच...'

शामून रमेशाक दोळे मोठ्ठे करून सांगलें आनी रंगूक दोळो मोडलो... रमेशाचीं

पावलां थंयच थामली...

'घे... हांगा बस आनी कोणय येता जाल्यार पळय... भितरी भागूबाय...'

रंगून आनी शामून दप्तराचे धपटे रमेशाचेर आपटिले. पेरां काडून जालीं... इतल्यांन थंय माणकुचो टॉमी आयलो.

'टॉमी... टॉमी... रमेशाक खावपाक आयला ?...'

शामून कुत्र्याक आपोवन सांसपिलो... ताणें लागशिल्लीच एक वाल काडली. ताका फातर बांदलो.

'कितें करता रे तें शामू...'

रमेशान विचारलें...

'कांय ना... टॉमीक वखद करतां... रंगू टॉमीक घट धर...'

रंगून टॉमीक घट धरलो. तो फातर टॉमीचे शेपटेक बांदलो. टॉमी फातर वोडीत व्हरपाक लागलो... रंगू आनी शामू मोठ्या–मोठ्यान हांसपाक लागले... रमेशाक मात हांसपाक आयलेंना... हांसतां... हांसतां.. रंगूचें दप्तर जमनीर पडलें. दप्तरांतल्यान चेंडू भायर पडलो. रंगून तो हातांत घेवन जमनीर आपटिलो... जिकलो...

'नवो चेंडू रे ?...'

रमेशाचो प्रश्न.

'हय... कालच जात्रेक घेतलो... म्हज्या मामान'.

रंगून चेंडू बुशकोटाक पुसलो...

'शामू सांचे जात्रेक या मरे ?'...

'हय तर... आयज मज्जा... शिवाजीचें नाटक. फाल्यां रथ...'

'तूं येता मरे रमेश...'

'हय... पूण ?...'

'पिरंगता कित्याक रे ?...'

'पयशे नात...'

'आवोकडल्यान घे मरे...'

'पळोवया...'

'योच तूं... आमी तुका गज्यामाणार रावतात...'

रंगून आनी शामून रमेशाक खूब आग्रो केलो. तो जात्रेक येवपाक तयार

जालो. घरची वाट सोंपता म्हणसर तांणी दोगांनीय जायतीं अवचीनपणां केली. ते तिगूय पयसावले. रमेशान घरांत भितर सरून दप्तर काशेदार दवरलें. हातपांय धुवन तो जेवपाक आयलो. आवयन ताका वाडलें... रमेशान कडयेन शीत कालोवन आवयक विचारलें...

'आवो... हांव जात्रेक वचूं ?'...

'कोणाबरोबर ?...'

'रंगू आनी शामून आपयला...'

आवय वगीच...

'सांग गे आवो... वचूं ?...'

'वयता जाल्यार वच...'

रमेश बेगीबेगीन जेवलो आनी रात जावपाची वाट पळयत रावलो...

रातचीं जेवणां जातकच रमेशान नवो बुशकोट आनी कल्सांव घातलें. केंस वळयले.

'आवो... म्हाका खर्चाक ?...'

आवयन पांच रुपया रमेशाच्या हातार दवरले...

'कश्याय कशे मोडूं नाका. बेगीन घरा यो... भोंवूं नाका... शीं पडटा... बेगीन यो हां...'

'हां आवो...'

गज्यामाणार तिगूय जमले आनी जात्रेंत भरसले...

'शामू... हांव पानपट्टी घेतां...'

'म्हाकाय जाय...'

रंगून आनी शामून दोन पनपट्ट्यो घेतल्यो. बोक्यांत भरल्यो. बोटां चाटलीं...

'तुकाय घे मरे...'

रंगून एक पानट्टी काडून रमेशाक दिली.

'आवो उलयतली...'

'आवोचें मागीर पळोवया... हांगा खंय आसा ती तुका पळोवपाक...'

रमेश पानपट्टी घेवन फाटीं सरलो.

'पयशे दी मरे...'

रमेशान वीस पयशे काडून दिले.

‘तिगांचेय.’

रंगू रमेशाचेर खेंकसलो. शामून रमेशाच्यां बोल्सांतली एका रुपयाची नोट काडली. एक रुपया पानपट्टीवाल्याच्या बोल्सांत. चाळीस पयशे शामूच्या बोल्सांत. मागीर ते गडगडो खेळ्ळे. सोर्त काडली. पयशे रमेशाचे. चणे खायत नाटक पळोवपाक गेले. माचयेवेलो शिवाजी रमेशाच्या सामको मनांत भरलो. शिवाजी पदां म्हण्टा तें ताणें पयलेच खेप पळयल्लें. शाळेच्या पुस्तकांतलो शिवाजी पदां म्हणिना. रंगूक आनी शामूक नाटकाची गोडी नाशिल्ली. नाटक सोंपम्हणसर तांणी फुडें बशिल्ल्या शाळेंतल्या भुरग्यांचेर म्होने चणे मारले. तांणी फाटल्यान पळयलेबराबर भितरले – भितर हांसले. नाटक सोंपोवन घरा वतना तांणी एका रुपयाच्यो विडयो घेतल्यो. हे मात पयशे शामून दिले. रमेशाक विडयो फुस्कोवपाक शिकयत आनी फाल्यां रथाक वचपाचें थारावन ते घरा परतले...

दुसऱ्या दिसा सकाळीं आवयन रमेशाक विचारलें,

‘रमेश, काल जात्रेचें कितें हाडलां रे ?’

‘कांय ना.’

‘पयशे तशेच आसात तर.’

‘ना.’

‘कितें केलें तर ?’

‘मोडले.’

‘कितें घेतलें रे ?’

आवय मातशी तापट जाली.

‘चणे... खाजें... पानपट्टी... फस्क...’ रमेशान जीब चाबली.

‘फस्क कित्याक ?’

‘विडी, गडगडो’

रमेशान सगलें एका दमांत सांगलें.

‘रमेश ?... तुवें विडयो फुस्कायल्यो... गडगडो... पानपट्टी खाली. शेण कित्याक खावंक ना ?’

तिचे दोळे तिडकीन तांबडे जाले. तिणें रमेशाचेर एक थापट मारलें....

‘आयज तुका जात्रा बी कांय ना. हांव जाणाच आशिल्लीं रंगू आनी शामू तवनास. तुकाय तवनास जावपाक जाय ? ते एक यत्तेंत दोन–दोन

वरसां बसतात. तुकाय नापास जावपाक जाय ? पयली शिकप शीक मागीर विडयो फुस्कावपाक . . . .'

'आवो हांव चुकलों . . .'

रमेशान आवयकडेन चूक मागली. आवयन ताका माफ केलो.

सांजेचीं चार वरां जालेबराबर देवळाकडचें रथाचें वाजप रमेशाच्या घराकडेन आयकपाक येवंक लागलें. लोक नवे कपडे घालून रथाक वताले. रमेश दारांत इल्लेंशें तोंड करून बशिल्लो. रमेश दारांतल्यान उठलो. वाजपाच्या तालार पावल्यो मारीत भितर आयलो. आवय फाटल्या दारांत बसून पिनकी गोदडी शिंवताली.

'आवो.'

रमेशान पोलो सांसपिलो. सकाळचें थापट.

'कितें जालें रे ?'

'हांव वचूं ?...'

'खंय ?'

'थंय.'

'थंय म्हणजे खंय ?'

'जात्रेक.'

'पानपट्टी खावपाक ? गडगडो खेळपाक ? काय विडयो फुस्कावपाक ? गरज ना. भायर कसो सरता पळयतां...'

'आवो हांव आयज तशें करचोंना. रथ पळोवपाक म्हाका बाप्पा व्हरतालो. बाप्पा देवागेर वचत सावन तूंय खंयच भायर सरना. म्हणून हांव तांचेबराबर गेलों...'

रमेशान जायत्या तरांनी आवयक सांगून पळयलें. रडलो, रागार फुगार जालो. पूण आवयन ताका जात्रेक धाडलो ना. तो फुडल्या दारांत येवन बसलो. रातची जात्रा ताचे दोळयांमुखार येवपाक लागली. शिवाजीचें नाटक पानपट्टेचें पचक थूऽऽ विडयेची धुंदी, गडगड्याचो बोवाळ...

'शूक... शूक... रमेश...'

रमेशान आवाज येता थंय पळयलें. वंये फाटल्यान रावन रंगू आनी शामू ताका आपयताले. ताणें फाटल्या दारांत पळयलें. आवय गोदडेक चिकटल्ली. तो चोरपावलांनी वंयेकडेन आयलो.

'रथाक येना ?'

रंगून रमेशाक विचारलें.

'आवो धाडिना.'

'योरे तूं... योरे तूं...'

'रंगून आनी शामून एकाबराबर आग्रो केलो.

'पयशे ना'

'आवो पयशे खंय दवरता तें खबर ना ? काड आनी घेवन यो आमचेभशेन...'

रमेशाच्या दोळ्यांमुखार आवय दिसाचो खर्च करून उरिल्ले पयशे घालता तो मिलेर आयलो... ताचे तकलेंत ल्हानशें जोगूल चकचकलें.

'रावात हां येतां...'

रमेश घरांत धांवलो. फाटल्या दारांत पळयलें. आवय पांय पातळोवन बसून गोदडी शिंवताली. ताणें नवें कलसांव आनी बुशकोट आंगांत चडयलो. कुरकुटांतलो मिलेर म्हाका व्हर, म्हाका व्हर, म्हण्टा असो ताका भास जालो. म्होडकरी चवाय ताणें आवाज करीनास्तना कुरकुटा सकयल दवरली. वयर उबो रावलो. हात पावना. फकत दोन बोटां मिलेराचे बसकेक हय न्हयशीं तेंकताली. चवायय मोटवी. ताणें घरभर पळयलें. मिलेराक हात पावता इतली ऊंच आनी कसलीच वस्त घरांत नाशिल्ली. पायापोनची चवाय गडगडटाली. ताणें परत यत्न केलो. हां... पावलो. हात पावलो... गड ऽ ऽ ऽ गड ऽ ऽ ऽ ठो... पयशांचो मिलेर आनी रमेशाची तकली चवायेचो दोंको मोडून वांगडाच जमनीक आपटली... मिलेर फुटलो... पयशेच पयशे... आतां आवय मारतली...

'कितें जालें रे रमेश...'

आवय घरांत आयली... रमेशाचे पांय लटलटपाक लागले...

'पयशे चोरतालो ?... मिलेर कसो फुटलो ?' तिणें ताच्या कानाक घट धरलें... धोलकें बडोवचें तशें तिणें ताका दोनूय हातांनी बडोवपाक सुरवात केली...

'सकाळीं तुका मारूंक ना म्हणून तूं आयज हें करपाक पावलो... सांग पयशे चोरतलो ?... जात्रेक वतलो ?... तवनासां वांगडा भोंवतलो ? विडी वोडटलो ? गडगडो खेळटलो ? पानपट्टी खातलो ?'

दर एका वाक्यावांगडा सणसणीत थापट.

'ना.. ना... आवो... जात्रेक वचचों ना... तुजें आयकतलों... पयशे चोरचोंना... वायट कांयच करचों ना... म्हाका मारूं नाका... आवो...'

रमेशान जिवाच्या आकांतान आवयचे पांय धरले. आवयन ताका मारपाचें बंद केलें दोनय हातांनी उबारलो...

'तुका ही पयली आनी निमणी ख्यास्त... कळ्ळें ?'

अशें म्हणून रमेशाक धुकलून दोळे पुशीत ती भायर गेली...

☆

नवी वाट

शिगम्याचे दीस. आयज चतुर्दस... धोल आनी ताशे न्हिदिल्ल्या वाठाराक जाग हाडटाले... खुबयताले... कितलेशेच मेळ म्हाळशेक नमन घालून वताले... वर्सपित हो दीस येतालो...

म्हादेव, पार्वतिचो घोव चतुर्दशीक वचपाक जेवन तयार जालो. ताचे कुडींत एके तरेचें बळगें भरिल्लें... पावलांक नेट चडिल्लो... चार दीस जाले तो एके वेगळेच धुंदीत वावुरतालो....मेळत ताचेर धेंगशे घालतालो.....

'पार्वति... निळें कापड खंय दवरलां? आनी गंगावन?...'

ताणें बायलेक नेटान विचारलें....

'काशेदांत दवरलां...'

पार्वति पदराक हात पुशीत भायर आयली. काशेद उगडलें...घडी करून दवरिल्लें कापड काडून म्हादेवाच्या हातांत दिलें... गंगावनय दिलें. खूऽऽक करून ती हांसली... चतुर्दशीक वचपाच्या बोवाळांत आशिल्ल्या म्हादेवान तो हांसो आयकलो...

'कितें जालें हांसूंक ?'

'गंगावन.. आंकडे... फुलांचो सट... दर्यायेदें कापड.. सांबाळटलें मूं ?'

ती दुबाव उलयली....

'सांबाळटलें म्हणजे ? तूं कितें म्हाका सामकोच दादलो समजली... ?'

'म्हादेवान हातांत कांकणां चडयलीं... कानांत कुडां घालीं... पार्वति ताका पळयत उबी राविल्ली.

'दांतोणी हाड पळोवया...'

'सारकी बायल कशी दिसता...'

पार्वतिन दांतोणी दीत म्हटलें.

सोप्यार बशिल्लो म्हादेवालो चेडो, पांडू उठून म्हदेवाम्हऱ्यांत आयलो. गंगावन, आंकडे, फुलांचो सट हातात काडून जमनीर दवरलो.. टुकू टुकू करून बापायक पळोवपाक लागलो....

'बाप्पा, तूं बायल जातली ?'

'हूं...'

'बाप्पा म्हाकाय तूं बायल कशीच दिसता...'

ताज्यो गजाली आयकपाक म्हादेवाक वेळ नाशिल्लो. ताणें पार्वतिक म्हटलें...

'बरें... हांव वतां... तूं यो मागीर पांडूक घेवन....'

'ना बाप्पा हांव तुजेबराबर येतलों....'

'नाका.... तूं आवोबराबरच यो...'

म्हदेवान ताका केसोबसो करून फुसलायलो. पार्वति सात वर्सांच्या पांडूक घेवन चतुर्दशीक वचपाक भायर सरली....

म्हाळशे देवळाच्या वाठारांत काजू चंबच्यो तसो शिगमो चंवरिल्लो. जाण्टे, भुरगे आपली पिराय विसरून मेळांत नाचताले... म्हादेव बायलेचे सवंग घेवन एका हातांत लेंस घेवन पावल्यो मारीत नाचतालो... मुखामळावेलें जुवानपण विस्कळ जाल्लें तरी पूण तो बायलेच्या सवंगात सोबीत दिसतालो...

जायते मेळ पांडूचे दोळ्यांमुखावेल्यान पासार जाले. गांवाकणकणी एक–एक मेळ.... धोल ताश्यांच्या आवाजान वाठार गाजतालो... मेळामुखार सवंगां नाचतालीं. घुडयो मळबाक तेंकताल्यो... वोस्सय... वोस्सय... शबै शबै.... शबैऽऽऽऽ जावुयां आमी म्हाळशे भेटे... ह्या वळींच्या तालार मेळांतले सगले लोक पावल्यो मारताले... सगल्यांचेर एके तरेची

धुंदी चडिल्ली... चलप, उलोवपांत नेट दिसतालो. ल्हान भुरगीं घुमचे कटर घूम म्हणत भेंडां हालयतालीं. मेळ पयस पावल्यार लेगीत धोल ताश्यांचो आवाज कानांत घुमतालो.

नमन घालून जातकच म्हादेव पार्वति म्हऱ्यांत आयलो. पांडूक ताणें आपले बराबर आपयलो. ताका खाजें, भजीं बी घेवन दिलीं.

'पांडू, घरा या मरे ?'

म्हदेवान पांडूक विचारलें.

पांडू आनी म्हादेव गर्देंतल्यान वाट काडीत चलपाक लागले. वाटेवेल्या जुआंवांचे गादयेर पावतकच म्हादेवाचीं पावलां थामलीं. पांडूक रस्त्याचे कडेक बसोवन म्हादेव गुत्यार गेलो.

पांडून खाज्याची पुडी सोडोवन खाज्याच्यो बोयो खावपाक सुरवात केली. तो बसला थंच्यान म्हादेवाक पळयतालो. म्हादेवान नाबीर नोट दवरली. कितल्याची तें पांडूक दिसलें ना. काळ्या किट्ट जुआंवान ती नोट काडली. ग्लास भरलो... म्हादेवान तो गटागट पियेवन सोंपयलो.

'म्हादेव, म्हजोय ताळो सुकला मरे...'

म्हादेवान जाण्टेल्याच्या हातार मोडचे पयशे दवरले.....

'चल या पांडू...'

पांडून खाजें कागदांत गुठलायलें. म्हादेवाचें बोट धरून चलपाक लागलो.....

अर्द वाटेक पावतकच म्हादेवाचीं पावलां घुस्पपाक लागलीं. दोळे तांबडे गूंज जाले. तो कितेंसो बडबडपाक लागलो. एक–दोनदां थू करून थुकुलो. 'नुतयेचो शिंवर पांडूच्या तोंडार पडलो.

'शी ऽऽऽ हळशीक... सोऱ्याचो वास कसलोसोच...'

पांडून म्हटलें....

कशेबशे पेणे करीत ते घरा पावले....

म्हादेव सदांच सोरो पितालो. सोऱ्याच्या व्यसनाक लागूनच एक दीस पार्वतिक एकटी सोडून म्हादेवान सर्गाची वाट धरली. पार्वति पांडूच्या तोंडाक पळोवन दीस सारताली.

एखादो कावतो सारें मेळटकच भर्र् करून वाडटा तसो पांडू दांगापांगानी वाडलो. सात वर्सां कशी गेलीं कळ्ळेंच ना. अंदू धोलार बडी

पडनाबराबर पांडूच्या शिरांतलें रगत खतखतपी तेलावरी सळसळ्ळें. नवे कपडे घालून... माथ्याक पार्वतिच्या कापडाचो फेटो बांदून तो भायर सरलो... पोरसांतले आबोल्यांचे गोण फेट्यांत खोंयले....

'आवो... हांव वयता गे...'

पार्वति भितरल्यान भायर आयली.

'आवो... तूं येतली मगे ?'

'ना... फाल्यां पळोवयां...'

'पळोवंया बी कांय ना... फाल्यां तुवें येवपाकच जाय... हांव चेडूं जातलों... बाप्पासारको...'

पांडूच्या आंगांत चेडवपण धुगडूस घालतालें. तो लजलो. पार्वतिचे दोळ्यांमुखार म्हादेवाचें बायलेचें संवंग आयलें....

'आवो... म्हाका पांच रुपया...'

पांडून कान खरपीत पार्वतिक पळयलें.. तिणें रोखडीच पदराची गांठ सोडोवन ताच्या हातार पांच रुपया दवरले... तो पिटकोळ कसो उडयो मारीत नाच जालो. पार्वति ताका पळोवन मनातले मनांत हांसली.

पार्वतिन काशेद उगडलें... म्हादेव चतुर्दशी दिसा न्हेसतालो तें कापड तिणें काडलें. घडी सोडली... झिरझिरिल्लें... बुराक चुकोवन ती तें न्हेसली. चतुर्दशीक वचपाक भायर सरली.

'आवो... हांव वयता गे...'

पांडून म्हटलें...

'आयक रे... राव रे... म्हजें आयक.... नमन घालून जातकच जुआवांचे गादयेकडेन हांव तुका रावतां थंय यो...'

'बरें... बरें...'

पांडू गेलो....

'यो रे.... रावतां हांव...'

मेळ नाचत नाचत येताले... म्हाळशेक नमन घालून वताले... पयसुल्ल्यान पार्वतिन धवी घुडी नाचयत मेळ येता तें पळयलें.. पांडू चेडूं जालां... म्हाका हे गर्देंत दिसतलो काय ? कसो दिसता काय ?......

मेळ लागीं पावलो. तिच्या दोळ्यांमुखावेल्यान पासार जालो. धोल ताश्यांच्या आवाजान पार्वतेचे कान भेरेले. दोनय पांयांच्या खोंटांर उबी

रावन पार्वतिन पळयलें. गर्दैंत तिका पांडू दिसलोच ना...

गुत्याकडेन चार पावलां पयस उबी रावन पार्वति पांडूची वाट पळयताली...

'आवो....'

पांडून पार्वतेक उलो मारलो... ती ताका वळखपाक विसरली... पांडू चेडवाक लेगीत फाटीं वडयतालो.

'आवो वळखली नागे ?...'

आयलेबराबर ताणें बडबड सुरू केली. आपूण कसो नाचलों... आपल्या इश्टांनी आपल्याक बायल म्हणून कशे खांदार हात घातले सगलें ताणें पार्वतेक सांगलें....

पदराची गांठ सोडोवन तिणें पांडूच्या हातार पांच रुपयांची नोट दवरली...

'आवो... भजीं हाडूं ?...'

'नाका... गुत्यार वच आनी इल्लें घे...'

'आंवंय ऽऽऽऽ....'

पांडून नाक खळवटलें.

'तुजो बाप्पाय आयज इल्लें घेतालोच. तें घेतले बगर शिगमो जायना...'

पांडूक बाप्पाची याद जाली.

'चल पांडू... आयज इल्लें तरी घे...'

'नाका आवो...'

'चल पुता... नाजाल्यार परंपरा मोडटली...'

पार्वतेन पांडूक खूबच आग्रो केलो... पांडूची नदर भोंवतणच्या वाठारार भोंवली. रस्त्याकडेन शिगमो फुलिल्लो... पदांच्यो वळी... किळचाट्यो.... हांसपाचो आवाज आयकपाक येतालो... मदीं–मदीं गाळींचो शिंवरय...

पांडून सुटना जावन नोट घेतली. बाप्पा झेतान वचून नाबीर नोट दवरतालो... पांडूच्या पोटांत खवळ्ळें.. सोऱ्याचो वास... दोन पावलां पयस उबो रावन ताणें पळयलें.. शी ऽऽऽ एकट्यान पिल्लो ग्लास धूय लेगीत नाशिल्ले... त्याच उशट्या ग्लासांत दुसरो पितालो..... तें किळसवाणें वातावरण पळोवन नोट बोलसांत घालून तो परतलो... विटिल्लेभशेन तोंड

करीत तो पार्वते म्हऱ्यांत आयलो.... पार्वतेन म्हटलें...
'घेतलें मरे ?'
'हय... आवो...'
पांडून गुळमुळीतशी जाप दिली... थू... ताणें लकिल्लेभशेन केलें...
'सवकास... सवकास...'
'आवो... तकली गिरगिरता... पोटांत कितेंशें जाता... थू...'
'भियेवं नाका... म्हजो हात धर...'
तीं दोगांय हात धरून चलपाक लागलीं... पांडू बळयां पांय वोडीत चलतालो...
पांडूक बाप्पाची याद जाली... सदांच ताबडेगूंज दोळे... थुकत थुकत चलप... आवोन एक दीस म्हटलेलें बाप्पाक चतुर्दशीक लागूनच सोऱ्याचें व्यासन लागलें... संवसाराचो गोबोर केलो... बाप्पा सोऱ्याच्या नेटार आवोक बडयतालो...
पांडून हांतरुणाक फाट तेंकयली पूण ताका न्हीद येना जाली.... बोलसांत पांच रुपयांची नोट. कितें करचें ह्या पांच रुपयाचें... येवजितच तो न्हिदलो...
पांडू फांतोडेर उठलो... बांयचेर वचून न्हालो... घरांत येवन कपडे केले आनी भायर सरलो... देवळांत वचून ताणें भटाकडेन ती पांच रुपयांची नोट दिली. देवाचो तिर्थप्रसाद घेवन तो घरा परतलो....
'आवो... देवाचें तीर्थ..'
एक ल्हानशी तिर्थान भरिल्ली बाटली पांडून पार्वतेच्या हातार दवरली.
'आयज हें देवसपणशें ?...'
पार्वतेचो प्रश्न.
'शिगमो न्ही...'
'तूं देवळांत गेल्लो ?...'
'हय...'
'हे पयशे खंयच्यान खर्च केले ?...'
'कालचे... तुवेन सोरो पिये म्हणून दिल्ले ते...'
'तूं सोरो पियेलो ना ?'
'ना... काल तुवेंन दिल्ली ती नोट घेवन गुत्यार वतकच म्हाका बाप्पाची

याद जाली. हांव सोरो पियेवंचो ना...’

पार्वती ताका पळयतच उरली...

‘आवो तीर्थ प्रसाद घेयना ?.....’

‘हय पुता...’

पार्वतिन तीर्थ घेवन पिलें... दोनय हात जोडले... मनांतले मनांत ती कितेंतरी पुटपुटली.....

☆

22.3.94

आमचीं कांय नवीं प्रकाशनां

- साहित्य सुवाद
  — डॉ. मनोहरराय सरदेसाय
- चित्रांगदा
  — पांडुरंग भांगी
- मृद्‌गंध
  — सुरेखा तोटेकार
- सैम-घुडी
  — उदय गांवकार
- पारजत फुलां
  — नरेंद्र कामत
- जैत
  — श्रीधर कामत
- शीला
  — एन्. सुहास
- गाज
  — शशिकांत पुनाजी
- मोतयां
  — रोहिदास मंगेशकार
- अक्षयदिवो
  — आनंद वर्टी

....अशेंच एके रातीं तो उठलो. जड दोळ्यांनी सरस्वतीचेर एक नदर उडयली. जागरणान ती सुस्त न्हिदिल्ली. तो भायर फाटल्या दारांत आयलो. थंड वाऱ्यान ताचें आंग शिरशिरलें. बांयचें धडेर गेलो. एक... दोन... तो थांबलो. जीव दिल्यार हांव अधोगतीक वतलों. म्हज्या आत्म्यांक शांती मेळची ना. हांव एक मोठो विद्वान अशें लोक म्हाका मानतात. पिडेक भिंयेवन जीव दिवप ? ना... हांव भिवकुरो न्हय... हांव जीव दिवचोंना... पूण हे त्रास... वळवळे... हांव जीव दितलोंच... लोक कितेंय म्हणूं... म्हजो आत्मो घुटमळचो ना... शांत जातलो. हांव मेलों जाल्यार सगलीं सुट्टलीं.

'जगदंबे पाव...'

गजाननान आपली कूड बांयंत झोकून दिली.

आवाज़ान घरांतलीं मनशां जागीं जालीं. बोवाळ जालो... गजाननाचे हांतरूण रिकामें... सरस्वतीन व्हडल्यान किळांच मारली. तीय बांयकडेन धांवली. शेजारी पाजारी जमले. गजाननाची कूड कोणें तरी उडी मारून वयर काडली. हापापो आशिल्लो. जीव वचूंक ना... आगांत हुनसाण जाणवताली म्हणटासर कोणें वचून दोतोराक हाडलो... मरणाच्या दारांत पाविल्लो गजानन परत आपल्या घरांत आयलो....

(कथेवयल्यान)

ISBN 81-85339-92-9